कोंकण टायम्स

दिवाळी अंक
१९९२
रु. ५/-

गोंयकारांच्या एकवटाचो बावटो सकयल पडपाक दिवंक जायना

सगळ्याक
नव्यावर्साची
परबी
नव्यावर्सांत
भावपण नांदू
आनी
मनशामनशांमदले
भेद पयस सरूं

आमी सगले गोंयकार गोंयचे भूंयेचे पूत. मांडवी– जुवारी न्हयचें उदक आमच्या शिरांनी घोळटा. दर्याची गाज आमच्या काळजांत गाजता. हांगाच्या तांबडे मातयेचो रंग आमच्या रगतात उदेला. कोंकणी संस्कृतायेतल्यान आमची बुद्ध तरतरता आनी कोंकणी भाशेतल्यान आमचो मोग उगतो जाता. आमी सगळे एक. आमी आमचो एकवट राखून गोंय वेगळे उरपाखातीर यत्न केले. गोंयकाराचो एकवट राखपी कोंकणी भाशेक राजभाशेचो मानाचो पाट मेळोवन दिलो. भारताच्या संविधानात तिका हक्काची सुवात मेळोवन दिली. गोंय घटक राज करून घेवन गोंयकार आपल्या राज्याचे धनी जाले.

आतां आमच्या मदी जाती धर्माच्या नांवान धोशी घालपाचे यत्न जातात. व्यक्तीं मदली दुस्मानकाय, दुस्वास, दुराग्रह आनी स्वार्थ हाका लागून एकवटाक चूड, लागू येता. इल्ल्याश्या कारणाक लागून न जोडपासारखी वेर वचूं येता. तेन्ना आमी शादूर रावपाक जाय.

गोंयकाराचो एकवट उरल्यार गोंयचे गोंयपण उरतले, गोंयची अस्मीताय राखपाक शक्य जाल्ले आनी गोंयकाराचें हितसंबंद सांबाळपाक जातले. गोंयांतले वाट्टे उद्येगीक वसाहतील लागून आनी उदरगतीच्या व्हडले गतीखातीर गोंयकार अल्पसंख्यांक जावपाचे आसा. फ्री पोर्ट आनी विदेशी लोकांच्या वसाहतीक लागून आमचे संस्कृतायेक, भाशेक, आनी अस्मितायेक धोको उप्रासला.

गोंयकार गोंयचे धनी पूण गोंयकार वाटेर पडपाचे आसात. तेन्ना हें अरिश्ट पयस दवरतलो जाल्यार गोंयकाराचो एकवट गरजेचो. एकवट तिगलो तरच गोंयकारांक संघटीतपणान आवाज काडपाक मेळटलो. गोंयकारांच्या हिता आड जे जे उप्रासता ताचेकडे एकवटान झुजपाक शक्य जातलें. आनी गोंयकाराचो फुडार सुगूर उरतलो. ह्या खातीर गोंयकारांच्या एकवटाचो बावटो वयर उखलून धरूया आनी अभिमान हुबोवया.

– संपादक

● संपादक
तुकाराम शेट

● संपादन पालव :
निलबा खांडेकार
महादेव भोसले

● उजवाडावपी :
हिरा शेट

● छापपी :
रवि मुद्रणालय, बेळगांव
फोन : २३०७९

कोंकण टायम्स पब्लिकेशन
बेती, बार्देश, गोंय -४०३१०१

○ लेखांतली मतां त्या त्या बरोवप्याची. – संपादक.

Regd. No. 39874/83

बरपावळ

- संविधानाच्या आठव्या परिशिष्टांत कोंकणी
  संविधानाच्या संदर्भांत परिणाम आनी सरकारी थोरणाखाला आदाव
  – उदय भेंब्रे
- बे-सूर
  – चंद्रकांत केणी
- सांगातान कोंकणी फुलोंवया
  – प्रो. डॉ. ओलिवीन्यू गोमिश
- परबो आनी सैमीक संतूलन
  – श्याम वेरेंकार
- घोंटेंर
  – शीला कोळंबकार
- तीन कविता
  – प्रकाश पाडगांवकार
- मायेची कसरत
  – ज्योती कुंकळकार
- बालगितां
  – तुकाराम शेट
- केरळांतले कोंकणी इतिहासकाव्य आनी कथात्मक काव्य
  – शरतचंद्र शेणै
- शिंवर (कविता)
  – निलबा अ. खांडेकार
- महाविद्यालयीन कोंकणी शिक्षणांतले प्रश्न
  – अमृता देसाय
- गोंय राजभास कायदो आनी ताची अंमलबजावणी
  – प्रकाश वि. तळवणेकार
- गोंयचे बेकारेचो प्रस्न आनी उपाय
  – सखाराम गोविंद शेणवी बोरकार

- म्हाका आवडलेलें कोंकणी पुस्तक 'पांयजणां'
  – मिलन वांयगणकार
- गोंयचें पर्यावरण
  – वर्षा वि. नायक
- शणै गोंयबाबाचो कोंकणी भाशेविशी संशोधनात्मक वावर
  – सुनिता गांवस
- गोंयचे बेकारचो प्रस्न आनी उपाय
  – मीना प्र. सातोस्कार
- गोंयचे पर्यावरण
  – स्मिता हेवे
- गोंयची अर्थवेवस्था
  – सौ. सरिता सं. वेरेंकार
- नवो सोद
  – मीना रेडकार

कविता

- चित्रशलभ
  – शरत
- म्हासागरांत
  – परेश नरेंद्र कामत
- गर्भपात, भास
  – सुनिता (सोनिया) सुभाष शाह
- मास्तरानो तुमीं चुकले
  – मांगिरीश शां. काकोडकार
- तुजीच म्हाका याद येता
  – जॉन एम. आल्फोंसो

सगल्यांक परबो

– कोंकण टायम्स

संविधानाच्या आठव्या परिशिष्टांत कोंकणी

संविधानाच्या संदर्भात परिणाम आनी सरकारी धोरणाखाला आदाव

– उदय भेंब्रे

१. संविधानाच्या आठव्या परिशिष्टांत कोंकणी भाशेचो आस्पाव करपाचें विधेयक संसदेच्या दोनूय सभांनी पास केलां. ह्या विधेयकाक राष्ट्रपतीची मान्यताय मेळ्ळी म्हणटकूच कोंकणी आठव्या परिशिष्टांतल्या अठरा भाशांमदीं बसतली. हे घडणुकेचो संविधानाच्या संदर्भांत अर्थ कितें आनी सरकारी धोरणाच्या संदर्भांत ताचो कोंकणी भाशेक आनी कोंकणी लोकांक आदाव कितें हाचो सोद घेवपाचो हो यत्न.

– संविधानाच्या संदर्भांत –

२. संविधानाचे दोन अनुच्छेद (Articles) आठव्या परिशिष्टाचो उल्लेख करतात. राष्ट्रभास म्हूण हिंदीचो आवांठ वाडोवपाच्या संबंदान हे अनुच्छेद आसात. तांच्या संदर्भांत कोंकणीक आदाव जाता तो असो –

– अ –

३४४ (१) अनुच्छेदाखाला देशाची राजभास म्हूण हिंदीचो वाडटो उपेग करपाच्या संबंदान सुचोवण्यो करपाक आयोग नेमपाचो तजवीज आसा. ह्या आयोगाचेर आठव्या परिशिष्टांतल्या भाशांक प्रतिनिधीत्व मेळटा. कोंकणी आठव्या परिशिष्टांत वचप म्हणचे त्या आयोगाचेर कोंकणीक प्रतिनिधीत्व मेळना.

– आ –

३५१ अनुच्छेदाखाला राष्ट्रभास म्हणून हिंदीची गिरेस्तकाय वाडोवपाक आठव्या परिशिष्टांतल्या भाशांतल्यान उतरां घेवपासंबंदान तजवीज आसा. हे तजवीजेप्रमाण हे फुडें राष्ट्रभास म्हूण हिंदीचो आवांठ वाडोवपाक कोंकणीचो हातभार लागूंक पावतलो.

३. इतल्यान संविधानाचो संदर्भ सोंपता आसलो तरी केंद्र सरकाराच्या धोरणाप्रमाण सरकारी खात्याक, सरकारान स्थापन केल्ल्या संस्थांक, येवजणुकांक आनी कार्यावळींक आठव्या परिशिष्टांची फास्की घाल्ली आसा. आजमेरेन तीं सगलीं दारां खंयचीं तें पळोवया.

(१)

केंद्र सरकार आठव्या परिशिष्टांतल्या भाशांचे उदरगतीपासत अनुदान दिता. ह्या अनुदानाचो लाभ जाल्यार कोंकणी भास आनी साहित्य हांचे उदरगतीचीं चक्रां जलद गतीन घुंव येतात. ह्या अनुदानाची येवजण कशी आसता. तें कितलें आसता आनी ताचो उपेग कसो करपाचो आसता हाचो अभ्यास करचो पडटलो. कोंकणीचे उदरगतीक अर्थीक पालव मेळपाचे नदरेन ही संद मोलादीक जावं येता.

(२)

भारतीय चलनांतल्यो ज्यो नोटो आसत ताचेर नोटांचो व्हालोर आठव्या परिशिष्टांतल्या भाशांनी बरयल्लो आसता. हेर सतरा भारतीय भाशावांगडा कोंकणींतूय तो छापून येतलो.

(३)

युनियन पब्लिक सर्वीस कमीशन ज्यो परिक्षा घेतात त्या परिक्षांच्या माध्यमाक आठवें परिशिष्ट लागू जाता. आठव्या परिशिष्टांत कोंकणी भाशेच्या माध्यमांतल्यानूय घेवपाची जापसालदारकी त्या कमिशनाचेर येता आनी कोंकणींतल्यानूय त्यो परिक्षा घेवच्यो अशी मागणी करपाचो अधिकार कोंकणी लोकाक येता.

(४)

केंद्र सरकारान केल्ले सगले कायदे आठव्या परिशिष्टांतल्या भाशांनी अणकारचे आसतात. कोंकणीच्या आस्पावा उपरांत तांचो अणकार कोंकणींतूय जावचो पडटलो. तेखातीर कायद्याची उतरावळ तयार करची पडटली आनी अणकारांतल्यान कायद्याच्या मळार कोंकणी भाशेंत खूबशें साहित्य तयार जातलें. अणकाराखातीर कोंकणी भाशेच्या बऱ्या जाणकारांची गरज लागतली आनी अणकाराच्या वाबराची ओड आशिल्ल्यांमुखार मोटो वावर उबो जातलो.

(५)

नॅशनल बूक ट्रस्ट ही संस्था विंगड विंगड भाशांच्या माध्यमांतल्यान साहित्याच्या आदान प्रदानाचो वावर करता. हे संस्थेंत कोंकणी साहित्याचोय विचार करचो अशे यत्न हे आदीं जाल्यात, पूण आठव्या परिशिष्टाच्या हुमन्यार कोंकणी आडखळून उरल्या. आतां हे संस्थेचें दार कोंकणीक उक्तें करचें पडटलें आनी ते संस्थेच्यो कार्यावळी कोंकणीकूय लागू करच्यो पडटल्यो. तशें घडून येतकूच कोंकणी साहित्याची वळख हेर भाशिकांक आनी इंग्लीश वाचतल्यांक मोटचा प्रमाणार घडून घेवंक पावतली. हे संस्थेच्या वावराचो खूब आदाव कोंकणी साहित्याक जावंक पावतलो. कोंकणी बरोवप्यांची वळख देशाक चड बरे रितीन घडूंक पावतली. संपादन, अणकार हांची गरज उप्रासतली आनी कोंकणी साहित्यकारांक कितल्योशोच संदी उक्त्यो जातल्यो.

अशे तरेच्या आनिकूय संस्थांचीं दारां कोंकणी भाशेच्या संशोधनाक उक्तीं जावपाचीं आसात. ह्यो संस्था खंयच्यो, तांचो वावर कितें आनी कोंकणीक तांच्या वावराचो लाब कसो जावं येता हाचेर खोलायेन अभ्यास जावंक जाय.

(६)

आकाशवाणी आनी दूरदर्शन हांच्यो कांय खाशेल्यो कार्यावळी फकत आठव्या परिशिष्टांतल्या भाशांपासत उक्त्यो आसतात. (देखीक : प्रजासत्ताक दिसानिमतान जाता तें कविसंमेलन). ह्यो कार्यावळी कोंकणीक उक्त्यो जातल्यो आनी राष्ट्रीय पांवडचार साहित्यकार– कलाकार हांका उजवाडांत येवपाची आनी आपणाली तांक दाखोवपाची संद मेळटली

दूरदर्शनाचेर कोंकणी फिल्मां दाखोवपाच्या संबंदान सोंपेपण येतलें आनी आठव्या परिशिष्टाची आडखळ हे फुडें उरची ना.

आकाशवाणीचेर कोंकणींत राष्ट्रीय पांवडचार खबरो दिवपाची तजवीज करची पडटली.

(७)

हेर देशांनी भारताचे सांस्कृतीक महोत्सव जातात, तातूंत कोंकणी साहित्यकार– कलाकार हांचो आस्पाव आजमेरेन जावंक ना. कोंकणी आठव्या परिशिष्टांत ना हें कारण त्या संबंदान सांगताले. ती आडखळ आतां उरची ना आनी कोंकणी कलाकारांक संवसारीक पांवडचार आपणाले कलेचें दर्शन घडोवपाची संद उक्ती जातली. संवसाराक भारतीय संस्कृतायेच्या कोंकणी रंगाची वळख घडोवपाक हे संदीचो उपेग संवसाराक भारतीय संस्कृतायेच्या कोंकणी रंगाची वळख घडोवपाक हे संदीचो उपेग जातलो. कलाकारांची नामना वाडूंकूय हाचो उपेग जावं येता.

(८)

संसदेत कोंकणी भाशीक वांगडचाक अधिकारान कोंकणींत उलोवंक मेळटलें. कोंकणी भाशणांचो अणकार करपाची वेवस्था संसदेंत करची पडटली. ह्या मळार कोंकणी लोकांक नव्या वावराचें आनी सेवेचें दार उक्तें जातलें.

(९)

केंद्र सरकाराचीं कांय खाती गरजे प्रमाण निबंदांच्यो वा हेर तरांच्यो स्पर्धा जाहीर करतात. असल्या स्पर्धांक कांय वेळार आठव्या परिशिष्टाचें बंधन आसता. (देखीक : हालींच जाहीर जाल्ली पर्यावरण खात्याची स्पर्धा) असल्या स्पर्धांचीं दारां आतां कोंकणीपासत उगडीं जातली. त्या निमतान कोंकणी लोकांक राष्ट्रीय पांवडचार तांक दाखोवपाची संद मेळून इनामां आनी नामना जोडपाची वाट मेकळी जातली.

(१०)

ज्ञानपीठ पुरस्कार दिवपी सस्था आठव्या परिशिष्टांतल्या भाशांचोच विचार करता. कोंकणीक आतां ह्या पुरस्काराचें दार उकतें जातलें आनी एक मोटें आव्हान पेलपाची तशेंच कोंकणीक व्हड नामना मेळोवन दिवपाची संद कोंकणी साहित्यकारांच्या वांटचाक येतली.

(११)

हे वळेरेंतल्या कांय मळावयल्या वावरा खातीर वेगवेगळ्या गुणांचे, पात्रतेचे लोक लागतले. ते नदरेन कोंकणी भास उलोवपी लोकाक सेवेची वा वेवसायाची नवीं क्षेत्रा उगती जातलीं. Job opportunities तयार जातल्यो.

(१२)

केंद्र सरकारच्या कांय खात्यांच्या– भौ करून शिक्षण, विज्ञान सांस्कृतीक वेव्हार ह्या खात्याच्यो येवजण्यो आनी कार्यावळी परिशिष्टांतल्या भाशांकूय लागू जातात. हे आदी मागणें करुनूय कोंकणीक तांचो लांब मेळूंक ना. तो लाब हे फुडें मेळूंक पावतलो. मात ह्यो येवजणो आनी कार्यावळी खंयच्यो ताचो सोद घेवन कोंकणीखातीर तांचो लाब कसो घेवं येत हाचो अभ्यास जावंक जाय.

अशें भाशेंन आठव्या परिशिष्टांतलो आस्पाव कोंकणी भाशेक भौमानाची सुवात तर दिताच, पूण तेंच वांगडा कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय हांचे उदरगतीचीं कांय मळां उकती करून उदरगतीची गती वाडोवंक आदार करता आनी कोंकणी भास उलोवपी लोकांक राष्ट्रीय पांवडचार नव्यो संदी दिवन कोंकणीच्या माध्यमांतल्या ताच्या कर्तुत्वाच्या मळाचो आंवाठ वाडोवंक आदार करता. हाचो चडांत चड फायदो कसो करून घेवचो तें थारावचेखातीर आदीं अभ्यास आनी उप्रांत फावो त्यो येवजणो आनी कार्यावळी हांची आंखणी करपाच्या वावराक आतां लागूंक जाय.

(गोवा कोंकणी अकादेमीन आयोजित केल्ल्या परिसंवादांतलो एक पेपर)

–※–

बे–सूर

– चंद्रकांत केणी

भर पावसांत म्हाका बेळगांवां वचपाचें नासलें. पूण इश्टांचो आग्रो जालो आनी तांका वायट दिसतलें इतल्याच विचारान हांव कबूल जालो. म्हज्या कामाक हांव जेन्ना बेळगांव वतां तेन्ना सांगाताक कोणय जाय हे खातीर हांव तांकां आपयतां आनी ते आपली कामा कुशीक दवरुन म्हज्या वांगडा येतात. ताणी आपयतकच ना कसो म्हणटलो ?

आमी सकाळी स वरांचेर भायर सल्ले. घोंग्यानी पावस रकतालो, मनांत आयले कि घाटार पावतासर पावस मात्सो उणे जातलो. तो मेरेन अडचण सोंसपाची. पूण त्या दिसा मळबाक गळटी लागिल्ली. अनमोडा उपरांत जरी पावसाचो नेट उणे जालो तरी तो झडत रावलो. बेळगांवचो पावस हो उबगणेचो. पिरपिर तल्या भुरग्यासारको. सगळे वाटेर निसरड, डांबरी रस्त्याचे कुशीक चिखल. हॉटेलांत वचून रुमांत जीव घालो तेन्ना सुसेग जालो.

म्हजें इश्टां सांगातान बरें जुळटा. पूण जेन्ना तांकां तान लागता तेन्ना म्हजी अवस्था किते जाता तें तिन्न्यांक सांगून कळवें ना. तातूंतय जेन्ना ते गोंयाभायर वता तेन्ना पिकनिकेच्या मुडांत आसतात.

सकाळचीं धा वरां जाल्लीं. पयलो निर्णय आमी घेतलो तो असो कि जो मेरेन पावस थांबचो ना तो मेरेन भायर वचप ना.

म्हजेकडेन एक पुस्तक आसलें. तें हातांत घेंवन हांव कॉटीचेर आडवो जालों. पूण सांगाती म्हाकां थंडसाणेन वाचूंक दिवंक कबूल नासले. ताणी इस्पिको भायर काडल्यो आनी खेळपाची तयारी केली. म्हाका एक दोन तरांचे खेळ खेळूंक येतात. पूण त्या खेळांचे म्हाका व्हडलेशें आकर्शण ना. तरी सांगात दिवपाखातीर हांव खेळूंक बसलो. दोन चार दाव जातात म्हणसर भायले वटेन वत आयलें.

'चला. आतां खेळ थांबोवया. भायर वत आयला.' हांवें म्हळें.

काम आशिल्ले तें एकल्यालेंच, पूण आमकां सगळ्यांक ताणे मोडून आपल्या सांगातान व्हेले. पावस थांबिल्लो तरी रस्त्याचेर चिखल आशिल्लो आनी उखलिल्ल्या पावलासरसी तो उसळटालो.

सुमार दोन वरां आमी भोंवले आनी उपरांत हॉटेलांत परतले. आतां दुसरी बैठक सुरु जाली. ते बैठकीची तयारी ताणी सकाळच्यान केल्ली. बेळगांवां वतकच हांव पाचक आवडीन घेतां. पूण म्हज्या मित्रांक 'तान' इबाडपाची नासली. हांवें एकल्यानच पाचक घेतलें आनी तांच्या सांगातान हॉटेलांत येतकच एका इश्टान म्हळे, 'आतां तूं तुजे पुस्तक वाच ना जाल्यार खंय वचून येतलो जाल्यार या.'

पिकनिकेचो मूड. टिपॉयचेर स्कॉचची बाटली. ती वेबच्या आदीच म्हज्या इश्टांक चडिल्ली. कोण गायतालो कोण विनोदी चुटके सांगतालो. आपले परीन ते खोशी मनयताले.

बेल वाजोन ताणी वेटराक आपयलो आनी सोडा, बर्फ, पापड हांची ऑर्डर दिलो. म्हाका विचाल्लें, 'तुजे खातीर किते मागोवं ? लिंबू सोडा ?'

'म्हाका कांय नाका.' हांवें म्हळें, 'तुमची बसका सोंपसर हांव वाचतां.'

वेटर गेलो आनी सगळ्यो वस्तू घेवन येसर ताका सुमार पंदरा मिनटां लागलीं. पूण ती पंदरा मिनटां लेगीत तांकां चड दिसली. ल्हान भुरग्याची हुतहुतेपणा ताणी त्या वेळार केली. निमाणें वेटर आयलो. सोडाच्यो बाटल्यो उकत्यो जाल्यो, व्हिकीचे ग्लास तयार जालें आनी पिकनिकेक आयिल्ल्या भुरग्यांमाशेन तिगांनीय ते हातांत उखलून व्हडान 'चियर्स' म्हळें.

एकल्यान वेटराच्या हातार धा रुपयांची नोट दवल्ली. ताणे जे तरेन सलाम ठोकलो तो पळयतल्याक तो कितलो खुशालभरीत जालां हें कळटालें.

'आतां तूं वच.' एकल्यान वेटराक सांगलें, आनी बॅल, बाजयतकच रोखडो यो.' हातांतली रिकामी ट्रे खाक्यांत मारुन वेटरान तकली हालयली आनी तो गेली. वतना ताणे दार ओडून घेतलें.

एकल्याक म्हजी फकाणां करपाची बुद्द जाली. ताणे म्हाका विचाल्ले, 'तुवें व्हिस्की केन्नाच घेवंक ना. आनी घेना आसतनाच ती वायट अशें तूं कशें तूं म्हणटा ? हांव तुका सांगता व्हिस्कीपरस सोडा वायट.'

सगळे हांसलें.

'गॅस जाता म्हणटा तू ?' हांवें विचाल्लें.'

'न्हय. आतां पळय, व्हिस्केंत सोडा घालो आनो ती घेतली जाल्यार लागता रम घे, जीन घे नाजाल्यार फेणी घे. सोडा

घालून घेतल्यार लागला. म्हणटकच तूंच सांग सोडा हो वायट न्हय ?'

ज्योक सामको पाचकळ. पूण विवेक खुंटचाळचाक लावन पिवंक बशिल्ल्याक हासूंक तितलें निमित्य पुरो आसलें.

एकलो इश्ट नाटकी. तो जात्रानी जातल्या नाटकांनी काम करता. खुबशा नाटकांतलें संवाद तांका तोंडपाठ. राम गणेश गडकरीच्या 'एकच प्यालां'तलें तळीरामाचें भाषण ताणे तावातावान म्हणून दाखयलें आनी बसकेंत रंग हाडलो.

ह्या बोवाळांत पुस्तकाचेर चित्त थिरावलेना जावन हांक उठून बसलों.

दुसरो एक इश्ट, ताका संगीत खूब आवडटा देवान ताळो दिलो ना, पूण संगिनाचो तो जाणकार. सदांच तो एकाद्रो सुर आळयतच आसता आनी मदीं केन्नाय एकाद्री चीज गायता. ताणे आपली एक चीज गायली आनी म्हळें, 'तुमकां हे सादें गायन दिसत. पूण ही चीज खूबच कठीण. ती गायतना बवे बरे गायक लेगीत घुस्पतात. एकद्रो भीमसेन जोशीच ती गावंक पावता...'

'आनी ताज्या फाटल्यान तूं.' हांवें म्हळें आनी सगळे हांसलें.

'हांसूं नाकात.' ताणे म्हळें आनी एकदम गंभीर जावन म्हणूंक लागलो. 'जर तुमी कबूल जाले जाल्यार आयज रातीचे आमी कोल्हापूराक वचूया.'

सगळ्यांकच ताजे हें उलोवप विसंगत दिसलें. तो कितें म्हणटा हें कोणाकच समजलें ना. पूण ताणेच कुशीक आशिल्लो त्या दिसाचो पेपर दाखोवन म्हळें, 'आयज कोल्हापुराक एक संगिताची मैफिल आसा. अशी संद सोपेपणान मेळना. इतलें लागी पावल्यात म्हणून म्हणटां.'

वातावरण गंभीर जातलें हें वळखून एका इश्टान म्हळें. 'सांजवेळां थारावंया. आतां ही संगीत सभा पूर्ण करुया.'

सगळे हांसले आनी वातावरण परत मेकळें जालें.

अचकीत बंद दार कोणेतरी वाजयलें. एकल्यान 'यो' म्हळें पूण कोण भीतर सल्लो ना. सगल्यांकच उठपाचो आळस. कोणेतरी म्हळे, 'वान्यान वाजलां जातलें.'

परत कोणेतरी दारार माल्लें. हें खेपे मात्शे निबरान. हावें उठून दार उकतें केलें.

दारांत एक मनीस उबो. लांब. सुमार स फुटांचो. आंगाक धवो सदरो आनी धवो लेंगो. तोंडान कसलें तरी गीत आळयता. हांवें दार उकतें केलें तरी तो आपलें तनरेत. हांव ताका पळयत रावलों. तोंडांत घोळयतालो तो सूर पुराय आळवोन जातकच तो थांबलो. म्हाका पळोवन हांसलो आनी विचाल्लें, 'गोंयचे न्हय तुमी ?'

हांवें हय म्हळें.

'म्हणटकच असो पळयत कित्याक रावला ? म्हाका यो म्हणीना ?'

हांव फाटी सल्लों तसो तो भितर आयलो.

आयलो तो सरळ आमच्या इश्टांचे बसकेंत येवन एके कॉटीचेर बसलो.

'व्वा. अस्सल स्कॉच आं ?' नाकान वास हुंगीत ताणे म्हळें.

व्हिस्की घेवंक बसतल्यांक सांगात दिवपी मेळ्ळचार खोस भोगता. व्हिस्कीचो वास हूंगीत हूंगीत तो आमचे कुडींत आयला हें म्हज्या इश्टांक रोखडेंच कळ्ळें आनी एकल्यान कांय उलय-नासतना एक ग्लास ताज्या हातांत दिलो.

हांव त्या आगंतुकाकडे अजापान पळयतालों. तागेले मेकळे वागणुकेंत एक सभ्यताय आसलीं. ताणे आपल्या ग्लासांत व्हिस्की घाली आनी इश्टान फुडें धरिल्लो बर्फाचो खडो नाका अशें सांगलें.

'म्हाका गावपावें आसा.' ताणे म्हळे, 'आनी बर्फान म्हजो आवाज रोखडोच बसता.' 'व्वा, व्वा व्वा' एका इश्टान म्हळें, 'तूं गवय हे कळून खोस जाली. आमचोय एक गवय आसा...'

'तशें जाल्यार संगिताची मैफल हांगांच करूया' अशें म्हणून तो हांसलो आनी व्हिस्कीचो एक व्हडलो घोंट घेवन ताणे ग्लास सकल दवल्लो. आनी एकदम दोळे धांपून बोटान चिरपुटां वाजयत ताणे एक सूर धल्लो.

आमकां संगितांतलें कांय कळना. पूण आमच्या गावपी इश्टाक पारख रोखडी मेळ्ळी आनी ताणे आमकां सगळ्यांक ओगी रावात अशें खुणावन कान दिवन तो ताजो सूर आयकूंक लागलो.

तो गायता आनी आमचो इश्ट दाद दिता. सुमार धा मिनटां अशें चल्लें. व्हिस्कीचे ग्लास थंयच उल्ले. बाकीच्या इश्टांक ही अवस्था रुचपासार नासली. एकल्यान ताका म्हळें. 'तूं बेसूर गाता. दोन हाफ पोटांत वतकच तुजो घसरिल्लो सूर तुका परत गांवतलो.' तो हांसलो आनी म्हळें, 'बरें, आतां हांव 'सुरा'चो आस्वाद घेतां आनी तुमगेलें संगीत आयकतां.'

इतले म्हणिल्लें मात एकल्यान सरळ आपल्या कर्कश आवाजांत एक सिनेमाचे गीत गावंक आरंभ केलो. आमच्या गान रसिकाक तें मानवलें ना. पूण तान मारतल्या इश्टांक आडावपाचो तो प्रसंग नासलो. तो गायत रावलो आनी ताजेमुखार आपले शाणेपण चलचें ना इतलें वळखून कान आनी चित्त हातांतल्या ग्लासाचेर ताणे थिरायलें.

जेन्ना तागेलें गीत थांबलें तेन्ना आमच्या इश्टान दुसरें गीत सुरू केलें, तन्मय जावन तो गायतालो आनी तो आंगंतूक मनीस ताका मदी मदीं आडावन गुरु शिष्याक शिकयता तशें तागेलें खंय चुकता तें दाखयतालों. हांव संगितांतलो दर्दी न्हय, पूण आमच्या रुमांत आयिल्लो मनीस किरकोळ न्हय इतलें म्हाका कळ्ळें. हांव हांव उठून ताजेसरीं गेलों, आनी विचाल्लें, 'तुजी वळख तुवें दिली ना...'

'आयक.' ताणे म्हळें, 'जेन्ना मनशाची वळखच न्हय, पुराय व्यक्तीमत्व इतले रूचीक व्हिस्केंत विरगळटा, तेन्ना ताका ह्या नकली संवसारांत नांवाचें रूपडे चडोवन ओडून व्हरनात. समजतलें ?'

जाप मार्मिक आसली. तो आपलें नांव सांगूंक सोदिना इतलें कळटालें. नाय जाल्यार बसका वर दोन वरां चलतलीच. जेन्ना व्हिस्केची घुंवळ तकलेक चडटली तेन्ना वळख जातलीच.

करतां ते बसकेंक मैफलीचें रूप आयलें. ज्याका जशें येवजता तशें तो गावंक लागलो आनी तो आगंतूक मनीस मोन्यांनी तें सगळें आयकूंक लागलो.

व्हिस्के खातीर ज्यो बसका जातात त्यो सदांच बेताल जायत वतात. निदान जो पियेना ताका तशें दिसता म्हाका सदाच असो अणभव आसा कि जशें पोटांतल्यां मद्यार्काचे प्रमाण वाडटा, तशी तशी तांची भास, उलोवपाची पद्धत बदलत वता. ते अवस्थेक हांव 'स्पिरीच्युअल हाईट' म्हणटा. जशी तांची उंची वाडली तसो बोवाळय वाडूंक लागलो आनी तोंड धापून सगळें पळोवपा बगर म्हज्यामुखार दुसरो पर्यायच उल्लो ना. हांव तांकां पळयत रावलों. पूण तो आगंतूक तांचे मदीं वेगळो दिसतालो. तो बडबडना आसलो बा तांगेले उलोवणे कानामनार घेना आसलो. आपले भोवतणी कोण आसात हें विसरून तो आपल्याच संवसारांत गुल्ल जाल्लो. तो तकलो हालोवन, हातवारे करून गायनाचो रियाज केल्ले भाशेन खुणगुणटालो. मदींच एकाद्री तान मारतालो.

हांवें ल्हवूच ताका हात लायलो आनी परत विचाल्लें, 'तुजें नांव कितें ?'

'नांव कितेंय आसलें तरी ह्या रिवणाक हांव तो न्हय. म्हज्या कणाकणाचो ताबो आतां मद्यान घेतला. म्हाका ह्या आनंद गगनांत मुक्त विहार करूं दी. उपकार करून नसते प्रस्न विचारूं नाका.' मात्शी त्रासिक नुरा करून ताणे म्हाका जाप दिली आनी परत तुटिल्लो सूर जोडून घेवन आपले मांडयेचेर हात वाजोवन तो गुणगुणूंक लागलो. बारा वरांचेर सुरू जाल्ली बैठक दनपारचीं दोन जालीं तरी सोंपना. सोडाच्यो बाटल्यो फुटत रावल्यो.. व्हिस्कीचे पेग सोंपत रावले.

निमाणें हांवेंच आग्रो धल्लो आनी वेटराक आपोवन जेवणाची ऑर्डर दिली.

'तुजेखातीर कितें मागोवं ?' हांवें त्या आगंतुक गावप्याक विचाल्लें.

'संतुष्ट आसां.' ताणे जाप दिली. 'मनसोक्त पियेवन घेतलां. जेवलों जाल्यार तनर भंगतली.'

ऑर्डर घेवन वेटर गेलो. आनी तो जेवण घेवन येवचे आदींच आमच्या रुमाच्या भायले वटेन आकांताचो बोवाळ जालो.

बेगीबेगीन उठून हांवें दार उकतें केलें. भायले व्हारांदांत दोन बायलो आनी दोन दादले मराठी भाशेंत व्हडाम्हडान उलयताले. ते झगडटात काय तांचें दुसरें कितें घडलां तें कळूंक मार्ग नासलो. गॅलरींत उबो रावन हांव आयकूंक लागलों.

'सकाळच्यान रुमांतच आसलों. तसो खंय वचचो ना तो., बायलेन दुसऱ्यांक सांगलें.

'पूण आतां खंय म्हणून सोदपाचें ?' एका दादल्यान म्हळें. 'सगळें बेळगांव सोदून आयलों खंयच ना.'

म्हाका वोगीच दुबाव आयलो. आमचे रुमांत बसून व्हिस्की पियेतल्याक बी हे लोक सोदिनात.

तांका विचाल्लें, 'तुमी कोणाक सोदतात ?'

दादल्यांनी तुका कित्याक जाय नस्ती वासपूस अशे विचारिल्ली नुरा करून म्हजो प्रस्न कानामनार घेतलो ना. पूण एके बायलेन शेणिल्ल्याचें मन धा कडेन म्हण्टात ते भावनेन त्या व्हड संगीतकाराचें नाव घेवन म्हळें, 'ताका आमी सोदतात. तुंवें पळयला ?'

ज्या मनशाचें नांव घेतिल्ले तें शास्त्रीय संगीताच्या क्षेत्रांतलें एक दैवत. तो गायक शेणलो आनी तोय बी भर दिसा बेळगांव सारक्या शारांत ? म्हाका प्रश्न पडलो. हांव इतलों भांबावन गेलो कि तिगेल्या प्रस्नाक जाप दिवपाचें भान म्हाका उरलें ना. बोवाळ करीत ते लोक सकल देवले आनी म्हजे तकलेत दुबावाची वीज चकचकली. आमचे कुडींत बसला तो तोच न्हय मूं ? तोच गायक. तोच आसूंक जाय.

हांव बेगीबेगीन परत रुमांत आयलो आनी ल्हवूच त्या आगंतुकाच्या कानाकडेन म्हळें, 'भायर लोक XXX ह्या व्हड गवयाक सोदतात.'

त्या समाग्यान कितें करचें ? आपलो हात म्हज्या तोंडार धल्लो आनी म्हळें, नांव घेवनाका, कांय उलोवंनाका.'

आतां दुबाव उल्लो ना, (त्या गवयाचें नांव दिवप समा दिसना. देखून हांवें तें दिवंक ना.) हांवें म्हज्या इश्टाक ताजी वळख करून दिली. नांवान सगळेच ताका वळखताले ते एकदम आदर उक्तावपाखातीर उबे रावले आनी आपल्या तोंडांतल्यान आगळें उतर गेल्ले आसत जाल्यार ताणें क्षमा करची अशे मागलें.

'बसात, बसात.' ताणें म्हळें. 'हांगा आमी आनंद घेतात. आनंदांत विसर हाडीनाकात. हांव हांगा गवय म्हणून येवंक ना.'

म्हज्यान कशेच राव नज जालें. हांव उठून भायर गेलों. ॅटेलाचे लांबीत त्यो बायलो आनी ते दादले आसले. हांवें वचून म्हळें, 'तुमी जाका सोदताय तो वयर रुमांत आसा. तोच जाल्यार येवन पळयात.'

ल्हान भुरग्यांनी भुरकुटून धांवचें तशो त्यो दोन बायलो फुडें धांवल्यो. दादले ल्हवुल्हवू माळयेचीं सोपणां चडून आयले. कुडीचे दार उकते करून ताणीं मुखावयलो देखाव पळयलो आनी एके बायलेन कपलार हात मारुन घेतलो.

'हें कितें केलें तुमी ?' तिणे त्या गवयाक विचाल्लें. 'कालच्यान तुमकां हांव सांबाळीत आयल्यां. दनपरां कोल्हापुराक बचूक भायर सरपाच्या वेळार तुमी गॅलरीत गेले कितें आनी नाच जाले कितें कांयच समजना. आनी हो तुमचो अवतारा. देवा आतां हांव लोकांक कशें तोंड दाखोंवं ? विचारतल्याक कितें सांगू ?

ती बायल थंयच बसकण मारून रडूंक लागली. दुसरे बायलेन तिका सांबाळ्ळी. तो गवय लेगीत उठून उबो रावलो आनी दाराकडेन वचून म्हळें ' चल आमच्या रुमांत या. हांगा लोकामुखार बोवाळ नाका.' 'आतां आमी कोल्हापुराक कशी वतली ?' तिणे रडत विचाल्लें.

' कशी म्हळ्यारा टॅक्सी केली तर.' कांयच घडूंक नाशिल्लेभशेन सादेपणान ताणे परतो प्रस्न केलो.

ते बायलेन परतून कपलार हात मारून घेतलो. मागीर म्हजेकडेन तोंड करून म्हळें, ' तुमी सगळो सत्यानाश केलां, तुमी केदो अनर्थ केला तुमकां खबर लेगीत ना !' एक जळजळीत नदर म्हजेर थिरावन ती रडत आपले कुडीत गेली. तिच्या सांगतान आशिल्ल्या एका दादल्याक म्हजी काकुळट आयली. ताणे म्हळें. ' तुमचो गुन्याव ना. दारांत आयिल्ल्या अतिथीची तुमी सरबराय केली. पुण आमचे सगळेच गडबडलां. धारवाडसावन आमी रातीं हांगा आयलीं. आज दनपरा कोल्हापुराक वचपाचें आसलें. थंय आज सांजची तांगेली मैफल थारिल्ली आसा. हजारांनी लोकांनी तिकेटी विकत्यो घेतल्यात. आमी जाणात हो पिलो जाल्यार हाताभायर वता, देखून कालच्यान आमी ताका सांबाळीत हाडला. पूण एका खिणाक तो नदरेआड जालो आनी सगळो बोवाळ जालो. आतां खंयचें तोंड घेवन आमी कोल्हापुराक वतले ?'

म्हाका गुन्यांवकारी जालें. हांवें मान सकल घाली आनी ताजी क्षमा मागली म्हळें, ' नांव आयकून आमी ताका वळखतात, पुण तो आमचे कुडींत आयलो तेन्ना आमी तांका वळखले नात. वळखल्ले जाल्यार लेगीत ताका व्हिस्की दिवचे नासले अशें म्हणूं नज. आमकां कांयच खबर नासलें. ताका अडचणींत घालपाचो आमचो हेतू नासलो.'

' जाणा हांव. हांव तुमकां दोश दिना.' ताणें म्हळें.

ते आपले रुमांत गेले. बॉय जेवण घेवन आयलो. पू आमच्यांतलो एकलोय जेवणाक आफुडलो ना. आमची सगळ्यां भूक मरून गेल्ली. आनी म्हज्या इश्टांचे व्हिस्की लेगीत खिण भितर देंविल्ली. कोणच उलयना आसलो. सगळे मोत्यांनी एक मेकांकडेन पळयताले. जण एकल्याक आमी चुकले अशें दिसतालें.

आमच्या गावपी इश्टान तर सकाळचो पेपर परत हांत घेतलो आनी कोल्हापुरच्या मैफीलीची जायरात परत वाचली.

सगळे उमेदीचेर विरजण पडिल्लेभशेन जाल्ले. एका व्ह कलाकराचो सांगात मेळूनय ताजी वळख नाशिल्यान आमी ता अपमान केल्लो अशीय भावना आमच्या मनांत दाटून आयली.

त्या गवयाचे मुखार किरें जालें हे आमकां खबर ना. पू दुसऱ्या दिसा सकाळी पेपरांत परत जायरात आयली. आदल्य दिसा अचकित उप्राशिल्ले अडचणेक लागून रद्द जाल्ली कोल्हापुरात ती मैफल त्या दिसा जावपाची आसली.

जायरात वाचून हांवें म्हज्या गायक इश्टाक म्हळें. ' किते जांव. आज आमी कोल्हापुराक वचुंयाच,'

सगळे कबूल जाले.

त्या दिसा सर्गीचे संगीत आयकल्याचो आनंद आमी भोगलो पुण तो निर्मेळ नासलो. गुन्यांवकराचें मन पावलाकणकणी आमच कोंचतालें.

मैफल सोंपली आनी सगळे वातावरण धुंद जालें. गाय इश्टाची तनर तुटली तेन्ना ताणे म्हळें, ' चल वचून गवया मेळुंया.'

' नाका.' हांवें ताज्या हाताक धरून ताका ओडलो आ म्हळें, ' खंयच्या तोंडान तूं ताजेमुखार वतला ?'

—✱

The Largest and oldest Urban Co-operative Bank of Goa

The Goa Urban Co-operative Bank Ltd.

Regd. Off. :— **Dr. Atmaram Borkar Road, PANAJI - GOA.**

WISHES

Its Share-holders, Depositors and Constituents

A VERY HAPPY DIWALI

✱ Welcomes you to our Branches at ✱

Panaji, Margao, Ponda, Curchorem, Vasco-da-Gama, St. Estevam, Cavelossim Assolna, Market (St. Inez) Panaji, Mala (Fontainhas) Panaji, Nagarcem (Canacona), Porvorim. Baina (Vasco), H. O. Branch & Mapusa.

✱ Figures at a glance as on 30/9/92 ✱ (Rs. in crores)

Share Capital	2.61	Advances	60.65
Reserve Fund & other Reserves	9.07	Investments	42.35
Deposits	85.70	Working Capital	110.77

No. of Members 64,898

" We take pride in being Partners in your progress and prosperity "

सांगातान कोंकणी फुलोंवया

– डॉ. ओलिवीन्यु गोमिश

कोंकणी, ही भारताची अेक म्हत्वाची स्वतंत्र साअित्यीक भास म्हणपाची तिका १९७५ वर्सा राष्ट्रीय साहित्य अकादेमीन मान्यताय फावो केली तेन्नाच्यान ते भाशेची घवघवीत उदरगती घडोवन हाडून तिका आपणाल्या हेरां भयण-भासांच्या साअित्यीक आनी हेर पांवडचार हाडपाचे नदरेन अेक भांगराची संद कोंकणी लोकामुखांर येवन उबी राविल्ली. तरी आसतना, आयज ते इतिहासीक घडणेक अितलीं लांबदीक वर्सां जावन गेलीं पूण अेकवटीत आनी संघटीत वावराचे दिशेन आमचीं पावलां कितलीशीं फुडें गेल्यात आनी तांतूंत कितलेशे उणे पडल्यांत, तें आप–तपासणी केल्या उपरांत रोखडें आमच्या ध्यानांत आयले बगर रावचें ना. आयज कोंकणीचो आस्पाव संविधनाचे आठवे वळेरींत जाल्ल्यान ही आमचेवेली जापसालदारकी चडच मापान वाडटा.

कोंकणी भास आनी ती वेवस्तीत आनी ताकतिकेन केळोवपाची जापसालदारकी खंयच्याच अेका पंगडाची, जातीची, धर्माची वा भूंय–भागाची न्हय. आनी त्या आधाराचेर आमी ती तांचें लागां सोंपोंवक जायना. तशीच तिची अेका–दुकली शैली वा रीत वा मोड हीच प्रमाण करपाची आनी अशी अेक मक्तेदारी हेरांचेर थापचेली करणी आमकां सोबना. जशे आमी अेकामेकाकडेन संपर्क सादीत आसांव तशी आमचे भाशेंत अेकरुपताय सभावीक रीतीन येवपाक लागतली. तो प्रक्रिया आयज नुलयत चालू आसा. सगळ्यांचो आमचो कसलेंच थळावे आनी अशीर रूपाचें बंधन नासतना, ह्या म्हान वावराक खांद्र मारपाक मन लावन केल्लो आनी भक्तीभावाचो आदार जाय. अेक गजाल आमी केन्नाच विसरूंक फावना कि ह्या अेकचारान केल्या वावरांक कितलें येस मेळटलें तांचेंरूच आमच्या कोंकणी समाजाचें सार्थक आनी फुडार आटापून आसा. आमी वांटून, फांटून पडिल्ल्यान, आमचे मदीं अविस्वास, फुटी आनी घुस्पट मातून आयिल्ल्यान, आमचे प्रयत्न विस्कळीत जावन, तांचें फावो तितल्या प्रमाणान फळ मेळूक जाय आसलें तितलें मेळें ना.

दोन वर्सांनी अेक फावट वा केन्नाय चड काळात कोंकणी साअित्य परिशद भरता आनी तेन्नाच ते संस्थेच्या अस्तित्वाची खबर सगळ्याक पातळटा. ताच्या उपरांत कसलो वा खरेलो कितली वावर जावन येता ताची कोणाकूच खबर नासता. परिशदेच्या पद अधिकाऱ्यांक कसलीच येवजण फुडें मांडून ती सरेपणांत हाडपाक घडये परजळीत तांक आसत पूण धिकेंभर उसरपत नासता, हें कोणें सांगचें! तरीय ही परिशद दोन वर्सांत अेकदां व्हडलें फेस्तपरब घडोवन हाडपाक तयार जाता आनी चलता चलता अेक म्हत्वाचें काम करता. तें म्हळ्यार कोंकणी लोकां मदीं आपणाले आवयभाशे आनी संस्यताये विशीं अेक जागृताय निर्माण करता.

कोंकणी साहित्य परिशद, ही अेक कायमची संस्था आसची आनी ती आपले खाशेले सुवातेर सावन कुड–कचेरी आनी कायमच्या कांय पाग–दिल्ल्या वावुरप्यांच्या आदारान ती चलोंवची. तांतूंत सगळ्या कोंकणी भागांचे आनी उप–समाजांचे तांकता ते प्रमाणें प्रतिनिधी आस्पवचे. परबे उपरांतचो वावर, जो नेटान फुडें व्हरूंक जाय, तो ती करूक घेतली. अशी कितेंय यंत्रणा ना जाल्ल्यान, जशे आयज मेरेन जायत आयलां, दर–अेक परिशदेक फुलन आयिल्लें फुलतें फूल थंयचे थंयच मागीर बावून वेता. फळपाचें तर पयसूच उरलें.

हे कायमचे वावराडे संस्थेच्या आसन्या खाल सगळे कोंकणी गिन्यानी अेकटांय येवून आपआपले पुर्वग्रह कुशीक सारून, आख्या कोंकणी समाजाच्या बऱ्याक पडटा तसलें धोरण आनी येवजणे ताणीं आंखच्यो आनी तो वावर कुडें व्हरपाक पोटतिडकीन वावुरचें. अेकामेकाच्या क्षेत्रांत वचून, रावून शिबिरां घेवून, परिसंवाद घडोवन हाडून, जाणकारांचो अभ्यास मंडळां नेमून, राज्य आनी केंद्र सरकारांचो पालव घेवन, हें कोंकणी भाशेचें अेकबळ तयार जावंक जाय. कोंकणी जाणकार सगळ्या क्षेत्रांनी आसात, हातूंत दुभावना. तांकां कोंकणीकडे आमी वळोवपाचे प्रयत्न करूंक जाय. असो कोंकणी समाजांत हे भाशेचे सर्वांगी उदरगती खातीर हो अेकचार घडोंवन हाडूं येतो.

हे नदरेन पळेंवक गेल्यार, आमचे मुखार अेक भोव बरो देख आसा. भारतांतल्या सात क्रिस्ती धर्मप्रांतांनी, जंय कोंकणी उलोवपी क्रिस्ती लोक रावतात, देखीक– गोंय मुंबय, पुणें

(रत्नागिरी, सिंधुदुर्ग धरून), बेळगांव, कारवार, मंगळूर आनी चिकमगळूर, थंयचे जाणकार अेकठांय येवून ताणी अेकरूपी अशें बायबलाच्या नव्या करारावें आनी मिसार म्हणपाच्या वाचपांचें कोंकणी भाशांतर केलां आनी तें ग्रंथ-रुपान ते ते लिपियेंत उजवाडाक हाडलां. अशे रीतीन, सगळ्या कोंकणी जाणकारांक आनी प्रजेक अेका समान पातळिचेर हाडपाचे दिशेन हे परिशदेन ताकतिकेन पावलां मारूंक जाय.

कोंकणी समाजांतल्या लोकांनी हेच आपले आवयभाशेंत आपले भितर चडांत चड वेव्हार करचो आनी बरोवप हिशेबूय कोंकणींत करपाक लागचें. चड गरजेचें म्हळ्यार कोंकणी भाशिकांतल्या जण- अेकल्या घराब्यान वा कुटुंबात (शिकिल्ल्या-सवल्लेल्ल्यांनी पयलीं पावलां मारचीं) आपआपणाल्या भुरग्यांक तांचें मुळावें शिक्षण कोंकणींतल्यानूच जावंक जाय म्हणून मागचें आनी तशें ते करून घेंवचें. आंमकां तितली तांक आनी प्रभाव आसाच. फकत खरेली अित्सा जाय. भारतीय राष्ट्रबांदावळीत वा संविधानान आमकां तसो हक दिल्लो आसा आनी आमीं ताचो फावो तो उपेग करूंक जाय. आमकां खरेलो मान आनी सुसंस्कृत अस्मिताय आसा म्हणपाचें हे रीतीन आमी घणघणीत दाखोंवक जाय.

साळांखातीर पाठ्य-पुस्तकां तयार करपाक आनी अभ्यास-क्रम थारावपाक कोंकणी साहित्य परिशदेसारकी संस्था अेक खास समिती थापतली, जिजेर सगळ्यां उप-समाजांचे जाणकार प्रतिनिधी आसचे. दर-अेक राज्या पासत अेक उप-समिती आसूं येता, ज्यो उप-समिती आप-आपणाल्या राज्य सरकारांकडल्यान हें धोरण मानून घेवून, दुडवांचो आनी हेर पालव ओडून, तें खरेपणांत हाडून घेतल्यो. हे पासत, तांकता तितले ताकतिकेन सगळ्यांनी अेकेच लिपयेंत बरोवपाक लागचें आनी तें देवनागरींत जातलें म्हणपाची समजूत जांवची. ते खातीर रोमींतलें, कानडींतलें वा मल्याळमांतलें गरजेचें आनी म्हत्वाचें बरोवप नागरींत काडचें आनी ताचोय आस्पाव फावो ते भशेन पाठ्य-पुस्तकांनी करचो. अशे तरेन सगळ्या कोंकणी लोकांक ह्या पुस्तकां विशीं आपलेपण दिसतलें. पुण चड करून ल्हान भुरग्या खातीर नवें, तांकां फावो तसलें बरोवप बऱ्या लेखकां-कडल्यान तयार करून घेवचें.

हे दिशेन, हांव अशें सुचयतां : सुरवातेच्या शिक्षणांत थावन सगळे विशय कोंकणी माध्यमांतल्यान जांवचे. त्या भायर, अिंग्लीश, हिन्दी आनी गोंयाभायल्या राज्यांनी थळावी भास, हे विशय म्हणून अिल्ले अिल्ले कोंकणी माध्यमांतल्यात शिकोवंचे. मागीर पयलेक, दुसरेक, तिसरेक आनी चौथेक कोंकणी माध्यम दवरून हेरां भासांचें विशय प्रमाण चड करून अिंग्लीशीचें अिल्लें अिल्लें वाडयतवच्चें. कित्याक अिंग्लीश भाशेच्या माध्यमांतल्यानूच भुरग्यांचें चडशें शिकप आयज जावन येता. अशें केल्यार, पांचवेक पावता म्हळ्यार, अिंग्लीशीचें गिन्यान जोडून आयिल्ल्यान चड अडचण नासतना, भुरग्याच्यान त्या माध्यमांत भितर सरूं येता. तेन्ना आनी उपरांत, अिंग्लीश भास माध्यम करून, कोंकणी अेक विशय म्हणून साळांनी, उच्च-मध्यमीक साळांनी चालू दवरची. कॉलेजींनी आनी विद्यापीठांत हेर विशय घेवपी भुरग्यांक कोंकणी विशय घेवंक मेळटा; त्या भायर तें शिक्षण कोंकणी माध्यमांतल्यानूय करूं येता, जंय कोंकणी भास आनी साअित्य, हो पुराय विशय घेतात. हें धोरण अेकदां स्थायक जाल्या उपरांत कोंकणी माध्यमाचें प्रमाण शिक्षणांत कशें आनी कितलें वाडोवं येता, हाचेर विचार करचो, आमकां अित्सा आसल्यार. जशें गोंयांत जाता तशें कर्नाटकात, महाराष्ट्रात आनी केरळातूय कोंकणी विशय कॉलेजींनी आनी विद्यापीठांनी भितर काडचो आनी भुरग्यांक तो विशय घेवपाक तयार करून हाडचीं.

कोंकणी साहित्य परिशदेन (सरकारी केंद्रीय आनी राज्यांच्या) दुडवांचो आनी हेर पालवन घेवून अेक सदांकाळीक निधी उबारची, जिच्या आदारान पुस्तकां उजवाडावपा खातीर दुडवां मजत दिवपाची येवजण अेक संपादक मंडळ बरीं बरीं हातबरपां स्पर्धो घेवन काडटली. तशेंच हें मंडळ बरीं बरीं पुस्तकां विकतों घेवन कोंकणी वाठारांतल्या ग्रंथालयांक वांटटली. कोंकणी भास आनी सरस्पतींत सोद लावपाचें काम आनी तंत्रीक, शास्त्रीक, आनी हेर बुद्धीक स्वरूपाचो वावर आनी असले ग्रंथ उजवाडावपाचें काम विद्यापीठां आनी सरकारी अकादेमी करतल्यो. हेरां भासांतले म्हत्वाचे ग्रंथूय कोंकणींत भाशांतर करून घेवपाक जाय. नव्या उमेदवंत बरोवप्यांक, कसलोच जातीचो आनी धर्माचो वेगळेचार नासतना, सोदून काडून तांचें मार्गदर्शन करून, शिबिरां, बावरासाळो घेवून, कोंकणी साहित्य परिशद उत्कृष्ट बरोवप्यांक पुरस्कार दितली. त्या भायर केंद्र, सरकाराच्या साबार येवजण्या प्रमाणे आमकां स्पर्धांनी वांटा घेवक मेळटलो.

अशे रीतीन आमीं सगळीं तिची तरेतरेची भुरगीं, अेकामेकांच्या हातांत हात घालून, कोंकणी भास सांगातीं फुलोंवया आनी तिका व्हडविकेक पावोंवया. आनी तिचे वरवीं आमींय अभिमानान व्हडविकेक चडूंया.

-※-

परबो आनी सैमीक संतुलन

– श्याम वेरेंकार

भारत देश एक म्हान देश. आदिम काळांतल्या संस्कृतायेचें दायज हांगा घोळटा. ऑस्ट्रीक, द्राविड, आर्य आनी उपरांत अरबी, फिरंगी आनी हेर कुळयांच्या प्रभावातल्यान हांगाचें लोकमन घडलां. शेतीचेर विसवन रावपी गांवगिन्या वाठारांनी चडान चड लोक राबितो करतात. हांगची भास, भेस, जेवणखाण, रितरिवाज, इतिहास, सैम, वाठारा कणकणीं बदलता. तरिकूय हांगाचे लोकमन एकाच भारतीय संस्कृतायेच्या झरांवाचेर पोसता. हांतल्यानूच थळावें, मुळावें लोकमन आकारा येता.

दिशी माशीं बदलपी सैमाच्या कळां कडेन सांगोड घालीत लोकमनाक जाप फुट्टा. गीम जावन मिर्ग येता, उबाळ वचून शियाळ पट्टा तसो हांगा उत्सब परबांक ओतो येता. नव्या परब, चवथ, दसरो, दिवाळी, शिगमो, जागर, कालो, धालो,... ओनाम ईद, मोहरम... सेंज्याव, इंत्रूज... कितले म्हुण सण आनी परबो. सैमाची सासाय आनी व्हडविकायेची रासवळ दखल घेंवच्या खातीर नेम नेमावळींक पाळो दिवपाची परंपरा घोळत आसा. हातल्यानूच हांगचो शेतीचे आदारीत संस्कृताय वा धर्म आकारा आयला. भारतांतले सगळे उत्सव धर्मीक बसकेक मांडील्ले उरतात. दिसपट्ट्या जिणेंतल्या जाचांतल्यान आनी चिंतनांतल्यान कुशीक सरून; मनाक आनी कुडीक खोस मेळोवन दिवंक, सामाजीक परबांची प्रथा निर्माण जाल्या. वर्सांतल्या अमूकूच रुतुंत, खास दिसा, मनशांनीं समाजांत मिसळचें, सगळ्यानी मेळून एकठांय खोशी मनोवची–सैमाची सोबीताय आनी ललितकला हांचो रस चुमचो आनी आपणालें भाव जीवन समृद्ध करचें असो ह्या उत्सवांफाटलो मुखेल हेतू आसता.

ह्या परबानी पितृपुजा (म्हाळ म्हयनो), वीरपुजा, नागरणी पेरणी लुवणी–कापणी बी शेतांतली कांमा रूतुंचोबदल गणदेवता, ग्रामदेवता, पंचमहाभुता (धर्तरी, जल, तेज वायु आकाश) आनी हेर भुतावळीचोय आसपाव आसता.

खुप धर्माचे संप्रदाय, खूप सण परबो. तांका पंचागांतलो म्हयनो, तिथी, वार, नक्षत्रां, घटका, पळां थारायल्ली आसतात. भोवसाचे उत्सव वैदिकानी आपणायल्यात. यज्ञसंस्थेत तांचो आस्पाव केला आनी तांतून कर्मकांडाच्यो भोग भोगावळी घुसडायल्यात.

सैमाचें समाजशास्त्र

लोकउत्सवांची माण्णी करपी खांपे तत्वगिन्यानी आनी मनीस जातीचो फुडार तेळपी आसूंक जाय. तांकां Ecology म्हळ्यार सैमाच्या समाजशास्त्राची भेस बरी जाण आशिल्ली. देखून मनशान सैमाचो आदार घेवन जगचें. मनशाच्या करण्यानीं धर्तरेचें आनी भोंवतणच्या सैमाचें लुकसान जावंचे न्हय ह्या तत्वाचेर ताणीं समाज रचनेची बुन्याद घाली. सैमाच्या संतुलना वांगडा सामाजीक संतुलनाची माण्णी केली. एकवतां, सण, परबांची आंखणी करून लोकमनार सैमाचो भेसबरो वचक बसयलो.

आयच्या विज्ञानाच्या आदारान, सैमाच्या बांदवळीचें संतुलन आनी धर्मीक परबांच्या समाजशास्त्राचो नियाळ केलो जाल्यार आमगेले पुर्वज फुडाराची जाण कशे दवरताले हाचो गवाय मेळटा.

निर्मणेचें चाक

सैमाच्या समाजशास्त्राचो बारकायेन नियाळ केल्यार ताजी शिस्तबद्ध मांडावळ आनी नियोजन पळयतकच अजाप जाता.

मनिसजात ह्या मांडवळीचो एक माणकुलो थिपको. मनशाखेरीज; झाडापेडां, मोनजात आनी हेर जीव, किडयामुंग्याचो अप्रुप संवसार, वायुमंडळां, तारांगणां, गिन्यांच्यो भोंवन्यो आनी प्रदक्षणां दिस्ता दिस्त मुदयेर थीक कश्यो माणिल्ल्यो मेयटात. आनी हाकाच सैमाची समाजव्यवस्था म्हळो जाल्यार हे समाजांतल्या वेगवेगळ्या पंगडाचो आंकडो थारायल्लो आसता. तांतून काळावेळा प्रमाण चड उणें जावपाक सुवात आसता. पूण इतलेय जावन सैमाची करणी आनी मोडणी अशी जाता की; तांतल्यान आपसूक संतुलन घडोवन येवपाची तजवीत आसता. ह्या अप्रूप रितीन संतुलन राखपी सैमाच्या समाजशास्त्राक फिरंगी भाशेत आमी Ecological balance अशें नांव दितात.

देखोक, पांचवी पाचय; रोपे झाडां–पेडां, पत्री बी मातली जाल्यार ताजेर पोसपी तणखायरीं मोनजात : सोंसे, गोरवां, बोकडां, माकडां बी हांचो आंकडो वाडटा. मातून आयल्ली पाचय तीं खावन उडयतात. ह्या जनावरांक खावन जगपी मांस खायरे : वाग, शिव, कोले, लांडगे, सोंरप जिवाणी बी तण–पाना खातल्या जिवांचो आंकडो मर्यादेत दवरता. ताचेय मागीर ह्या जनावरांचें मांस खावपी घुबडा, घोणी, गीद बी आसात. उपरांत खंयचीय झाडां पेडां वा जीवजंतू कुसतकत तीं काबार करपी किमसां, किडे–मुंयो बी तें खावन पचयता आनी मातयेंत भरयता... परत रुजवण जाता आनी अशे तरेन सैमाचें निर्मणेचें चाक धुंवत रावता. हे चाकाक गती आसता. चड उतार आसता. अशेच तरेन बायुमंडळा, तारांगणा आनी गिन्याच्यो भोंवन्यो आनी भोवण्यो धारा, यल्या नेमा प्रमाण कामां करीत आसतात.

वनस्पत मनशाचो आदार

मनशा खातीर उस्वास घेवंक झाडापेडां आपसुक ऑक्सिजन तयार करता. धरतरें भोंवतणच्या वातावरणांत मुखेल अशे ऑक्सिजन, नायट्रोजन, कार्बनडायऑक्साईड आनी उदकाची वाफ हांचें आंखून दिल्लें प्रमाण आसता. तांतल्यांन उबेंचे संतुलन (म्हळ्यार थर्मल बॅलन्स) नंदता. प्राणी जीवन आनी वनस्पती जीवन हाच्या वाडिखातीर वेगवेगळे वायू गरजेचे आसतात. एकान भायर उडयल्लो वायू दुसऱ्या जिवाचो प्राणवायु जाता. उजवाडाचीं किरणां चुमून घेवपाचे करणेक लागून वनस्पती आपल्या वाडीखातीर कार्बन गिळटा मागीर मनीस आनी हेर जीवांक उस्वास घेवंक लागरी ऑक्सिजन तयार जाता. ह्या ऑक्सिजनाचो वापर करूस प्राणी, कार्बनडाय ऑक्साईड वायू वाऱ्यार सोडटात. तांतलो कार्बन वनस्पती, जाल्यार ऑक्सीजन, प्राण्यांच्या जिणेक पोसता. मनीस आनी वनस्पती हांच्या ह्या एकादुसऱ्याचेर आदारिल्ल्या संतुलनाक इकॉलॉजिकल बॅलन्स म्हणटात. सैमाच्या ह्या जिवन चाकांत दुसरे घटक शिरकटले वा धवळ करूक लागले जाल्यार संतुलन इबाडटा. प्रदुषण उचकता. विखाळ पसरता. मागीर मनीस आनी प्राणी जीवनाक धोको निर्माण जाता.

सण-परबाची मुळां

सैमाच्या ह्या समाजशास्त्राची, आमगेल्या पुर्वजांक हजारानी वर्सां आदी जाणकारी आसली. देखून मनीस जातीचें सैमाकडलें नातें आनी सुवात वळखून ताणी मनिसजातीच्या संस्कृतायेच्या विकासाची रीत थारायली. मनशाचो सभाव आनी करणी आंखून दिवपाखातीर ताणीं धर्म, एकवतां, सण, परबो निर्मिल्या. दर एका कुळयेचे रितरवाज थारायले आनी पिळग्यानी घोळयत घोळयत आमचेमेरेन पावयले. भारतीय संस्कृतायेचें हें एक खाशेलेपण सैमाच्या रुतुचक्रानुसार सण परवांची थारावणी केल्ली आसा. सैमान दिल्ल्या देणगेवो फावो तसो वापर करचो. आपली आनी दुसऱ्याची भलायकी सांबाळची रासवळ जिणेची खोस आनी उमेद वाडोंवची; हो ह्या परबां फाटलो मुखेल हेतू म्हळ्यार अतिताय जांव नये. दर एक परब केन्ना मनोवची, कांणें मनोवची हाजो काळ वेळ सैमाच्या कळां कडेन जोडिल्लो आसा.

सप्तकांतल्या दर दिसा कोण जाल्यार कोण, एकवतां करता. दर म्हयन्याक सण परबो मनयतात. वाठाराच्या अस्मितायें नुसार तांतून थोडो भोव बदल जाल्लो आसता. पूण सगळ्या उत्सवांची बसका मात सैमाच्या समाजशास्त्राचेर बसयली उरता.

तशे हाकाच आडवाद आसात. कांय आपसुवार्थी आनी नाडकर्णी करपी लोकानी भोवसाक फसोवपाखातीर कांय आड परबो मुळाव्या परवानी घुसडून दिल्यात; कर्मकांडाचीं आनी दान-दक्षणांची अडंबरां तांकां जोडल्यांत. पूण ह्यो अडेच्यो गजाली, बुन्यादिचे फातर नियाळतना आमी अचळय दोळ्यां आड करुं येतात.

STRIVING FOR UPLIFTMENT OF RURAL ECONOMY THROUGH BETTER ANIMAL HEALTH & PRODUCTIVITY.

PROVIDES TECHNICAL GUIDENCE ON ALL ASPECTS OF ANIMAL HUSBANDRY PRACTICES.

PROVIDES SUBSIDY TO THE WEAKER SECTION OF THE RURAL POPULATION.

JOIN IN THE ENDEVOUR TO UPLIFT THE RURAL ECONOMY AND REMOVAL OF RURAL UNEMPLOMENT THROUGH MORE PRODUCTION OF MILK, MEAT & EGGS.

Issued By :-

Directorate of Animal Husbandry & Veterinary Services,

PANAJI - GOA.

(DI/OD/AHVS/P. Advt/92/2)

देव-देवचाराचो राबीतो :

रानावनाची राखण जांवची व्हड रुखांचेर मेळत तशे कुराडेचे घाव पडचे न्हीं देखून ताणीं देवा-देंवचारांची बसका थारायल्यो. वड, पिंपळ, रुमड, चिंच, सांतिणो, ओंवळ, कुमयो, बी कितलेशेच रुखावळीचेर; वाड्या वाड्या कणकणीं भुतावळ राबीतो करून रावता. तांका दुखोंवक जायना, चाळोंवक जायना. मागीर गांवाचेर संकट येता, असो समज. वाठारातले रूख कापतले जाल्यार 'आब' करचो आसतालो. ते खातीर धाजाणांचो कौल, देवाचो प्रसाद गांवपणां करताले.

जमिन, रानां वनां, पानवट पांटे रासवळ मालकिचे आसताले. रासवळ मलायकी आनी एकी तिगोवन धरुंक जायन्यो परबो मनयताले. कश्टकरी वावराड्याच्या गात्रांचो शीण न्हिवोवपी. जिवाक सुखोवपी आनी निर्शेल्यांकूय जियेवपाची आस दाखोवपी ह्यो परबो म्हळ्यार भोवसाचें मोलादीक दायज.

भारतीय सण परबांचो मूळ हेतू मतीन धरून आमो तांची तीन तरानीं वांटणी करुं येता.

पयलीं रासवळ मांडार जावपी परबो :

देखीक संवसार पाडवो, दिवाळी, दसरो, शिगमो होळी धुळवट धालो, वसंतपुजा, नवरात्रां कोजागीरी, मान्नी पुनव, चैत्री पुनव, पुरवण्यो, जात्रा. फेस्तांवी.

मागीर कुळाव्यो परबो :

देखीक चवथ, नव्या पंचम, सुतापुनव, वडां-पुनव, संक्रात, व्हडली दिवळी, नागपंचम, लक्ष्मीपुजन, भाऊबीज, जन्माश्टमी, अठाळकेची पुजा, मंगळागोर, रक्षाबंधन, अनंत चतुर्दश, श्राद्ध, म्हाळ, बी.

व्यक्तीगत वा एकल्या दुकल्यान मनोवपाच्यो परबो वा एकवतां

देगीक विनायकी, संकश्टी, शिवरात्र, एकादस आनी हेर दिसपट्टी एकवतां.

तशें अशे तरेन वांटे घालप म्हळ्यार मेरो घालप न्हीं, कुळाव्यो परबाक केन्ना रासवळ रुप येत, वा व्यक्तीगत परबांक कुळावें रुप येत सांगूक जड. एक खरें ह्या बऱ्याच परबांचो मूळ हेतू सैमाच्या सामायेची जाणविकाय करून दिवप; सावदां, झाडां-पेडां, न्हंयो, दोंगर हांची पोसवण करची याद करुन दिवप; भोवसाची आनी व्यक्तीगत मलायकी सांबाळून मदत करप. खोशी. उमेद हाडप. सामाजीक एकवट घट्ट करून सांस्कृतीक दायज पिळग्यांनी घोळोवंक सुबिदाप दिवप. हें तरेन लोक मनार संस्कार करून मनीस समाजाचें संतुलन आनी सैमाच्या संतुलनाची सांगड घालून दिवपाचें काम हे उत्सव करतात. देखीक कांय परबांची बारिकसाणी आनी भोगावळी पळोवया.

वडां पुनवेक

पिंपळाची, रुमडाची, तुळशीची,. सुर्य- चंद्राची पुजा करतात. रुखां-पेडां कडले आपले लागणुकेक पाळो दितात. सवायशिणी एकठांय येवन एकमेकांक वायनां वाडटात. वायनांनीं पिकील्ली फळां- पणस, अनस, पेरां, आंबे, केळीं, भिर्णीं बी आसतात. जाणकार सांगतात वड, पिंपळ, रुमड, तुळस बी झाडां, हजारांनी लोकांक लागता तितलो प्राणवायु तयार करतात. वडा रुमडाची फळां खांवक सवणीं जमतात. तानून फात्रो ते प्रमाणात प्रोटेन्स आनी व्हिटमिन्स आसतात. ह्या फळाचेर पोटभरपी सवणी मागीर किडे-मुयो, जीव जंतू खातात. दुयेसां पातळूंक दिनात.

नागपंचमीक

सवाशिणी नागाची पुजा करतात. रानांतल्या रोयणीक फुलां, पिंजर घालतात. सोरपाक दुद घालतात. सोरपाकडेन भावकेचें नातें जोडटात. मानील्ल्या भयणीच्या आदाराक धाऊन येवपी नागराजाच्यो जायत्यो कागयो सांगतात. गितां गायतात.

सोरोप खंय वाठाराची राखण करता. हुंदिर, कोळुंदीर खाता आनी शेतां-रोप्यांची राखण करता. जिवादींक बी ओगीच मारु नये अशें जाण्टेले सांगतात. येवाळे, माळूज, दिवड बी जिवाणीं मारची न्हंय म्हूण भुरगेबाळांक देखी सांगतात. एक सोरोप खंय १०० हुंदिर एका दिसान खावन पचयता. मनशाच्यान वर्समर जागरणां केलीं जाल्यार लेगीत २० हुंदिर मारूंक जमना.

पोसलेल्या जनावरांक, कुकडां मांजरांक, सांबाळपाचो धर्म मानतात. सणा परबां वेळार गायेक पान दिल्या बगर जेवण करिनात. गाय म्हळ्यार तेतिसकोटी देवांक पोटांत सांबाळपी कामधेनू असो समज.

श्राद्ध- म्हाळाक अमाशेक वा परबां दिसा गरिब-दुबळ्यांक अन्नदान करप. कावळ्याक काकोळ घालप ह्याज्याफाटल्यान लेगीत Ecologiचें गिन्यान दिसून येता.

धेणल्या पाडव्याक

गोरवांक तेल लावन न्हाण घालतात. तांका शिरंगारतात. गोड पोळे खांवक दितात. तांचो ताथो माथो करतात. वाजयत गाजयत तांची मिरवणूक काडटात.

आखो श्रावण म्हयनो म्हळ्यार परबो आनी एकवतांची बोवाळ आसता. हे म्हयन्याक कोणेंच नुस्तें खावचे न्हीं म्हुण फर्मान आसता.

सुतां पुनवे मेरेन नूस्तें पागूंक वनूंक जायना म्हुण दंडक आसता. जाणकार सांगतात, श्रावण म्हयन्यांत खंय नुस्तें गावणें आसता तो Breeding Season आसता. दर्याय बी खवदेळलो आसता. नुस्तें चड करून बांगडे वी उथळ पाण्यांत येवन पिले काडटा. ताका धरतले जाल्यार मोठ्या बुराकाची जाळां वापरूंक जाय. पिलावळ वांचोवची ना जाल्यार नुस्त्याची जातच काबार जावं येता म्हण धर्माच्या कायद्यानी लोकांच्या मनार बंदन घाले.

हांतले चडशे उत्सव धर्तरेच्या सुफलीकरणाकडेन संबंदीत आसतात. देखीक जायत्या हिंदू आनी किरिस्तांवागेर 'नव्या परब' व्हडा दबाज्यान मनयतात. 'नवे' म्हळ्यार नव्या भाताचीं पयलीं कणसां. कांय जाणागेर श्रावण वद्य पंचमीक 'नव्या पंचम'

मनयतात. घरा दारांक कणसाचीं तोरणां बांदतात. नव्या भाताचो 'उश्टावनाचो पायस' शिजोवन देवाक नेवेद करतात. कांय सुवातीनीं नव्यां फेस्त करतात. वाजत-गाजत वचून 'नवे' देवाक भेटयतात. शियेच्या दिसानी दिवाळी येता. तेल, उटणे लावन न्हावचे आसता.

व्हडले दिवाळेक तुळशिचें लग्न करतात. घरामुखार तुळस आसुंकच जाय असो दंडक आसा. तुळस खंय रोगराई नश्ट करता. खेरेजी आयुर्वेदांत तुळशी पानाचे आनी कणसांचे कितलेशेच गुणधर्म सांगल्यात. तुळशीच्या लग्ना दिसा; आंवाळे, चिचेबोटां, जिन्या बडयो, उशीकांडे बी तुळशींत दवरतात. जमिन्ल्यांक चिरमुल्यो बाडटात. तुळशीच्या लग्नापयलीं आंवाळे, चिचेबांटां बी खावची न्हय म्हुण सांगतात. घडये झाडांक फळा येता तेन्ना तरणीं फळां खुटल्यार बिया नश्ट जावंक येतात. मागीर ते तरेची रुखावळ जावपाची प्रक्रिया बंद पडूं येता. आंवाळे बी जून जातकच काडल्यार आरोग्याकूच फायदो आनी बियाकय मेयटा.

वसंत पुजा, कोजागिरी, चैत्री पुनव बी कितलेच सण सैमाच्या आंगणांत चांदण्या राती एकठांय येवन मनोवचे आसतात.

शिगमो, दसरो, चवथ बी कितलेशेच उत्सव शेतांच्या पिकावळीच्या मोसमाचेर आदारलेले आसतात. पेरणे वेळार, नडणेवेळार, लुवणेवेळार, परबो आसतात. ते निमतान लोक घरा येतात. कामांक उपयोगाक मेयटान. पिकावळीच्या मिसानीं गरीब दुबळ्यानी लेगीत वावर केल्यार वा कोणाय आस्तिकाकडेन मागल्या किदेय तरी मेयटात. ल्हान व्हड सगळेच उमेदी आसतात खोसी आसतात. मागीर परबेक आगळीच सोबाय येता.

मळब, धर्तरी, उदक, उजो, वारो, चांद, सुर्या हांचो भोवमान सगळ्या भोवशीक परबानी करतात. तांच्या मनांतल्या उमाळ्याची पडबिंब ताणी मनयल्या सण परबांतल्यान खिणा खिणाक नदरेक भरता. हातून धर्तरी, वनदेवता पावस, उजो, सुक्ती-भरती, बुट्टी वादळ हांच्यो कित्ल्योच देखील मेळटात. ह्या सणां परबाक आनी धर्मीक नेमांच्या भयाक लागून उदक वारे विखाळ जावपाचो प्रश्न नासलो. सैमाचो तोल धर्तरेच्या तोला वांगडा सम आसलो. मनीस खोशी आसलो.

हालीं वर्सानी उत्सवाचें म्हत्व उणें जायत जल्लां. फकत भोगावळी उरल्यात. कांय सुवार्थी लोकानी समाजाचेर वचक दवरूंक रासवळ उत्सव लेगीत आपणालो व्यक्तीगत मिरासदारी वा पोटगी करून दवरल्या.

उद्योगीकरण आनी अिंडस्ट्रीयालायझेशनाच्या नावान झाडां पेडां काबार करूंक लागल्यात. देवा धर्मांचोय भंय ना, देशाच्या कायदयाचीय पर्वा ना.

धर्तरेच्या पोटांत जी संपत आसा, ती निर्माण करपाक सैमाक-कोटयानी वरसां लागल्यांत. ही संपत आमचेच पिळगेंतले लोक उस्तून काबार करूंक लागल्यात. फुडल्या पिळग्यांक भोंगूंक ती संपत राखून दवरपाची पर्वा कोणाक ना. विकासाच्या नांवान सैमाचे निसंतान चल्लां. मनीस धर्तरेचो रक्षक जांवचे बदला, भक्षक जायत चल्ला.

सैमांत बाकिच्यो गजाली आसा. तसो मनिसूय एक आसा. मनीस सैमाचोच एक निर्मिती. सैम कशे काम करता हें विज्ञानान आयज आमकां दाखोवन दिलां, शिकयलां. मनीस जल्माक आयला तो सैमान निर्मील्ले काबार करूंक न्हय तर सैमाच्या विकासाक हात भार लावपाखातीर हें आयज मनशाक कळूंक लागला. घडये हजारानी वर्सां पयलीं बसयल्ली भारतीय समाजयाची घडी इबाडल्या आसत. ते मंत्र आयज पोके थारल्या आसत जाल्यार नव्यो परबो निर्माण करपाचो शक्त आमच्यांत आसूंक जाय. मनीस जातीच्या फुडारय सैमाचे खातीर संतुलन आनी मनशाच्या समजाचे संतुलन करपी मुल्यां बळावचो यत्न जावप सामकें गरजेचें.

-❀-

READ

PURABHILEKH - PURATAVA (Archives - Archaeology)

A six monthly research Journal which deals with the history of Goa, its relations with British and the neighbouring kingdoms and covering descriptive account of ancient temples, forts, churches, etc. and which is acclaimed by the scholars of the world for its newer and newer reference data.

Available at our office, Panaji-Goa,

A publication from :- ***The Directorate of Archives Archaeology of Goa.***

Government of Goa.
Rua de Ourem, Panaji-Goa.
Phone No. 46692

(N - DI/OD/DA/P. Advt/92/2)

घर–घोंटेर

– शीला कोळंबकार

तो कावळो म्हजे संवकळीचो.

तुमी म्हणशात हांव बंडल मारतां. कावळे आनी कोणाक केन्ना वळखूंक आयल्यात ? पुण हो कावळो वळखूंक येतालो. ताज्या दाव्या वाटेतली पाखां मात्शी धवी आशिल्लीं. हें आनी अेक अजाप. कावळे सगळे काळेच आसतात. पूण हागेलीं थोडीं पाखां धवीं आशिल्लीं, ताका लागून ताका वळखूंक त्रास पड नाशिल्लो.

सदांच सकाळीं साडेसातांक तो हजर. येता आनो आडुता. मागीर ताका चपाती वालूं जाय. हो कावळो आयतें खावन खावन मातला. आदले दिसाची शेळी चपाती खायना. इडली, डोसा घाल्यार खायना. पूण शेळी चपाती हून करुन दिल्यार खाता. ताजे जिबेक बरी नाट आसा. तो परथून दनपरां साडेबारांक हजर जाता. आनी नूस्तें तळिल्याचो वास आयल्यार ताजे पयलींच आडुता.

आमच्या बिल्डींगाच्या कंपांवडांत एक झाड आसा. तें आमचे रांदचे कुडी सामकार आसा. झाडाक लागून रांदचे कुडींत उजवाड येना. पूण त्या झाडार येवपी शेवण्यांक लागून म्हजो वगत मात बरो पासार जाता. ह्याच झाडार कावळ्यान आनी कावळीणीन मेळून घोंटेर केला. तो घोंटेर बांदपाक ताणी जितले त्रास घेतले ताजें हांव साक्षी ! कावळो एक एक बडी घेवन येतालो. कावळीण बडी चोचींत घेवन हांगा थंय उडटाली. आपल्याक जाय तशी ती मोडटाली. आनी हेवटेन तेवटेन बसयताली. तिका मानूं नाशिल्ली बडी सुमेगाद भायर उडयताली.

व्हारांदार आशिल्या कपडे सुकपाच्या दोरयेवेलीं सरयचीं क्लीपां नाच जावंक लागलीं काय समजूंचें कावळो घोंटेर बांदतां. तो हीं क्लीपां व्हरुन तीं आपले चोचींन उगडून ते सरयेन आपणे हाडिल्ल्यो बडयो बांदून काडटालो. ह्या कावळ्या इतलो बरो आर्कीटेक्ट, बिल्डर मेळचो खूब्ब कठीण !

अेक खेप तो हँगर घेवन आयलो. आनी तो हँगर घेवन कितलोसोच वगत तो हेवटेन तेवटेन नाचतालो. आमचे शेजाऱ्नीन हँगराक लावन खोमीस सुकत घाल्लें. आनी हो हँगर दोरयेक हुंबकळयल्लो. खोमीस सकयल पडिल्लें. हांवें शेजानीक उलो मारून सांगलें, कावळ्यान अशें केलें म्हूण, तिणे खोमीस घरांत हाडलें आनी कावळ्याक चार गाळी घाल्यो. 'म्हण्टा म्हुण हो कावळो तो हँगर घेवन करतलो कितें ?'

'तो घोंटेर बांदता.' हांवें सांगलें.

पूण तो हँगराचें कितें करतलो ?'

इतले म्हणसर कावळ्यान तो हँगर व्हरून घोटेराकुशीक आशिल्ले खांदयेर आडकयलो. तें पळोवन हांवें म्हळें,

ताणीं पिलां व्हड जालीं काय त्या हँगराचो झोपाळो करतली.'

पूण मागीर दुसरे दीस पळेल्यार कावळो हँगर घेवन बसला. आनी ताची गांठ सोडोवपाची यत्न करता. ताणे खूब यत्न केले. निमाणी ताची चोंच दुखली आसूं येता. मागीर सांजेर पळेल्यार ताणे तो हँगर सारखो उसयल्लो. तीन खांदयांच्या गांचींत बडयो रचयल्लो. आनी त्या हँगराचे सरयेन सारक्यो बांदून काडिल्ल्यो. कावळीण तण, कापूस बी हाडटाली. खूब त्रास घेवन ताणी घोंटेर बांदलो. तशें पळोंवक गेल्यार, गेल्ल्या वर्साचो घोंटेर थंयच मात्सो कुशीक आशिल्लो. पुण ह्या वर्सा ताणी दुसरो घोंटेर बांदिल्लो. आशिल्ल्या घोटेरांत तांतयां घालीं ना. नव्या पिलांक नवो घोंटेर.

मागीर अेकदिस कावळीणीन नव्या घोटेरांत तांतयां घालीं. तीं ती उबोंवक बसली तेन्ना कळ्ळें तिणे तांतयां घाल्यां म्हुण ! ती तांतयां उबोंवक बसताली आनी कावळो खंयच्यान कितें कितें हाडून तिका भरयतालो. आनी ती भुरग्यांवरी चोंच उक्ती करून ताजेकडल्यान भरोवन घेताली.

एकेक खेप ती चोंच उक्ती करीनासतना मान सकयल घालून ओग्गी रावताली. मागीर कावळो तिका काँ काँ काँ करून कितें तरी सांगून चोंच मारतालो. घडये तो सांगता आसतलो, अशे कितें करता तूं ? उपाशी रावल्यार कशें जातलें ? फाल्यां तूंच जर दुयेंत आली जाल्यार आमच्या पिलांक पळेतलो कोण ?... अशें खूब कितें कितें सांगतकीच ती मागीर इल्लें कितेंय खातली. घडये तीं म्हण्टा आसतली... हे कितें तूं हाडटा सद्दां तेंच तेच तें... म्हांका नाकां तें... म्हाकां ओकूंक येता... ताणे मागीर विचाल्लें दिसता... कितें खायन दिसलां जाल्यार सांग... फाल्या घेवन येतां... कावळीणीन कितें सांगलें कळ्ळें ना. पुण दुसरे दिस कावळो खंच्यानतरी मेल्लो हुंदीर घेवन आयलो.

अशे तरेन कावळीण ताका कितें कितें हाडूंक लायताली. आनी

कावळो हुंदीर, नुस्त्याचो बोडकां, कोंबये पिलां बी घेवत येतालो. दिसांतल्यान दोन खेप कावळीण घोंटेतांतल्यान उटटाली. आंग फुलयताली. हांगा थंय नाचिल्लेवरी करताली. तो मेरेव कावळो घोटेरामायर बस्सून रावतालो परथून ती येवन घोटेरांत बसताली. कावळो उडून वतालो.

मागीर अेक तेरेन आवाज काडून कावळो कावळीण मनशांक चोंच मारूंक येवक लागली काय समजुंचें तांतयांतल्यान पिलां भायर आयली. पिलां जालीं मात कावळो आनी कावळीण शादूर रावक लागली. तांची बरी जतनाय घेवंक लागली. कोणूय झाडापोंदा उबो रावलो, नाजाल्यार बाल्कनीत उबो रावलो जाल्यार तांकां दिसतालें हो मनीस आपल्या पिलांकुच व्हरुंक आयला. मागीर कावळीण सगळे आंग फुलोवन, तांचेर झोंपय घेवन चोंच मारूंक वताली. साप्प पिसवल्यावरी ही कावळीण वागताली. कावळो आपलो कितें कितें खाण घेवन येताली. आनी तीं पिलां कुल्ले दांग्यावरी आशिल्ली आपली काळशी तांबूस चोंच उघडून जें कितें मेळटा तें खातालीं.

अेक दीस खुब्ब पावस आयलो. सकाळ ते सांजमेरेन पावस ओततालो. वाऱ्यान झाड हेवटेन तेवटेन जातालें. पूण कावळीण त्या पिलांचेर बसून आशिल्ली. पावसान भिजिल्लें आंग फांफडूंक लेगीत ती उठली ना. कावळोय पावसान खंय झडपलो कळलो ना. दिसभर खा खा खावपी तीं पिलांय ओग्गी आशिल्ली. शाण्या भुरग्यांवरी ताणी आवयकडेन कांयज खांवक मागलें ना. दिसभर बाबडीं उपाशी आशिल्लीं. कावळीण पिलांक घट्ट पोटाकडेन घेवन जो बशिल्ली ती बद्द दुसरे दिसा सूर्यान जेन्ना दोळो उक्तो केलो तेन्ना उठली.

अशे तरेन बरेच दिस गेले.

अेक दीस धा इकरांक सुमार कितलेशेच कावळे काव काव करून आड्डूंक लागले. कितें जालें काय म्हुण पळेल्यार अेक पील घोंटेरामायर आइलें. आनी हेवटेन तेवटेन पळेतालें. मद्रासी लोक भुरग्यांनी पयलें पावल हुंब्रयामायर घालें काय दुसऱ्या भुरग्यांक आफोवन हाडून कितें कितें खांवक घालतात. तशे कावळ्या पिलान

उदरगतींत सहभाग आनी प्रगती

नव्या प्रकल्पांची उबारणी, विस्तार, आधुनिकीकरण आनी प्रकल्पांक विविधता हाडचेखातीर अर्थीक विकास महामंडळ, गोंय, दमण आनी दीव लिमिटेड कंपनीन अर्थीक पुरवणेच्यो साबार येजवणी उपलब्ध केल्यात.

सेवेचो प्रकार	अर्थीक पुरवणेची येंवजण
– प्रकल्प निवड सेवा	– भाग भांडवलांत सहभागी आनी वेपारी बँकींग सेवा
– प्रकल्पाचे सुवातेचे निश्चीतीखातीर आदार	– जमीन, इमारत आनी यंत्रसाभुग्री घेवचेखातीर मुजतीचें रीण.
– प्रशिक्षण उदरगत कार्यावळ	– परकीय चलन रीण येवजण, दर्जो नियंत्रण, रीण येवजण.
	आवतां/उपकरणां पुनर्वित पुरवण येवजण, इलेक्ट्रॉनिकाखातीर खाशेलो आदार. बायलां उद्येजक, वेवसायीक, पर्यटनाविशी उद्योगांक आदार आदी आनी आय. डी. बी. आय. च्यो हेर पुनर्वित पुरवठण येवजण.

वेवसायीक हेतून आमी वैयक्तीक मार्गदर्शन करतात.

प्रकल्पाची निवड, सुवात आनी अर्थीक पुरवण हातूंतल्या खंयच्याच कामाखातीर सेवा करपाक आमकां संद दियात.

तुमच्या उद्योगाचीं उदरगत होच आमचो उद्येश

उपकार करून संपर्क करात–

अर्थीक विकास महामंडळ, गोंय, दमण आनी दीव लिमिटेड,

ई. डी. सी. हावस,
डॉ.आत्माराम बोरकार रस्तो
पो. बॉ. नं. २७५,
पणजी – गोंय.

फोन : ४४५४१ ते ४५, ४७६०४–०८
टेलेग्राम : इडीसी इन,
टेलेक्स : ०९१४३०४
फॅक्स : ०८३२–४९३८

मुंबय कचेरी :–
४०४, रिजेंट चेंबर्स,
२०८, नरिमन पॉईंट,
मुंबय – ४०० ०२१.
फोन : २३५२२९, २४२३८०

पयलें उडप केलें म्हूण ताजे सगळे सोयरे जमिल्ले जांव येता. आतां कावळ्यान तांची जेवणाखाणाची कितें वेवस्था केल्ली देवाक खबर !

...काव ... काव... काव... करून सगळेच ताका कितें कितें सांगी. ताका भितल्लें कितलेशें कळटालें देवाक खबर ! दोन तीन दीस सगळ्या कावळ्यानी ताका उडूंक मदत केली. मागीर तो मात्सो मात्सो हांगा थंय उडूंक लागलो.

अेक दीस कावळ्यान पिलाक सांगलें... तो पळे... ताका मनास म्हण्टा... तो साप्प डेंजरस प्राणी... ताजे पसून सावध राव...

'सावध रावप म्हळ्यार कितें ?' पिलान विचाल्लें.

'सावध रावप म्हळ्यार सांबाळून रावप. तो केन्ना कितें करीत सांगूंक येना.

'ता पळे मनीस.' पिलान सांगलें.

'पिशा तिका बायल म्हण्टा...' कावळ्यान सांगलें.

'आनी तिजेकडेन आस तें तिगेले पाल ?'

'हय.'

'बापाय... म्हाकां तिगेलो भंय दिसता.'

तिका भिवपाचें ना रे.'

'मागीर ती म्हजेकडेन बोट कित्याक दाखवता ?'

'ती आपल्याक पिलाक सांगता तो पळे काऊदादा... चल हांव तुकां तिचे म्हन्यांत व्हरतां.'

'नाकां... म्हाकां भंय दिसता.'

'पिसो रे पिसो... तिका भिवपाची कांयच गरज ना. ती परती तुकां इल्लें शींत घालतली पळे खावपाक...'

'ताका आमकां शींत घालपाची कितें गरज ?'

'कित्याक जाल्यार आमकां पळोवन तिगेलें भुरगें जेवतलें,'

मागीर दोगूय उडून ते बायले म्हन्यांत गेले. तिणे घाल्लें शींत जेवन आयले.

'आतां तूं म्हण्टालो न्ही रे सांबाळून राव म्हूण !'

'हय रे. आतां पळे... खंचोय दादलो समजा आयलो. ताणे तुकां पळेलो आनी तो वांकलो, जाल्यार समजुचें, तो फातर उबारून तुजेर तो मारतलो ..'

'आनी समजा तो पयलींच फातर घेवन आयिल्लो आसत जाल्यार ?'

'चल ! तुकां आतां आनी आनी कांय शिकोवपाची गरज ना.' अशें म्हुण बापायन पयल्या पिलाक सोडलो आनी दुसऱ्या पिलाची खबर घेंवक गेलो.

अेकदिस दनपरां अकस्मात खुब कावळ्यांची विचित्र आवाजांतली काव काव आयकूंक आयली. किते जालें. कांय म्हूण पळेत जाल्यार कावळ्यालें दुसरें पिल मेलां. आनी कावळे जमून रड रड रडटान...

कोणेतरी पतंग सोडिल्लो तो झाडाक लागून पिनिल्लो. आनी ताज्या मांण्यांत कावळ्या पिलाची मान सांपडील्ली आनी ताचो फास लागून तें पील मेल्लें. बरें अर्दवर ते आडु आडु आडुले. मागीर तांकां कळ्लें दिसता तें पील मेंलें म्हूण. मागीर ते सगळे अेकदम उठले आनी उडून गेले.

दुसरे दिस त्याच वेळार ते परथून जमले. आनी अेका टी. व्ही च्या अँटिनाचेर बसले. अेक कावळो वयर बशिल्लो. तो तांचो फुडारी आसूं येता. मागीर मात्शे सकयल बाकीचे कावळे बशिल्ले. सगळे ओग्गी बशिल्ले. बरे पांच धा मिनटां. तांची शोकसभा चलताली काय ? ते बसले बसले आनी आवाज करीनासतना अेकदम उठून उडून गेले. खंय गेले देवाक खबर !

दुसरे दिस कावळीण आयली. घोंटेरा म्हन्यांत बसली आनी रडूंक लागली. दोन तीन कावळे खंयच्यानतरी धांवन आयले आनी ताणी तिका चोंच मारून मारून धांवडायली. परथून तो सांजेर आयली आनी रडूंक लागली. परथून खंच्यान तरी कावळे आयले आयले आनी तिका चोंची मारूंक लागले. आनी तिका परथून धांवडायली. घडये ताणी तिका सांगलें आसूं येना,... जांवचे तें जावन गेले. आतां रडून कितें फायदो ? मर्ण कितें आमच्या हातांत आसा ? उठ. सदांभशेन कामाक लाग... पिलां जातात आनी मरतातुय बी...ही कांय नवीदाद न्ही... पिलां तुजीं कितें अेकलेचोंच मेल्यांत ? ... आमचीं मरूनात ? ... जावन गेल्या गजालींचेर दुख्ख करून फायदो ना...

मागीर पांच स दिस ती कावळीण घोटेरालागीं येतालो. हळु आवाजांत रडटाली आनी वताली.

तिगेलें दुख्ख पळोवन म्हाका वायट दिसलें. आनी म्हजें मन म्हाका खावंक लागलें... कित्याक ? ...

कावळ्यालें पील उडटना पळोवन म्हाका दिशिल्लें, हाणी मे म्हयन्यांत घोंटेर बांदलो... तांतयां घाली. पिलां काडलीं. म्हण्टा म्हणसर तीं उडूंक लागलीं. नाजाल्यार आमी मनशां... ते णव म्हयने भुरगें पोटांत सांबाळप .. मागीर ताका त्रास घेवन ल्हानाचें व्हड करप... तें व्हड जावन आपल्या पायांचेर उबे रावता म्हणसर कितलो तेंप लागता... ह्या कावळ्यांचें आपलें बरें... दोनचार म्हयन्या भीतर सगळें मेकळें...

–'देवा, त्या पिलाक म्हजी दिश्ट लागली ना मूं ?'

–▣–

एडस्

एडस् केन्ना जायना ?

१) हात दिवप (शेकहॅन्ड), स्पर्श करप आनी वेंग मारप, असल्या सामाजिक रितीरिवाजान हो रोग जायना.

२) पेंवपाचो तलाव, खाणावळी, हॉटेल्स, कामाच्यो सुवाती, शाळा कॉलेजी आनी आगगड्यो, बसी सारक्या सार्वजनिक सुवातीनी आयिल्ल्या संपर्कान.

३) खोकल्यार शिंकल्यान आनी थुंकल्यार,

४) एकूच कपडे वापरल्यार, टेलिफोन, टॉयलेटा, ग्लास आनी आयदानां वापरल्यार.

गोंयांत लागू केल्ल्या भौशिक भलायकी कायद्यान अशी तजवीत केल्ल्या.

१) रक्तपेढ्यांनी एकाचें रगत दुसऱ्याचे कुडीत घालचे पयली रक्तपेढ्यांनी रगताचो नमुनो एडसच्या चांचणीक धाडचो.

२) आता सेरेन एडस्ची लक्षणा दिशील्ल्या रोग्याक एकांतात दवरताले. पूणून रोग जाल्ल्या रोग्यांक हेराभशेन जीण जगूंक येवची म्हुण कायद्यान दुरुस्ती करुन एडस् जाल्या रोग्याक सक्तीन कुशीत दवरपाक बंदी घाल्या.

तुमकां एडस् बरो करपाक येवचो ना. पुण तो तुमच्यान टाळूं येता.

निमाणेकडेन रोगापासून रक्षण करप हे आपले करणेचेर आसता. तुमकां कितें दुबाव आसल्यार वो तुमका अदीक माहिती जाय आसल्यार तुमी राज्य एडस् अधिकारी, भलायकी खातें, कांपाल–पणजी हांका ना जाल्यार लागीच्या इस्पितळांत, मुळाव्या भलायकी केंद्रांत, शहरी भलायकी केंद्रांत वच्चें, नाजाल्यार तांका बरोवचें.

उजवाडावपी :

भलायकी खाते,

गोंय सरकार

प्रकाश पाडगांवकाराल्यो तीन कविता

१– म्हज्या काळाचोच गवाय

चलतल्या चालंत काळा कुरवो पुंजायता
म्हज्या काळाचोच गवाय जावन हांव भोंवता

जिणेच्या दिवपा घेवपांत आपटतात मनीस
मिरयतल्या सुवार्थ्यांचे बुरखेच पिंजता

धर्मापिठां जाल्यात मिरास पोटां भरिल्ल्यांची
तांच्या ज्ञाना बडवचार पावणेक लायता

अुंच–अुणाक अुद्घोषांचो देश म्हजो पोन्नो
जाती धर्मां नांवान हांगा मनीसपण घाणटा

जिणेचे प्रस्न मांडपी आसता सगळेच
दिव्य जिणे संकल्पनेक रूजोवंक आशेता

२– धर्म

तूं मनीस तो मनीस हांव मनीस
आमीं सगळे हाडामांसाचे मनीस
तुजो हो देश, ताचो हो देश
म्हजो हो देश
आमचो सगळ्यांचो हो देश
आनी आमची पाळां मुळां
हे मातयेंत खोल खोल रुजिल्ली

हे सृजनशील पृथ्वीवेले
आमीं कांय काळाचे भोंवडेकार
तिचे वांगडा घुंवत राविल्ले
आनी घुंवता घुंवता अेक दीस नाच्च जातले
हे अनंत थाव न लागपी
अजापानी भरिल्ल्या ब्रह्मांडांत
पृथ्वी सांगातान प्रवास करताना

तूं देवळांत वता, तो गुरुद्वारांत
आनी हांव मशिदींत वचून
आमीं आमच्या ईश्वर, रब, अल्ला
अशी आमी नांवा दिल्ल्या
अेकाच सर्वेश्वराक पुजतात

तशें पळोवक गेल्यार
आमची सगळ्यांची प्रार्थना
अेकाच ध्येयाक मेळून
ताचो स्तोत्र ह्या ब्रह्मांडाच्या अनंततायेक दिता अर्थ
जाल्यारय आमीं आमकां मानतात
हिन्दू शिख मुसलमान

आयज आमीं अेकठांय बसून करया गजाली :
आमीं सगळे हाडामासाचे मनीस
हे पृथ्वीवेले भोंवडेकार
जाल्यार तूं कोण ? हिन्दू
हांव कोण ? मुसलमान
तो कोण ? शिख
तूं हिन्दू कित्याक ? हांव मुसलमान कित्याक ?
तो शिख कित्याक ?
कारण आमचे जल्म आमच्या हातांत नाशिल्ले म्हूण

देखून आमीं आता ह्या निर्णयार पावया :
आमच्या हातांत नाशिल्ल्या
आमच्या जल्मांक ना तात्वीक बुनयाद
ते फावी जाल्यात आमकां कसलेच हेतू नासताना
जशो आडवळणार आंगार येवन पडच्यो वस्ती
केन्ना चितूंक नाशिल्यो
आनी त्यो वस्तीच जांवच्यो जिणेंची वस्त्रां

हाका लागून
भावानो दिवया भिरकटावन
आमीं आमच्या अकलेची आनी अडेची बंधनां
आनी करून भौमान
अेकामेकांच्या धर्मांच्या पवित्रतायेचो
आमीं मनीस म्हूण अेकामेकांक वेंगोवया
आमची जिणे बुनयाद घट करया
आनी चिरंतनाच्या मुळावणातल्यान
लखलखपी सुर्याचेर
आमच्या मनीसकायेच्या अेकवटाचें झाड लावया.

३—

म्हज्या देशांतले राखीव जागे

म्हज्या देशाक जाला कितें ?
वचत थंय सगळेंच आडायतात
' राखीव जागे '

पैशेकार करतात
आस्थापनांची थापणूक
आनी ' राखीव जागे ' भरचे तशे
आपल्याच नात्यागोत्याच्या मनशांक
पयली आसपावन घेवन
दवरता तांच्या वरवीं
त्या आस्थापनांच्यो चावयो
आ[illegible]डन

धनीक समाजाच्या अुद्धाराखातीर
करतात सुरवात वर्तमानपत्रांची
आनी संपादकापसून
सगळ्या मुखेल पदांचेर
आपल्याच हयबांची

' राखीव जागे ' भरचे तशी
नेमणूक करून
वर्तमानपत्रांची रद्दी
भायर घालीत रावतात

' राखीव जाग्यांच्यो ' सोर्ती
खूब भशेन फुटूंक शकतात
नशिबवंतांक म्हज्या देशांत
त्यो जांव येतात गुड्ड्यानी,
नोटीनी वा भाड्याक पडून
हाका जात, कात, भास भेस
आड येवंक शकना

सरकारय करता भरती ' राखीव जाग्यांची '
जे जल्याक येतनाच घेवन येतात
आपल्या नशिबांत
शत–सहस्त्र युगांचे गिराण
जें तांच्या मरणा अुपरांतय
सुटूंक शकना
आनी अजाप
हाचीच तकली–फोड
म्हज्या देशाच्या 'सेक्युलर' समाज मनाक
जावंक लागता.

हें कितें घडटा म्हज्या देशांत ?

FOREST DEPARTMENT
Govt. of Goa

We Help in the Greening of Goa for :-

— maintaining environmental stability through soil and water conservation for sustaining agricultural and economic development.
— preserving the rich biological diversity through a network of protected areas like wild life sanctuaries and national parks.
— meeting community's needs for various forest produce such as fuelwood, fodder, small timber and a variety of non timber forest produce such as cane and bamboo.
— generating annually about 6 lakh mandays of much needed employment in the remote rural areas of the State.

Our Major Activities Include :

i) A massive social forestry programme in community and private lands, including along roadsides and canal banks.
ii) Rehabilitation of degraded forest areas to arrest soil erosion and promote water conservation in the ecologically sensitive Western Ghats. This includes rehabilitation of mangrove forests and stabilisation of the coastline.
iii) Management of 4 wild life sanctuaries for preserving the diverse fauna and flora of the State, and promoting conservation awareness among the public.
iv) Production of cashew and rubber for sustaining the local small scale industries.
v) Controlling diversion of forest lands for non-forestry purpose, including regulation of tree felling in private lands.
vi) Supplying annually about 20 lakh seedlings of various species free of cost to the public for planting in their lands.

— WE SEEK YOUR CO-OPERATION IN OUR ENDEAVOUR —

N-DI / OD / D. F / P. Advt / 92 / 1

केरळांतलें कोंकणी इतिहासकाव्य आनी कथात्मक काव्य

– शरतचन्द्र शेणै (कोची)

कोंकण्यालें केरळांतूले चरित्र सोळावे शतकांसून आरंभता. गौड सारस्वतां भरशी वेगळेच हिंदू लोक हांगा पावले. साहित्याविशी स्वरचूक तांचेलागी वेलु नासलो ताणी जिवीत काडले. एकामेकां–कडेचो आनी आपण्याले धर्मकडेचो संबध जीवो उरोवचे खातीर सानहोड देवज देवळी बान्दीली, मायभास जिबेरोच जीवी दवरली.

देवळांकडे चलोंवचे नाटच, नाटका, हरिकथा, भजन आदी रूपांत केरळचे कोंकणीची बालदशा जालेली त्या कालाचे केरळीय कोंकणी साहित्याचो नमूनों पुस्तक रुपान आमकां मेळता. कोंकणी भाषा प्रचार सभेचें पुस्तक कोंकणी लोकगीत (१९७६) हांतुं चाळीसां भायर लोकगीतां हातुं पुंजावनु छापिल्यांत 'गोड्डे रामायण मणु आज आमी वळखूचे गेय काव्याचीं सुमार पदां प्रारंभाकच आंसाय वांचून, गायन करुन अवतरण करचें हें गोड्डे रामायण आतां प्रो. आर. के. रावुन हे लोकगीता विशी म्हस्त गवेषण करनू, पणणीं तळतां वाचून हाजें एक संशुद्ध आंनी पूर्ण रूप छापिल्यां. हे काव्याचो बरोवपी कोण आनी केदाणा हे बरयलों मणु खंण्डित सांगूक जायना. जाल्यारीय प्रो रावूचे गवेषणान हें व्यक्त जाल्या कि कोंकणी लोक केरळ देशांत पावल्या वेळाच हाजेंय निर्माण जालीले. म्हळ्यार सोळावे शतकाचे आखेरचे घावीस वर्स कालांत आट काण्डचे हे गेय काव्यांतु रामायण कथा सांगल्या. पितृ-भक्त श्रावणाचे कथेंथाकून प्रधान कथे सुरूवात भोव उणे उतरांचा उपेग करून कवी नवे नवे रूपान सूष्मांश वर्णन करी गेला.

उदाहरण (१) तान लागून प्राणु कण्ठीं पावलोगा (२) ते चेळा सीतेन धर्मु हांतीन्तु काडिलोगा (३) पापिये रावणे मृत्यु घरान्तु हाणिलोगा– जळतल्लो अग्नि ताणे फाटीरी घेतलोगा– काळसर्पु हाणु ताणे उश्शाक घेतलोगा

भारताचे अन्य भाषां वरी कोंकणीतूय मध्यकालीक काव्यां–काव्यां आशिल्लों हाका 'गोड्डे रामायण' उदाहरण आसा. गोड्डे रामायणांत रामायण कथा जाल्यारि ताजे उपरातें सोळावें शतकाचे आखेरी प्रचारार आयलेले 'वेंकटेश कल्याण' हे भक्ति काव्यांतूली कथा भविष्योत्तर पूराणाचे वेंकटाचल माहात्म्याक आधारून आसा.

हातूली भास त्रिके वेगळी. गोड्डे रामायणाची कोंकणी परणी, मराथी मेळसली बोली जाल्यार, वेंकटेश कल्याणांत मराथीचो प्रभाव चड अशि दिकूयात. बोली भास सोडून साहित्य भास जाल्या चार खण्डांत पातकून आशिल्लें एक गीत काव्य हें. प्रत्येक खण्डाक प्रत्येक कर्णाटक रागु आनी ताणु सुचयला आनी आमच्यो आज्यो पोणज्यो तें अनुसरनूच हें गायन करीत आयल्यांय...

हे काव्याचोय कवि निनावो. ताणे हे खण्ड काव्यांतुल्यान सतरावे शतकाचे कोंकणीचो बरो नमूनो आमचे मुकार दवरला. हेवूंय प्रो. आर. के. रावून नागरी लिपीन छापल्यां. केरळाचेच मल्याळ भाशेंत एक खण्ड काव्य तयार जालेंले मागीरीय तीनशी वर्स उपरांते मात्र मणु ताणी सुचयल्यां. गोड्डे रामायण काय एक सप्ताह कालाक अवतरण करचें नाटच काव्य जाल्यार, वेंकटेश कल्याण फकत एकच सांजवेळा आलापन करून सोरोवेचे तराचे खण्ड काव्य. पयले दादूले अवतरण करताय जाल्यार दुसरें बायलोले इष्टगीत. वेंकटेश कल्याणांतु वरडिके रीतिरिवाजाचें विवरण हजो कवि होड सन्तोष प्रकृतीची काव्यांतु हें प्रगट आसा.

केरळचें कोंकणी काव्याचों परणो नमुने म्हणूक हे दोनीचे सिवाय वेगळें कायोंच मेळना. परम्परा जागी जाण वीसावे शतकाक पंचवीस वर्सा प्राय. त्या वेळार कोंकणीचे सेवेक एका लागून एका लगून अम्बलपुषेचेच कमलम्माळ, पळ्ळीपुरमचे आर. सी. शर्मा, एरणाकुळमचे नारायण नरसिंह पै, पुरक्काडचे रंगनाथ अशी म्हस्त जनांक तान आयली.

अम्बलपुषेचे कमलाम्मळान वरयलेली 'बालकाण्ड' मलयाळ-लिपीन बासष्टि वर्स पयलें छापीलें. मागीर ताजे पूर्ण रूप म्हळ्यार 'रघुरामायण' केरळ कोंकणी अकादमीन तांगेलें पयलें पुस्तक म्हणून नागरी लिपीन प्रकाशन केलां. उत्तररामायण सयत सात काण्डानी हांतु रामायण कथा सरळ सुन्दर भासेन सांगल्या. हे शतकांतूले सर्व महा काव्यतू, खंण्डकाव्यातु मल्याळी पदाचे आनी प्रयोगांचों प्रभाव दिष्टी पडता. हे काव्यां प्रासयुक्त श्लोकानी, सान सान अध्यायानी रामकथा विवरशिल्या.

पळिळपुरमचो आर. सी. शर्मान काव्य परम्परेन कोंकणींतु बरयलेला जाल्यारीय गीतरुपन देव कथा, दशावतार कथा इत्यादी बरयल्या. हीं गीतां मल्याळ लिपोन छापिल्लों हांचेविशीं प्रत्येक लेख हेच सेमिनारांत अवतरण जाता दिकून. ते कालाचे हेर साहित्यकाराविशी चोंवुयां.

सरणाकुळमचे नारायण नरसिंह पैन हरिकथा माध्यमान काव्य रचना केल्या. 'चेल्लयाचरित' 'कुचेलोपाख्यान' हो दोनीय मळचाळ लिपीन छापून उजवाडायली. कोंकणीतुले अनुस्वरांचे प्रधान्य ध्यानार दवारनु ताणी ते खातीर प्रत्येक चिहन थंय थंय दिल्यां, आनी थंय थंय तांचे पुस्तकांत त्या राग ताळांचों नेमूय दाखयला. पुराणाविशींचें तांगेले म्हत्वाचें ज्ञान पुरक्काडचे रंगनाथ प्रभून तांचे कृतियांत व्यक्त जाता. पुरकेरळची पयली कोंकणी पत्रिका भायर हाडलेली हातबरपान; दोन महैन्यांक एक अंक अशी वेगवेगळीच बाराशी प्रतियो तयार करून ताणी तांचो 'कोंकणी' केरळचे प्रधान प्रांतांक पावेयली सुमार आंठचातीस वर्स पयली.

तदनन्तर मागीरीय चिके वर्सांक केरळचे साहित्य निदेलांशि दिसता. मागीर हे साहित्याचो कालूच सोंपलोलो! केरळचें कोंकणी साहित्य भोव साभार वाडलां आशि कोणाकय सांगूक जायना. केरळांत येवनु वसति केलेले कोंकण्यांमदें साहित्यकार ऊणे अशिल्ले;-मागीरीय वरि ऊणेच जाल्याय. आनी जे साहित्यकार जाले, तांतूय आपण्याले मायभासेंत साहित्यसृष्टि केलेले आनी करचे अप्रूप म्हणूच सांगूयाततू देखून एदेच काल जाले आतां होड साहित्य वासना व रूचि नातिल्लेय जायते बरोपी केरलचे कोंकणी साहित्याचे मळार वावुरताय अशि आतां जाल्यारीय केरलचे कोंकणी साहित्याविशीं सोदितणा खरें साहित्य – उच्चश्रेणीचे साहित्य–हेर तराचे बाल–साहित्यांत दिकूकच मेळना.

कोंकणी साहित्य उणे– हें सगटांक कळता. आनी मगीर आशिल्लेंच साहित्य वेगवेगळे मरथाम्यखाल पॅजावन वेंचिलें तरी एकेकांतू कितलें आसतलें? एक दोन चिमटो इतलेंच. पुण अशी करच्यांत फायदो ना म्हणुक जायना. साहित्य आनी वाड्डूचें जाल्यारि तिचे खंचेकाय विभागाचेर आमचि विशेश स्रद्धा जाय आशी हांतूल्यान व्यक्त जाता. देखुन आतां हे प्रत्येत काव्य विभाग आताचे पिळगेलें आंशदान कितें पळोवया. दोन तीन नांवां उडगासाचेरि धांवत येताय म्हल्यार श्री. के. अनन्त भट, श्री. वत्सला राव, श्री. एन. बी. प्रभु आनी श्री. आर गोपाळ प्रभु हांची.

कोचीचे श्री. के. अनन्त भट गेले सत्तावीस अठावीस वर्सा जाल्यां कोंकणी गीतां संगीत रूपकां भाषांतर इत्यादि करीत येता. पूराणांतुल्लो म्हस्त काणियो प्रासबद्ध श्लोकानी ताणी पुनरवतरण केल्याय. १. अशोक बनान्तुली सीता २. अहल्या ३. यक्षप्रस्न ४. सीतास्वयंवर ५. सौगन्धीक इत्यादि अनेक कथा विवरसून आनी संभाषणांचें शैलीन तांगेले 'संगीतरूपकां' हे पुस्तकांतून एक्कडे केल्याय.

कापिकोडची श्रीमति वत्सला राव कोंकणींत, मल्याळ, इंग्लीश ह्या भाशांनी बरयत आयल्या. तीन कनिता संग्रह उजवाडायलेल्यांतू १. पूतना संहारू २. द्रौपदी वस्त्राहरण ३. दानशूर कर्ण ४. श्रीकृष्ण तुलाभार इत्यादि पुराण कथावस्तू आनी १. कमला क्षु स्वर्गवासि जालो २. विधवा २. अपरिचित ४. प्रायश्चित इत्यादि समकालीन कथावस्तू हाणी प्रतिपादीत केल्याय. हांगेली कविता तितलोच प्रासब्द व्हय पुण भास अतिसरल.

कोचीचे श्री. एन. बी. प्रभू हाणी कोंकण जनता म्हैनाल्या-वेल्यान कांय कितें कविता हे विभागाक लागूचीय बरयल्या आशी म्हाका उडगास येता. पुण हो खेद आसा कि पुस्तक म्हणूक कांयच आतां हाताक लागना. कोडुंगल्लूरचे श्री. आर गोपाल प्रभून कोंकणीन 'कल्याण सौगंधीकाचो' संपूर्ण कथा 'ओट्टन तुल्लल' हे केरलीय नाट्यशैलींतु बरोवन नागरी आनी मल्याली लिपीन प्रकाशिब केल्या. इखटा वर्स जाल्यांय हो कृती रचू सुमार तीनीशां माक्ट दोनि दोनि वलियां श्लोकानी भीम हनुमन्त संवाद पुर्तोच दिला. कोचीचो श्री. एन. पुरॅषोत्तम मल्या हाणी एक शतश्लोकी काव्य बरयल्यां 'गोविन्द शतकम्' हे नांवान. राष्ट्रकवि मंजेश्वर गोविन्दपै हांचे जन्प शताब्दीचे वेळार (१९८३) तांचे जीवचरित्र, साहित्य इत्यारीचेरि आधारून बरयलेलेंकं एक काव्य हें. हांतूले एकेक श्लोकांतू दोनि वलि जाल्यार एकेकांतू आट वकियो मेरेन. आसाय. चड करून मुक्त बंदान हे काव्याचि रचना. गोविन्द पैचे उगडासाक प्रो. एन. एन. आनन्दन हाणीय दोनि कविता बरेयल्याय 'गोविन्द पैचे' 'उडगास' आनी 'क्षमा करि.' ओट्टन नांचाचे शैलीन तानी बरेयलेली कविता एक 'तीर्थयात्रा' ही सगह 'आनन्दनचों पदां' मगुगेले कवितासंग्रहांतु आमकां मेळताय.

केरलांतु पिरथमच्यापशि चड कोंकणी साहित्य आनी कला आजि वाड्डता आनी तांकां फावो तो प्रात्साहूय मेळता. पूण इतर साहित्य विभांगातु जाता तितलेंच सृजन हे विभागांतु जायना हें एक खरेपण. एक भासेचे लोक तीन चार गावांकडे वांटून पडतना ते भासेचे साहित्याक एक तरांचें भाग्यय मेळता आनी एक तराचे दुर्भाग्यय मेळता. भारतांतुले भासेंमदें ह्या तरांचे अणभवाक कोंकणी सारखों खरो नमुनो वेगलो ना. सौभाग्य म्हळचार आतांचे कोंकणी साहित्याक वेगवेगळे भाषा साहित्यांचे संपर्क गुण मेळताय म्हळ्ळेलें. होड दुर्भाग्य म्हळचार कोंकणी साहित्य वाड्बचे पिरथमच तिचे संतान शिवडलीं. भास बदल्ली. आजीय तरि वेगवेगळे गांवांचें. कोंकणी साहित्य आलतापेलतांतु समजूक जायना तशि आसा. साहित्यांकडे मुळावें प्रमाणीकरण आयलेबिना साधारण जनाले भासेक प्रमाणीकरण येवुंचे ना. हें सत्य सगल्याय साहित्यकारांनी आनी साहित्य प्रवर्तकानी उडगासाचोरी दरचें हें गरजेचें-मत्वाचें.

– ६ –

(केंद्र साहित्य अकादमीच्या परिचर्चेत सादर केलो एक पेपर)

मायेची कसरत

– सौ. ज्योती कुंकळकार

पुजाची ऑफिसाक वचपाची तयारी जाली तरी धाकलो पप्पू अजून उठूंकच नाशिल्लो. काल पप्पुक मातशी खांकय येताली आनी आंगय मातशें तापिल्ले भशेन जाल्लें.

' आज पप्पुक शाळेंत धाडूं नाका आं.' पुजान मांयक सांगलें. आनी इतल्यान पप्पुन दोळे उक्ते केल्ले.

' ममा, आज तूं वचूं नाका गे ऽ ऽ ऽ. ममा, आज तूं वचूं मा का गे हापीसाक ' पप्पुन आपले पालूपद सुरू केलें.

हालींसरा हें अशेंच जातालें. पुजाची ऑफिसाक वचपाची तयारी जाताली आनी त्याच वेळार पप्पू उठटालों. पप्पुचे तोंड धुवप, त्याच्या दुदाची वेवस्था, हें सगळें करून बस मेळटासर पुजाक सामको नाकाशेवट जातालो.

दर दिसा ' ममा, तूं वचूं नाका. ममा, तूं वचूं नाका.' ही रड आसतालीच आनी ताका समजायता सर नाखयां शिको येताल्यो.

पप्पुक आंता पांच वर्सां जाल्लीं. पूण तो पिरायेन जसो वाडटालो, तसो ताची आवयवेलो मोगय वाडत वतालो. त्या दिसा अशेंच जालें.

' ममा, आज म्हाका तुवें शाळेंत पावपाक जाय.'

अशें म्हणून पप्पू हट्टच धरून बसलो. 'हें पळय पप्पू, पपा तुकां स्कुटरीन शाळेंत पावयतलो, म्हाका ऑफिसांत वचूंक जाय. शाणो म्हजो राजा.' पुजा ताका लक्तुबायेन, समजायतालें.

' नाका. म्हाका तूंच जाय.' अशें म्हणुन पप्पून रडपाक सुरवात केली. मागीर मांय म्हणपाक लागली.

' तुकां आज वचूंकच जाय ! ना तर घे गो आयचो दीस सुटी.'

त्या दिसा खास पप्पुखातीर पुजान रजा काडली. सबंद दिस भर आपल्याक ममा मेळटली म्हण पप्पू सामको खोशी जालो.

दोन–चार दिसापयलीची गजाल. सकाळींफुडें पूजा आपलें काम सोंपोवन ऑफिसाक वचपाक भायर सरतले इतल्यान पप्पू उठलो. आनी आवयक वेंग मारली. दूद पितां–पितां पप्पुन आपलें रडगाणे चालू केलें ताका समजावपाचो पुजान हर तरेन यत्न केलो.

' पप्पू शाण्या, आज हांव बेगीन घरा येतलें आं. आनी येतना चॉकलेट घेवन येतलें. मागीर आमी गार्डनात या. थंय घसरगुंडीचेर बसप आनी येतना आईस्क्रीम खावप.

आई ऑफिसांतसून बेगीन घरा येत म्हणू तो धादोस जालो. ताणे हांसत–हांसत आज्जेकडेन पळयलें. आज्जेनूय पुजाच्या म्हण्याक मान हालोवन हयकार दिलो आनी त्या भरवंशार पप्पून पुजाक हांसत, ' टाऽऽटा सुद्धां केलें.

सांजचें साडेसक तरी घरा पावतलें अशें थारावन पुजान घर सोडलें. ताका ऑफीसाक पावपाक बसीन एक वर लागतालें. मुखार पंदरा मिनटां चलचें पडटालें. बस वेळार मेळत जाल्यार तें बरोबर साडेसंक घरा पावतालें. पूण आज मात ताचो नाइलाज जालो.

कामत ऑफीसरान अजूच आपल्या प्रमोशनाची पार्टी सेक्शनाच्या लोकांक दिवपाचें थारायिल्लें. पार्टी आशिल्ली ऑफिसच्या कॅंटिनातच. मागीर ऑफिस सुट्टकच सहज एक वर गेलें. पार्टेक रावपाचो पुजाची मातय इत्सा नासली. ताणे आपले आंकवार इस्टीणीक म्हळें लेगीत.

' आगो, तुमकां चलयांक कसली चिंता ? घरा वतकच सगळे आयतें मेळटा. आमच्या सारक्या भुरग्यांकारांची जाता पंचायत.'

पार्टी सोपतकच पूजा धांवतूच भायर सरलें. एक टॅक्सी धरली स्टॉपार आयले. यो जाल्यार स्टॉपार सुमाराभायर गर्दी. तरी लेगीत ताणे आपलो जीव कसो बसो बसींत रिगयलो.

पुजा घरा पावलें तेन्ना साडे आठ वरां जाल्लीं. पप्पू खाटीर बसून पुस्तकावयली चित्रां नियाळीत बशिल्लो.

' पप्पू ऽऽ शाण्या, हांव आयलें.'

पुजान पप्पुक उलो मारलो. पूण पप्पुन मान वयर केली ना. आपली तकली पुस्तकांत रिगोवन तो ओगी रावलो.

' कळाव जालो आज ? बेगीन येतलें म्हणून पोर वाट पळयतालो..'

मांय म्हणूंक लागली. पूजा हात–पाय धुवन पप्पू म्हऱ्यांत वचून वसलें.

' पप्पु, शाणू लागारू ले म्हजेर ?'

पप्पुन आईचे कुशीत तोंड घालें.

' ममा, तूं बेगीन कित्याक येवना ? सकाळी वतना सांगिल्लें बेगीन येता म्हणून ! फटींग.'

' पप्पू म्हाका मातशें काम जालें म्हणून ऑफिसांत रावचें

पडलें.'

'ममा, तूं सामकी फटींग. सदांच बेगीन येंता म्हण सांगता आनी केन्नाच बेगीन येना. हांव तुजेकडेन उलोंवचो ना.'

मांयन उलो मारलो म्हणून पूजा रांदचेकुडींत गेलें. दिसा-भराच्यो पप्पुच्यो गजाली मांय सांगपाक लागली.

'आगो, हो लाडू केन्नाच खायना, पूण आज सामको हट्टच धरून बसलो. आनी म्हणपाक लागलो, 'लाडू खाल्लो तर ममा बेगीन घरा येता. पुजाक हांसूक आयले. पुण काळजांतल्यान भडभडून आयले.

एक दीस पप्पू लाडू खायत बशिल्लो आसतना पूजा बेगीन घरा आयिल्लें. त्याच्या बाळमनाक दिशिल्लें. जर आपणे सदांच लाडू खालो तर ममा बेगीन घरा येतली. आनी आयज ताणे अशेंच केल्लें. दुसरे दीस सकाळींय पप्पुन पुजाची फाट सोडली ना.

पुजान ऑफिसाक वतना पप्पुक सांगलें 'पप्पु राजा, आज हांव बेगीन घरा येतलें आं.'

म्हयन्याचे निमाणे दीस आशिल्ल्यान ऑफिसांत चडशे काम नासलें. म्हणटकच आज स मेरेन घराकडेन पावपाक कसली हरकत नासली. पूण ऑफिसांत वच जाल्यार दोगांनी दांडी मारल्या. तांची कामां पुजाकडेन सोंपयिल्लीं तरी सुद्धां पुजान कामां बेगीन- बेगीन सोंपोवन घरा बेगीन येवपाचो खूब यत्न केलो. पूण घरा पावतासर ताका सात जालीं.

घरा पप्पू आईची वाट पळयत बशिल्लो.

'सदांच सांगता बेगीन येतली म्हण आनी येता मात उसरां ! ममा, तूं सामकी कुसकी, कुसकी, कुसकी' पप्पू रागान म्हणूंक लागलो.

पुप्पू राजा, म्हाका तुजी याद येताली. पूण आज ती रुपा मावशी रे कामाक आयलीच ना. म्हणटकच ते मावशेचें काम मरे म्हाका करचें पडलें.

पूण पप्पुचें मात एकच पालूपद चालू आशिल्लें.

'तूं सदांच बेगीन येता म्हणून सांगता आनी केन्नाच येना !'

आज ऑफिसाक वचचे पयलीं फाटल्यो सगळ्यो यादी पुजाच्या दोळ्यामुखार एखादया सिनेमाभशेन सरकून गेल्यो. आज रजा मेळप कशेंच शक्य नासलें. एक, रूपा रजेर आशिल्लें आनी दुसरें म्हणजे सगळे ऑफिसर आज दौऱ्यार वचपाचे अशिल्लें कशेंय करून पांचमेरेन घरी पावतलें हे आशेन तें कामार आयलें.

वतना पप्पुच्या आंगार हात भोंवडायलो. पळय जाल्यार आंग तापलां.

पप्पू राजा, आज तुकां मातसो जोर आयला. मदीं-मदीं खांकूय येता आज शाळेक बुट्टी मारपाची. घरा ओगी न्हिदून रावपाचें. खेळूक वचपाचें ना. आनी आज्जेक त्रास दिवप ना. हांव बेगीन घरा येतां.'

पूजा घरातल्यांन भायर सरलें.

पप्पु तोंड एदेशें करून ओगीच रावलो.

पुजाचें ऑफिसाच्या कामांत अजिबात लक्ष लागना जालें. पप्पू बरो ना जालो म्हणटकच आज्जेक खूबच त्रास दिताली. तिचें कांयच कानामनार घेना आसलो आनी अशा वेळार ताका ममाची चड याद येतांली.

घड्याळाचे कांटे तीन वरां दाखवपाक लागले आनी पुजान कागदांची आवराआवर केली. इतल्यान हेड ऑफिसांतल्यान टपाल घेवन प्यून आयलो. ताका थोडो वेळ रावचेंच पडलें. ऑफिसांतल्यान भायर सरपाक चार वरां जालीं. टॅक्सी करून बस स्टँडार पूजा आयलें.

पूण बसस्टँडार यो जाल्यार कामगाराचो संप. सगळ्यो बशी बंद आशिल्ल्यो. बसस्टँडाचेर भायर-भितर बरीच गर्दी आशिल्ली. लोक एकमेकांकडेन उलयत आशिल्ले. गाडयो केन्ना सुरू जायत ह्याचो नेम नाशिल्लो.

इतल्यान सचिवालयांत काम करपी पुजाची इश्टीण क्षमा ताका मेळे. ताच्याबरोबर तिच्यो आनीक तीन चार मैत्रिणीय आशिल्ल्यो.

'कितें पूजा, घरा वचपाचें काय ना ?'

'बसिची कृपा जाली तर !'

पुजान क्षमाचे इश्टीणीबरोबर कॉफी घेतली आनी स्टँडाभायर बस वा एखादी टॅक्सी ना जाल्यार हेर कसलेय वाहन मेळटा कायं म्हणून पळयलें. ह्या बोवाळान दोन तीन वरां कशी गेलीं तें कळ्ळेंच ना.

आनी आठांच्या सुमाराक गाडयो सुरू जाल्यो. पूजा घरा पावलें तेन्ना रातचीं साडेणव वरा जाल्लीं. दारांत मांय पुजाची वाट पळयताली.

'शेजारचे उषाताईन सांगलें, संपाखातीर गाडयो बंद आसात म्हणून.' मांयन म्हळें.

'तरी हांव सगळ्यांत पयलीं सुटल्या ते बसीनूच आयलां. वाट पळोवन पप्पू न्हिदला आसतलो न्ही ?'

'पाच वरां पासून पोर वाट पळयता. तिळसान जातकच तूं येवना म्हणुन सामको बेजार जालो. आनी म्हणटा कसो-

'ममा, सामकी फटींग. बेगीन येता म्हणुन सांगता आनी केन्नाच येना.'

हांवें ताका समजावन सांगलें,

आरे, गाडयो बंद आसात म्हणुन ममाक उशीर जाला. पूण तो मानपाक तयार जायना जालो.'

बाजेर न्हिदिल्ल्या पप्पुक पुजान वेंगेन धरलो. जोरान तो फणफणटालो. न्हिदेंतूच पप्पु बडबडटालो,

'म्हजी ममा सामकी फटींग केन्नाच बेगीन येना. पुजाच्या दोळ्यांत दोंगरभर दुकां उबीं जालीं. ताका दिसलें,

'नाका, नाकां ही कसरत. म्हाका म्हजो पप्पूच जाय.'

-✱-

शिंवर

– निलबा अ. खांडेकार

नर्मदामय मेधा

मेधा,
तू थंय नर्मदेच्या खाडयेत
हजारोंचो मोर्चो घेवन
न्यायाची सोबित भास उलयतालें
तुज्या गुलाबी ओंठार मानवतेची भूपाळी
नकळत रूपकाराक येताली
तुज्या असीम दुखांतल्यान
जीव काडून तूं जगतालें
आनी सगळ्यांखातीर क्रांतीचे बावटे सजयतालें
उज्यान पेट घेतिल्ले भगभगते
दिगंतखोल मळब तुज्या माथ्यार आशिल्लें
सरभोंवतणीं वेदनांचो शिमों शेणिल्लों
आकांत आनी काळजांत उचांबळ
नर्मदेची गाज
मनशाच्या स्वत्वाची कुरूं
तूं तुज्या दुकांचेर करतालें
आनी तो दीस लोकशायेंतल्या
अधिकारावो आनी न्याय्य पुरततेचो आशिल्लो.

मेधा !
तूं एका पर्वाचो उजवाड
निळ्या मळबाची उंचाय
आपल्या वेंगेंत वेंगायताना
करुणेचो दिगतखोल 'ओ'
स्वता जळून उजवाड दिवपी
तूं एका सृजनशीलतेचें संघर्ष यूग.
तरीय काळखांतल्यान भिरें आमी पळयलां
तुज्या तत्वांचेर निषेध व्यक्त करतना
तूं चलता, पेटिल्ल्याच पांवलांनी
प्रगतीच्या नांवार चलील्लो
अधोगतीचो जुगार थांबोवक
बेघरांचो अधिकार सिध्द करूंक
आनी मुल्यांची जतनाय करून
देशावयलें निर्माल्य वांटोवक

मेधा !
तुज्या भरून आयिल्ल्या विचारांनी
कितल्याशाच सूर्यांचो भांगरां उजवाड फांकलां
म्हणोनूच हांगसल्ल्या
दरेक आदीवासींच्या कपलार
तूं उलयतना दिसता,
शेखी, तूं ग्रेटूच गो !

तुजें चलप
काळ्या सुर्याच्या बोंदऱ्या सांवळेंत
तुफानी सवण्यांचें भिरें घेवन
अन्याय सुक्त गायत
अजाण काळजांच्यो शिमों हूंपून.
तुवें फांसलां बुको
केवडीयाच्या तीन हजार तीनशें बावीस
कुटूंबांचो
आनी दुकां उखलून धरल्यात
तुज्या काळजाच्या पोशांत.

'वैभवाचें सगळें रस्ते मरणाच्याच
वाटेन वयतात' हों तांकां
न जाल्लो बोध
तूं कितलें म्हण पळयतलें ?
प्रगतीचें पिशें माळून
आमच्या सपनांतलो देस साकार जावंचो ना
वयर वयर दिसपी कूपां पोंदा

हें घाटीवासी हुंबकळटात
आनी मेधा,
मोन्यां मनांक आवाजाच्या काळजांत वोतोवपी
तूं एका शौर्यशाली कृतीची जाग जाली

तुवें बंद ओंठ उगडलें
बावलेल्या काळजांक सुखयलें
आनी तांका लायली वादळाची पांखां
विश्वबँकेमेरेन उडपाखातीर
तेन्नां तूं जाली वारल्याची राणी '

मेधा !
हांगसरमेरेन,
काळखाच्या ह्या गुप्पाटांत
म्हाका आयकूंक येतात
तुवें घातिल्ले साद
ह्या पालवून गेल्या इंगळ्यांक
' फांऊडेशन'चो पुरस्कार न्हयकारून,
प्रवीणचें सवसारीक बंधन हुंवून
हांगसर म्हज्या अंतःकरणामेरेन...

-●-

पुरूषसूक्त !

हे सर्वव्यापी पुरुषा,
हे समर्थशाली जनतादेही जनार्दना
घडय तूं तुका नव्यान ह्या विश्वमंदिरांत
तुजें पावल ज्या भुंयेर पडटलें
ती भूंय वंदनीय जांव
रुतूचे अगणित भार घेवन
सवाशीणीचें सदां एक रूप जांव
हे राजा, लाख-लाख दोळ्यांतलें सोदून काड
एक नवे नखेत्र जाच्या दिकेन समाज चलू दी
विश्वात्म्याकडें, नव्या जगाखातीर !

असंख्य तुज्या धड धाकट खोंपरांपोंदा
मस्तून वचूं दी मानवतेचो कलंक
आनी भरूं दी मनगटां उमेदीचो नवो फुलोर घेवन
मागीर ह्याच हातांनी रुतुंचे चाक घुंवो दी
सवूय रुतु वसंताचे जांव दी

घोटेरांतली खंयचीच नेणाटां
भूकेचे बळी जांवचे ना
खंयचेच सुके दोळे मळबाकडे
वांझ नदरेन पळोवपाना
तें नव्या-नव्या गिन्यानाच्या प्रचितीखातीरूच
आसतलें
मळबाचे रितेंपण एक काणी जांव
आनी अगणित तुज्या तोंडांतल्यान
शांतीचो संदेश शिपडूं

ह्या तुज्या विराट प्रस्थानापयलीं
बांध तूं एका काळजाच्या धाग्यान
सगळ्या विश्वाक तुजें वर्चस्व सिध्द करून
आनी मागीरूच घुंवडाय.
मुंगरल्या ह्या संवसाराच्या रथचक्राक !

-●-

स्मिता पाटील

स्मिता,
रातीच्या एका देठ्ठचार तुका पळयलें
सर्वसामान्य !

देठ्ठो तसो आलिशान नाशिल्लो
तसो प्रतिभावताचोय नाशिल्लो
तसो आलेम पेड्ड्यारांचोय नाशिल्लोच
पूण कळ्ळें ज्या देठ्ठचांत
तूं राविल्लें
तो तुज्या कर्तृत्वानूच उबो केल्लो
कलात्मक !!

स्मिता,
अदाकारीच्या उंचावटचार आसतना सुद्धा
ह्या देशाच्या नारी संस्कृतीच्या मर्यादेक
खूंट आयलीना
हांवें पळयल्यात तुजें दिस
रातीकूय दावणीक बांधून दवरतना

तुजी एक-एक तिनसांज
जारदीनाच्या वाटकुळ्या मेजार

तुज्यान घालोवपाक जाताली
सुरक्षितेतच्या बंदिस्त चौकटीत.
वस्तुस्थितीक नियाळटना
तुका तुज्या अंतःकरणाचो उलो आयकूंक आयलो
आनी ताचे साक्षरूप माणीन दिसलें
एका रातीच्या तोंकार मारिल्ले उलें
तेन्नांमेरेन स्पष्ट आयकूंक येतालें
न्हय, तुवेंच तें स्पष्ट केलें

स्मिता,
तुज्या पांवलां कुरवो चित्रसृष्टीत अमर जाल्यो
मिरच मसालाच्या तिकसाणीन आनी
आक्रोशाच्या आकांतान

स्मिता, रियलीटी आनी फेन्टासी
आतां सामकी पोरकी जाल्यात
आनी आपले ध्वनी, प्रतीध्वनी जावन
आपल्याचेरूच आपटतात
तळघरांत बंदीस्त जाल्ल्या आवाजांसारखे.
पुण एक खरें,
एका अनाथ तिनसानीर परततना
ते तुज्या भांगावयल्या नक्षत्रांची चान्नी रात
तोखेत
मुखावयल्या काळखांत देवतात
दिसाच्या सोदांत
तरीय सकाळच्या भविष्याची पत्रिका
खंयच्याय मातयेच्या भविष्यकाराक सांपडना.
चित्रांचे मळब रंगहीन जायत आयलां
कूपांक मनशांचे हुंकार दोळे जाय
आनी तुज्यो स्मृती उजवातीच्या वासा सारक्यो
परमळून येवची अचळय
स्मिता,
तुजीं पावलां मळबाक धडये
आपलीशींच वांटू येताली जांवये
आनी आतां तुज्या नासपान
कूपांक वांझपणाचे फेरे आयल्यात
तुज्या जैताच्या लकीरेचो एक तरी हुंकार
आयज कुपां आंवडेतात.

'ओडीयन्स' पावसाची वाट पळयता.

-●-

मंगल पांडे

मंगल,
वंगाच्या पारतंत्री शोषणांत
तू आशिल्ली पुरूषार्थी रगताची गाज
तुज्या तांबडचा भडंग रगतांत
हळव्या मनांची, निष्ठावान काळजांची
सपनां आशिल्ली
आयज नाजाल्यार कांल्या ह्या नंदनवनांत फुलपी
मंगल,
तुजीं शिरंतरा भेदतना
तुज्यांतल्या रगताच्या धारेन,
तुज्या निमण्या हुस्कारान आमकां सांगलें
लोकसत्तेची महत्वकांक्षी राजवट.
तुज्या रगताची धार ह्या मातयेच्या पोटांत
वयतना
आमी येवजिल्लें
ह्या देशांतल्या मातयेंतल्यान
कोटी कोटी हात वयर येतले
मनशांचें गांव बांधपाक
नराधमांचे रगत पिवपाक
शेळेल्ले रगत तापोवपाक,
त्या अमर्याद शोषणांतलें
तूं एक अस्तित्व !
मंगल, क्रांतीचे वर्स तुज्या नांवा सावन सुरू जालें
गुपाट मळार एका प्रकाशमान
अक्षराचो उदेंव जालो
आनी उज्याची धगसाण हांगसल्या अजाणांक
जाणवली
एका बडाचो जाहिरनामो प्रसिद्ध जालो.
पूण मंगल खरें सांगोव,
तुजें बलिदान व्यर्थ गेलें
तुज्या सपनांतलो देश आतां केन्नाच घडचो ना
हांगसर पावलां कणकणीं मानवतेचो खून जाता
काळजांचे पिळप जाता, मनांचे मरप जाता
आनी शिरंतरांचे गळप जाता
तरीय 'स्वातंत्र्य' ही अफूची गुळी
आमी केन्नां केन्नां घेतात, उपास पोटार
नशेत रावत जाल्यार खंय भूक लागना

-●-

कार्ल मार्क्स

इश्टा,
हांका तूं अजूनूय अनवळखी
हांच्या दुकांनी बसूनीय
तरीय तुका ते पायणेलांत
फास्केबंद करून होरयतात
आपलें वजे दुसऱ्याच्या खांदार दवरून
कित्याक, दुसरो हो सदांच वजे व्हांवोवपी आसा
आनी उरचो म्हण.

इश्टा, हांगसरलें जिवित मनशांच्या
जिविताखातीर न्हय
हें जिवित 'तांच्या' जगपाखातीर
हांचे शोषण तांचे जिवित जालां.

जेन्नां तुजीं लेखणी सत्य मांडटालो
तेन्नां हाणी तुज्या सगळ्या रस्त्यांक
शिमित्रीकडें बोट दाखयल्लें
आनी आपूण राजरस्त्यावेल्यान धांवलें
ह्या मुलूखाचो तख्त आपणावक
इश्टा, हांकां पूण खंय खबर आशिल्ली
तुजीं लेखणी ह्या संवसाराची दिकूच
बदलतली म्हण
प्रत्येक शोषीत मनशांच्या ताब्यांत
तापून पातळ जाल्लें लोखंड वतलें म्हण
संवसार बदलाक तुजें प्रतिनिधीत्व कसाक लागलें
कश्टांच्या सजीव मळ्यांतलें तूं चकचयाळ देणें.
इश्टा, हांगसल्ले उबे मनीस गिळून खावपी
गुपाट काळखांत
म्हाका आयकूंक येताल्यो मनशांखातीर
तुवें वांजयल्यो एकवोटाच्यों फेंवण्यों
मनशांच्या शोषणाची जाण करून दिवपी
आर्त जाणिव
आनी मानवतेखातीरचे सुरेल क्रांती वाद्य
हांगसर म्हज्या बावून गेल्ल्या अंतस्करणामेरेन.

इश्टा, तुवें ह्या काळखांतल्या कोणांतलें
हुस्कार उकलून धरून संवसाराक दाखयलें
'मानवाखातीर मानवतेक वांचयात'
हो तुजो उलो कानार परतो परतो आपटतालो
तूं आमच्या हुंडक्यांनी रावलो म्हणोनूच
तुकां कळ्ळें
आमच्यातल्या हुंडक्यांचे जळप
तूं आमच्या कश्टांचो झेत सांगपी तत्ववेत्तो
आनी काळखांतल्या मनशाची धगधगती चूड.
मार्क्स इश्टा,
तुजें खिणाचें अस्तित्व खूपूच उणें आशिल्लें रें
म्हणोनूच काय किदें दरेक घामाच्या थेंब्यांत
म्हाका तुजे पडबिंब दिसता
तुवें मानवतेच्या ताळ्यांतल्यान खरांदून
मारिल्ल्या
एकवोटाखातीरच्या उल्याची गाज
अजून म्हज्या अंतकरणांतल्यान
केन्नांतरी उठत आसता
पूण तेन्नां तेन्नां,
खंयच्या ना खंयच्या राजरस्त्यार
तुज्या लेखणेचो गर्भपात जाल्लो आसता.

○○○

गर्भपात

गर्भवासनेची उमळशीक
धेरेपेत आयली जाल्यार
ह्या निष्पाप जीवाक जापसालदार कोण ?
म्हज्यान तो जीव मायेमोगान
वागोवंक आनी पोसूंक जायना
हांवें म्हज्या जीवाची
केन्नाच केल्या पावणी
आनी म्हज्याच पदराक गांठ मारून
दवल्लां हांवें म्हजे मन
शारिरिक गर्भपातापरस
घडये धोक्याचो मानसिक गर्भपात
आनी दुःखाच्या पोटान जियेंताना;
खिणाखिणाक जाता गर्भपात स्वताचोव

– सुनिता (सोनिया) सुभाष शाह

महाविद्यालयीन कोंकणी शिक्षणांतले प्रश्न

– अमृता देसाय
आल्तीन, म्हापशें

शिक्षणिक मळार कोंकणीचें देवूळ बांदतना पयलीं कळस मागीर बुनयाद ही म्हणणीं प्रक्षत्यांत हाडिल्ली आमकां दिसता. १९८७–८८ ह्या शिक्षणिक वर्सा गोंय विद्यापीठांत कोंकणीचे दोन पेपर एम. ए. च्या वर्गांक सुरू जाले. त्याच वर्सा कांय मेजक्या कॉलेजींनी पयलें वर्स बी. ए. खातीर 'कोंकणी साहित्य' हो विशय सुरू जालो. हाचे पयलीं कांय वर्सां सावन शाळांनी आनी उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी दुसरी भास म्हण कोंकणी शिकोवप चालू आसलें. हे सगल्या परिस्थितीचो परिणाम असो जालो की १९८९ ह्या वर्सा कांय जाणांनी शाळा पांवडचार कोंकणी भास शिकून आनी कांय जाणांनी पयलीं केन्नाच कोंकणी भास शिकनासतना कोंकणीत एम. ए. ची पदवी मेळयली. एम. ए. पांवडचाक कोंकणीचे दोन पेपर शिकिल्ले हे उमेदवार उपरांतच्या कांय वर्सांनी कॉलेजींनी आनी हायर सेकेंडरींनी शिकोवपाक लागले. हे कोंकणी एम. ए. चो पाठ्यक्रम दोन पेपरांची आसलो १) अविल्लें कोंकणी गद्य आनी २) अविल्लें कोंकणी पद्य. कथेची कवितेची, नाटकाची आनी हेर साहित्य प्रकाराची समीक्षा करपाचें कसलेंच प्रशिक्षण ह्या कोंकणीतल्या एम. ए. च्या पाठ्यक्रमान विद्यार्थ्यांक दिवक ना. हाचे परिणाम आयज ज्या महाविद्यालयांनी आनी उच्च माध्यामिक विद्यालयांनी हे कोंकणी एम. ए. चे पदवीधर शिकयतात थंय दिसून येतात. अर्थात ह्या परिणामांक यहाविद्यालयांतल्या 'कोंकणी साहित्य' ह्या विशयाचो पाठ्यक्रम तितलोच जापसालदार आला. ते संबंधान मागीर विचार करचो.

१९८८–८९ वर्सा कोंकणीत एम. ए. केल्ल्या विद्यार्थ्यांची तुकडी भायर सरली. ताच्या दुसऱ्या वर्सा म्हळचार १९८९–९० ह्या वर्सा मडगांवच्या चौगुले कालेजीतल्यान कोंकणीचे तीन पेपर घेवन बी. ए. केल्ल्या विद्यार्थ्यांची तुकडी भायर सरली. उपरांत ह्या कोंकणीत बी. ए. केल्ल्या विद्यार्थ्यांनी जर कोंकणीत एम. ए. केल्ली जाल्यार तांच्या कोंकणी शिक्षणाबद्दल आनी कोंकणी गिन्यानाबद्दल तत्वतः तरी दुबाव करपाचें कारण नाशिल्लें आनी हे पदवीधर महाविद्यालयीन पांवडचार. कोंकणी शिकोवपाक योग्य (qualified) आसात अशेंय मानूंक हरकत नाशिल्ली. पुण अशे पदवीधर व्हडा प्रमाणार तयार जावंक उणेच म्हळचार आनीक दोन तीन तरी वर्सां वतलीं.

महाविद्यालयांनी आनी उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी कोंकणी शिकोवपाखातीर थोडे भोव कोंकणीचें प्रशिक्षण आशिल्ले शिक्षक तयार जावचे हो पयली एम. ए. च्या वर्गाक आनी मागीर बी. ए च्या वर्गाक कोंकणी साहित्य' हो विशय सुरु करपा फाटलो गोंय विद्यापीठाचो हेत आसूंये.

१९८६–८७ ह्या वर्सासावन कांय कॉलेजींनी पयलें वर्स बी. ए. खातीर 'कोंकणी साहित्य' हो विशय सुरु केल्लो. तो शिकोवपाखातीर शिक्षकांची गरज आसली आनी तेन्ना कोंकणीत एम. ए च नाशिल्यान दोन पेपर घेवन कोंकणींत एम. ए केल्ले पदवीधर तेन्ना मेळनासले अश्या वेळार कोंकणीचें गिज्ञान आशिल्ले; कोंकणी भास जाणा जावपी पूण हेर खंयच्याय भाशा विशयांत एम. ए ची पदवी आशिल्ले उमेदवार महाविद्यालयांनी कोंकणी शिकोवपाखातीर लेक्चरांच्या जाग्यार नेमचे पडलें. हें धोरण १९८९ मेरेन दवरचें पडलें. १९८९ च्या जूनांत कोंकणीचे दोन पेपर घेवन एम. केल्ले पदवीधर तयार जालें. तेन्ना कॉलेजींनी नव्या कोंकणी लेक्चरांच्या जाग्यार तांच्यो नेमणुको जाल्यो. खंयच्याय भाशेंचें साहित्य महाविद्यालय पांवडचार शिकोवंक सुरु करतकच त्या भाशेंतले पदवीधर मेळनात; आनी दुसऱ्या भाशेचे पदवीधर, पूण ती नवी भास जाणा जावपी उमेदवारांच्यो नेमणुको ते नवे भाशेचे शिक्षक म्हणून करतात तेन्ना कोंकणीची पदवी नाशिल्यांक कोंकणी शिक्षक म्हणून नेमलेंच कशें वा आठ पेपर कोंकणीचे घेवन म. ए केल्ल्यांकच कोंकणी लेक्चरर म्हणून नेमपाक जाय आसले हो वाद घालपांत अर्थ ना.

१९८७–८८ ह्या वर्सा एम. ए क सुरू जाल्ल्या कोंकणी दोन पेयरांच्या पाठ्यक्रमाचो विचार करूया. हाचेर विचार इतल्या-खातीर गरजेचो आसा कारण होच पाठ्यक्रम शिकिल्ले उम्मेदवार आयज वेगवेगळ्या कॉलेजींनी कोंकणीचे लेक्चरर आसात

I) अविल्लें कोंकणी गद्य ह्या पेपरांत १) संवसार बुट्टी– शणै गोंयबाब २) आमचो सोडवणदार ३) स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कथा– सं. अ. ना. म्हांबरो ४) निमित्ताक कारण– पुंडी दांडो ही पुस्तकां अभ्यासाक आसली जाल्यार II) अविल्लें कोंकणी पद्य ह्या पेपरांत १) कोंकणी काव्यसंग्रह– सं. बा. बोरकार २) कानडी भाती कोंकणी कवी– सं. प्रताप नायक ३) सड्यावयलीं फुलां– बयामाव ४) पांयजणां– बा. बोरकार ही पुस्तकां आसलीं. आजूनय होच पाठ्यक्रम चलता. हांतलो कोंकणी काव्यसंग्रह, सड्यावयलीं फुलां आनी संवसार बुट्टी ही पुस्तकां बाजारांत खंयच मेळनासलीं. ती पाठ्यक्रमांत लायल्यात जाल्यार ती छापपाची तरी वेवस्था तीं लावचे पयली जावंक जाय आसली तीय जावंक नासली. ह्या खंयच उपलब्ध नाशिल्ल्या पुस्तकांच्यो उण्यात उण्यो चार छायाप्रती तरी विद्यापीठाच्या लायब्ररींत दवरपाची सोय संबिन्धत विभागान करूंक जाय आसली तीय करूंक नासली. हांतले 'संवसार बुट्टी' हें पुस्तक जाल्यार सामकेंच अप्राप्य आसलें (आयजूय तीच परिस्थिती आसा.) ह्या पुस्तकाचो आकार पळेल्यार ताच्यो छायाप्रती काडप विद्यार्थ्यांक शक्य नाशिल्लें. मागीर असलीं दुर्मिळ पुस्तकां अभ्यासक्रमांत लायली कित्याक हो प्रश्न पडटा. ह्या सगळ्या भितर चिड्डलो तो विद्यार्थी. आनी अदर्धांवयर पुस्तकां सहजतायेन मेळनासतना ताणें कोंकणीच्या दोन पेपरांचो कितें आनी कसो अभ्यास केलो हाची कल्पना केल्ली बरी.

एम. ए. क कोंकणीचे दोन पेपर सुरू जावन तीन वर्सां (११८८–८९–१९९२–९३) जालीं तरी ह्या पाठ्यक्रमांत बदल ना. आनी 'सड्यावयलीं फुलां' सोडलें जाल्यार हेर पुस्तकां छापपाची तजवीज ना. अंदू १९९२–९३ हे वर्सा सावन कोंकणीचे आठ पेपर गोंय विद्यापीठात सुरू केल्यात. पयलींच्या दोन पेपरां-भायर समीक्षेचो एक, भाशाशास्त्राचो एक, कथा आनी निबंधाचो एक, शणै गोंयबाबांच्या साहित्याचो एक, इतिहासाचो एक बी कांय पेपर तयार करून तांतले कांय सुरू केल्यात. ह्या पेपरांनी पाठ्यक्रमांत आनी संदर्भाखातीर जीं पुस्तकां लायल्यात तातूंत कांय कोंकणी तर कांय इंग्लेज आनी कांय मराठी पुस्तकांचो आस्पाव आसा. तांतूतली जायतीं पुस्तकां खंयच मेळनात. शाळांनी शिक्षणाचे माध्यम इंग्लेज आशिल्यान इंग्लेज सगल्यांक कळटा अशें जरी मानलें तरी जें क्रिस्तांव विद्यार्थी कोंकणी शिकतात तांका मराठी कितलें कळटा आनी ह्या मराठी ग्रथांचो वापर ते कितलो करूंक पावतले हो विचार करपासारखो मुद्दो आसा. ही पुस्तकां लावचे पयलीं तीं कोंकणींत अणकारीत करूंक जाय आसलीं आनी जीं खंयच मेळनात तीं छापून काडूंक जाय आसलीं.

आतां कॉलेज पांवड्यावयल्या कोंकणी–शिक्षणाचो विचार करुंया ११८६–८७ ह्या वर्सा बी. ए. च्या पयल्या वर्साखातीर चौगुले कॉलेजीन 'कोंकणी साहित्य' हो विशय सुरू जालो. एप्रिल ९० ह्या वर्सा बी एक कोंकणीचे तीन पेपर घेवन पदवी मेळयली तुकडी भायर सरली. उपरांतच्या वर्सांनी हेर कॉलेजींनीय 'कोंकणी साहित्य' हो विशय सुरू जालो आनी भौतेक कॉले-

This Department (Board) is receiving a number of applications for change of use of land, in Regional Plan and Outline Development Plan. It involves legal formalities and administrative formalities. It is observed that the applicants generally do not attach proper documents like Cadastral Plan (original), Form one and fourteen in Panchayat and form 'B' for city survey issued by the record of rights office (original), countour plans and other documents. All such applications shall be addressed to the Government (Secretary Town Planning), Urban Development Department, Secretariat, Panaji.

It may please be noted that no applications will be entertained without the said documents in original.

ISSUED BY :

Town & Country Planning Department

GOVERNMENT OF GOA.

जींतल्यान कोंकणीत बी. ए. केल्यो एक एक तुकडयो गेल्या वर्सा गेल्यो. ह्या तीन वर्साच्या कोंकणी पाठ्यक्रमात पयल्या वर्साखातीर. १) स्वांती–सं. विष्णु नायक: हो निबंध संग्रह आनी २) रत्नाहार– हो र. वि. पंडितांनी संपादीत केल्लो कविता संग्रह आसा. दुसऱ्या वर्साखातीर १) खबरी कांय वर्माच्यो : लक्ष्मणराव सरदेसाय आनी २) मोगाचें लग्न : शर्णय गोंयबाब ही पुस्तकां लायल्यांत; जाल्यार तिसऱ्या वर्सा तीन पेपरांच्या अभ्यासक्रमांत **एक पेपर** कोंकणी साहित्याच्या इतिहासाचो आसा. **दुसरो पेपर** कथेचो जातूंत चन्द्रकांत केणी हाणीं संपादित केल्लो कोंकणी कथासंग्रह लायला जाल्यार **तिसरो पेपर** निबंधाचो जातूंत ' उजवाडचे सूर'– रवीन्द्र केळेकार आनी ' गोंयची अस्मिताय ' अ. ना म्हांबरो ही पुस्तकां लायल्यांत. पयलें वर्स बी. ए च्या विद्यार्थ्यांखातीर एक सक्तीची दुसरी भास आसा. तांतूत कोंकणीय आसा. ताच्या पाठ्यक्रमांत ' दोंगर चंवल्ला' हो कथा संग्रह आनी ' ताचो करामत ' हें नाटक आसा.

ह्या अभ्यासक्रमाची गुणवत्ता आनी प्रमाण योग्य आसा काय ना, तांतूतल्यान विद्यार्थ्यांचो कोंकणीचो अभ्यास खऱ्यानीच जाता काय ना, हें तयासून पळोवप गरजेचें आसा. कारण तांतूतल्यानच महाविद्यालयींन कोंकणी शिक्षणातले प्रश्न उप्रासल्यात. फाटल्या वर्सा नवी त्रिसत्र परीक्षा पद्धत सुरू करपाखातीर सगल्या विशयांची पाठ्यक्रम गोंय विद्यापीठान बदलिल्लो. हाका आडवाद फकत कोंकणी बी. ए. पयल्या वर्साचो. पाठ्यक्रम पयली आशिल्लो तोच दवरला. हाचें कारण पाठ्यक्रम मंडळाची आळसाय काय कोंकणी साहित्याचो दुकळ हें कळपाक मार्ग ना तरी पुण जो पाठ्यक्रम तसोच दवरला तो कसो आसा तो पळोवया

' दोंगर चंवल्ला' हें सक्तीची भास म्हण कोंकणी शिकप्यांखातीर जें पुस्तक लायलां ताच्या पांवडयाबद्दल कोणाक दुबाब आसचो ना. शिकोवपी आनी शिकपी दोगांकय हें पुस्तक समाधान दिता. पुण ' ताची करामत ' हें नाटक, ओपारींनी भरिल्ली भास तांतूत आसली तरी सामान्यच. तीच गत ' मोगाचें लग्न ' ह्या नाटकाची. हीं नाटकां आतां काढून उडोवंक जाय. नाटकांच पाठ्यक्रमांत लावपांची आसात जाल्यार हांच्यापरस जायती बरीं नाटकां कोंकणीत आसात ती लांवची.

' कोंकणी साहित्य ' ह्या विशयाखातीर पयल्या वर्साच्या बी. ए. च्या विद्यार्थ्यांक ' स्वाती ' हें निबंधाचे पुस्तक लायलां. तांतूतले निबंध सामकेच सामान्य आनी शाळेच्या मुरग्यांक फाव अशे आसात. रत्नाहारांतल्या कवितांमीय तीच परिस्थिती. कांय आडवाद सोडले जाल्यार तांतल्यो कविता प्राथमिक अवस्थेतल्यो आसात आनी कॉलेज पांवडयाच्या नदरेन तांचे विश्लेशण करप आनी तांचेर प्रश्न दिवप कठिण पडटा. ते भायर अभ्यासाखातीर आशिल्या २५ कविता भितरल्यो ८ कविता ८ वी ते १२ मेरेनच्या कोंकणी पाठ्यपुस्तकांनी आसात. ह्यो कविता परत्यो शिकूंक विद्यार्थी बाजेतात. मागीर शिक्षकाक तरी खंयची उमेद येतली ? ' खबरी कांय वर्माच्यो कांय कर्माच्यो ' ह्या पुस्तकांतलो ' मास्तर ' हो निबंध ' स्वाती ' पुस्तकांत आसा जाल्यार ' पदेर,' रें देरे ' म्हजी दुसरी बायल हे निबंध विद्यार्थी आठवी ते बारावी मेरेनच्या वर्गांत केन्नातरी शिकिल्ले आसतात. पयल्या वर्सा सक्तीची भास म्हण मराठी घेवपी विद्यार्थी ' कोंकणी साहित्य ' हो विशय शिकपी आसत जाल्यार ह्या पुस्तकांतल्या १६ निबंधांतले ६ निबंध ते ' गोव्याकडची मागसं ' ह्या तांच्या पयल्या वर्साच्या मराठीच्या पाठ्यपुस्तकांतल्यान शिकून येतात. लेखकाबद्दल पुराय आदर आसून लेगीत एक दोन आडवाद सोडले जाल्याल्यार ह्या पुस्तकातले भोवतेक निबंद सामान्यच म्हणटचे पडटले.

अशे तरेन सगल्याच अभ्यासक्रमाचो पांवडो सामान्यच आशिल्ल्यान ताचेर महाविद्यालयीन पांवडयाचे प्रश्न विचारून ताचेर विद्यार्थ्यांकडल्यान जापो बरोवन घेतना मर्यादा येता.

दुसरी गजाल म्हळ्यार ११वेक १२वेक कोंकणी साहित्याचें कांयच गिन्यान नासतना विद्यार्थी पयले वर्स बी एक ' कोंकणी साहित्य ' हो विशय शिकूंक येतात कारण कोंकणी सोपी हो गैरसमज. हाचें कारण म्हळ्यार बारावेक कोंकणी हो सोपेपणान पास जावपाचोच (passing) न्हय तर चडांत चड मार्क मेळोवन दिवपी (scoring) विशय देखून पयले वर्स बी. ए. खातीर साहित्य म्हळ्यार कितें साहित्यप्रकारांची वळख (कथा, नवलिका, कविता, निबंध, नाटक) तांचे एकमेकांपासूनचें वेगळेपण आनी सारकेपण हांची म्हायती पयल्या सत्रात आनी उपरांत दुसऱ्या सत्रात एखाद्रचा पुस्तकाचो अभ्यास असो अभ्यासक्रम आसूंक फाव. हातूंतल्यान विद्यार्थ्यांची आस्वादक वृत्ती वाडटली. दुसऱ्या वर्साखातीर समीक्षेची वळख पयल्या सत्रांत करून दितकच दुसऱ्या सत्रात (term) एखादें नाटक वा नवलकाणी हांचो अभ्यास समीक्षेच्या नदरेन जावचो.

पयले आनी दुसरें वर्स बी. ए. च्या कोंकणी अभ्यासक्रमांक बयर सांगलां ते प्रमाण स्वरूप दिवप रोखडेंच शक्य नासत; (समीक्षेचीं पुस्तकां व्हडा प्रमाणार नाशिल्ल्यान) जाल्यार जीं पुस्तकां अभ्यासक्रमांत लायल्यांत तीं तरी बदलचीं आनी तांचो आंकडोय वाडोवचो. महाविद्यालयांनी शिकोवपांत येवपी ' कोंकणी साहित्य ' ह्या विशयाचो ' मराठी साहित्य ' वा ' हिंदी साहित्य ' ह्या विशयांकडें आमी तुळा केली जाल्यार कोंकणीचो अभ्यासक्रम ह्या हेर भासांच्या अभ्यासक्रमाच्या मानान उणो आसा हें आमका दिसतलें. हाचो परिणाम सध्या तरी असो जाता की शिक्षकान कितलोय वेळ काढलो आनी बारीकसाणेन शिकयलें तरी अभ्यासक्रम बेगीन शिकोवन जाता आनी अभ्यासक्रमाभायले कितेंय शिकोवंचें म्हळें जाल्यार विद्यार्थी शिकूंक तयार नासतात. तिसरें वर्स बी. ए. च्या कोंकणी अभ्यासक्रमाचे बाबतींतय हीच आडमेळ आसा.

तिसऱ्या वर्साखातीर कथेच्या पेपरांत (Paper III) एक संपादित कथासंग्रह लायला तांतूतल्या कांय कथा सामान्यच आसात. दुसरी गजाल म्हळ्यार विंगड विंगड कथाकारांच्यो कथा आशिल्यान तांचो समग्रपणान विचार करतना मर्यादा येतात. फाटल्या कांय वर्सांनी हांतूतल्या कांय सामक्या सादारण कथांचेरय वोस गुणांचे प्रश्न विचारल्यात. पुण हांतूत प्रश्न विचारप्याचो गुन्याव करू नज

कारण आसा तांतूतले ताका विचारचें पडटा. कोंकणी कथा आनी कोंकणी कविता ही हेर भासांतल्या कथे कवितेपरस मातुय फाटीं ना अशें आसतना कथेच्या पेपरांत एक वा दोन कथाकारांच्या सगल्या कथासंग्रहांच्या संदर्भात तांचो अभ्यास जांवंक जाय आसलो तो संपादित कथासंग्रह पाठ्यपुस्तक म्हणून लायिल्यान जायना. तेच वराबर तिसऱ्या वसौखातीर एक कोंकणी कवितेचोय पेपर आसूंक फाव. आनी कांय एक दोन कविचो तांच्या कवितासंग्रहांच्या आधारान अभ्यास जावंक फाव. ते वाट्याचो निबधांचो पेपर दवरला काय कितें असो प्रश्न पडटा. ह्या पेपरांत जे निबंधसंग्रह लायल्यात ते बरे आसात पुण तांचे प्रमाण उणें पडटा. पुण हो पेपरच काडून उडोवन हांतुतल्या एका संग्रहाचो अभ्यास पयले वर्स वा दुसरे वर्स बी एक जाल्यार चड बरें जातलें. ताचे बरोबर निबंधाच्या सिद्धान्ताचोय (theory) अभ्यास जावप गरजेचें आसा.

कोंकणी साहित्याच्या इतिहासाच्या पेपराखातीर 'कोंकणी सरस्पतीचो इतिहास' हें पुस्तक लायलां. पुण तांतूत सगली म्हायती ना. दुसरे म्हळ्यार विद्यापीठान ह्या पेपराचो आवाठ स्पष्ट करूंक ना. म्हळ्यार खंयच्या विशयाचो/काळाचो कितल्या विस्तारान आनी खोलायेन अभ्यास जात्रचो हे अभ्यासक्रमाच्या आराखड्यांत सांगूक ना. देखून खंयचे कॉलेजींत शणै गोंयबांचेर खोल अभ्यास जाता, जाल्यार खंय मिशनऱ्यांच्या कोंकणीच्या वावरार. एके कॉलेजांतल्ो शिक्षक कोंकणीच्या विंगड विंगड मोडींचेर चड लेक्चरां दिता जाल्यार दुसरे कॉलेजीत १७ व्या १८ व्या शेकड्यांतल्यां कोंकणीच्या मोडीचेर जायनात. देखून खंयच्या विशयाचो कितल्या खोलायेन अभ्यास करप, पेपराचो पेटर्न कसो आसचो आनी गुण दर विशयाक कशे आनी कितले वाटून दिवप हें पयली स्पष्ट थारावंक जाय १९८९-९० वर्सा बी. एच्या तिसऱ्या वर्सा खातीर कोंकणी सुरू जायत सावन लागीं लागीं तीन वर्सां जायत आयलीं. अदू जाल्यार एम. एकय कोंकणीच्या इतिहासाचो पेपर सुरू केला. पुण कोंकणी साहित्याचो वेवस्थीत इतिहास एकठांय आसपी एकूय पुस्तक कोंकणीच्या खंयच्याच संस्थेन उजवाडाक ना. कोंकणी इतिहास वयली म्हायती हांगा थंय कोंकणी मराठी आनी इंग्लेज भासांच्या पुस्तकांनी शिंपडिल्लीं आसा आनी हीं पुस्तकांय सोपेपणान मेळनात. हीं जंय आनी जांचेकडें आसात थंयच्यान सोंदून हाडून तीं वाचून कोंकणी भाशेच्या इतिहासाच्या विंगड विंगड कालखंडाचेर शिक्षकाक टिपणां तयार करची पडटात कारण दर पुस्तकाची एक प्रत आसत जाल्यान ती १० / २० विद्यार्थ्यांनी वाचचीं आनी आपले आपुण टिपणां तयार करची ही अपेक्षा विद्यार्थ्यांकडल्यान करू नज. हाका लागून कोंकणी साहित्याच्या इतिहासाची सगळी म्हायती पुंजावन तीं विद्यार्थ्यांक दिवन विद्यापीठ परीक्षेच्या नदरेन तांचेकडल्यान तयारी करून घेवपाची जापसालदारकी शिक्षकार पडटा. तेंवूय बी ह्या पेपराचो आरखडो (Pattern) स्पष्ट नासतना. इतले त्रास काडून कोंकणी शिकोवची पडली तरी लेगीत कोणुय वळखीचो इष्ट ना सोयरो कितें शिकयता म्हण वासपूस करता तेन्ना ताका कोंकणी म्हूण सांगतकच एक जाल्यार तो तोंड तरी वांकडे करता ना जाल्यार 'कोंकणी न्हय सागीर सामकीच सोपी' अशी तरी प्रतिक्रिया उक्तायता.

बी. ए क स पेपरांचो अभ्यासक्रमय आतां तयार केला. पूण तांतूत लायिल्लीं जायतीं पुस्तका बाजारांत मेळनाशिल्ल्या तो सुरू करपाची उमेद जायत्या कॉलेजींक ना. आनी विद्यार्थ्यांनी जर ६ पेपर घेवपाची इत्सा उक्तायली जाल्यार ते पुस्तकां नासतना अभ्यास कशे करतलो हो प्रश्न आसा. ह्या नव्या तीन पेपरांभितर एक कोंकणी व्याकरणाचो पेपर आसा. हांतूत कोंकणीची व्याकरणी बांदावळ आनी कोंकणीचें नादशास्त्र ही पुस्तकां लायल्यात. ही खंयच्या म्युझियमांत आसात तीं सोदची पडटलीं. कारण कोंकणीची खंयची संस्था एक दोन वर्सां भितर तीं दुसरे फावट उजवाडायतली म्हणपची आस्त ना. एस. एम. कत्रे, एम आल्मैदा, जे. ए. फर्नांडिस ह्यां बरोवप्यांची पुस्तकांय आसात. पुण तीबूय बी सोपेपणान मेळनात.

वेवहारिक कोंकणीचो पेपर ह्या तीन पेपरांत आसा. पूण ताचेर कोंकणीत पुस्तकां नात. मराठी आनी हिंदी पुस्तकांचेर पातवयेवचें पडटलें. एक कवितेचो पेपर आसा जांतूत 'स्वतंत्र गोंयांतली कोंकणी कविता' हें पुस्तक लागला. हांतूतल्या अभ्यासाक थारायल्या कविता भितर कांय कविता सादारण कवींच्यो सादारण कविता आसात.

हें जाले महाविद्यालय पांवड्यावयल्या कोंकणीच्या अभ्यासक्रमाक लागून तयार जाल्ले प्रश्न. हे भायर प्रमाण भाशेचो प्रश्न आसा. विद्यार्थी आपूण उलयतात ते मोडींत बरयतात. तांतूत जायत्यो शुद्धलेखनाच्यो चुको आसतात. पुण प्रमाण कोंकणी भास नाशिल्ल्यान तांतूतल्या चुकासयत सगल्या तरेच्या कोंकणींतलें बरप स्वीकारचें पडटा. परीक्षेचे पेपर तपासता असतना खंयचे भाशेचे भाशेच्य कसवटचावेर ते तपासचे ते कळना. कोंकणीचे म्हालगडे म्हणटात कोंकणीच्यो विगड विगड मोडी ह्यो कोंकणीची शक्त पूण हें साहित्याचे बाबतींत म्हणप बरें आसा. शिक्षणातल्यान खंयचेय भाशेचो प्रसार आनी विकास करचो आसत जाल्यार खंयचीय एक भास प्रमाण मानून ताचें व्याकरण तयार करून ते प्रमाण बरप वाचप करप खूप गरजेचें आसा.

थोड्याभितर सांगपाचें जाल्यार सहजतायेन वा सामकींच मेळनाशिल्ल्या पुस्तकांचो पाठ्यक्रमांत आस्पाव, पाठक्रमांतल्या कांय पुस्तकांचो सामान्य पांवडो, समीक्षा साहित्याचो अुणाव, प्रमाण भास नासप हे सारख्या जायत्या आडमेलींक लागून महाविद्यालयीन कोंकणी शिक्षणांत प्रश्न उप्रासल्यात. ह्यो आडमेळी पैस करप शिक्षणिक खेत्रांत कोंकणीचो बरे दिकेन विकास जावपाखातीर गरजेचें आसा. जाल्यारच जी कोंकणी आठवे वळेरींत वचून बसल्या तिची योग्यताय आनी तांक सिद्ध करूंक मेळटली.

-✱-

गोंय राजभास कायदो आनी ताची अंमलबजावणी

– प्रकाश वि. तळवणेकार
देवसू, कोरगांव

४ फेब्रेर १९८७ हो कोंकणी भाशेच्या जैतातलो आनी गोंयकारांच्या जिवितातलो एक भांगराचो असो इतीहासीक दीस. ह्या दीसा गोंय विधानसभेत कोंकणी गोंयची राजभाशा हें विधेयक २१ आड ८ मतांनी संमत जालें.

कोंकणी राजभाशा जावचे पयली १९८४ त कोंकणी गोंयची राजभाशा जांवची ही मागणी मुखार आयली. मागणी मान्य जायना म्हण मोर्चे आनी लाखांनी लोकांचे मेळावे–महामेळादे जाले. आनी गोंयांत रणखेव सुरू जालो. ते खातीर कांय कोंकणी भक्तांक आपलो जिवय व्हगडांवचो पडलो. लोकांनी अशे तरेन आंदोलन सुरू केल्यांन शेवटाक सरकाराक कोंकणीक राजभाशा करपाचो निर्णय घेवचोच पडलो.

राजभाशेचो मुखेल उपेग आसता तो त्या भाशेतल्यान राज्यकारभार चलोवपाचो. राज्यकारभार चलयताना लोकांकडे संपर्क सादपाचें राजभाशा एक माध्यम. गोंयांत पोर्तुगीज सत्ता आसतना सगळो राज्यकारभार हो पोर्तुगेज भाशेंत चल्लो आनी गोंय स्वतंत्र जातकच ताची सुवात इंग्लीश भाशेन घेतली. सरकारी पत्रवेवार, सरकारी नोकरेखातीर जातल्यो मुलाखती असो सगळो राजकारभार इंग्लीश भाशेंतल्यान चलपाक लागलो. पोर्तुगीज राजवटीत पोर्तुगीज जाणा जाल्याकच जशे सरकारी नोकऱ्यो मेळटाले. स्वतंत्रताये उपरांत ताची सुवात इंग्लीश भाशेन घेतली. आमचो देश इंग्लीश लोकांच्या गुलामगिरीतल्यान स्वतंत्र जालो. आनी गोंयांत पोर्तुगीज सत्ता गेल्या उपरांत गोंयांत राजकारभारांत इंग्लीश भाशेक सुवात दिवन ही भाशीक गुलामी तशीच सुरू दवरली. सामान्य मनीस हो सदांच आपल्या फायदयाचो पयली विचार करता. सरकारी नोकरी जाय तर इंग्लीश भाशेंत शिक्षण घेवपाक जाय. इंग्लीश भाशेशिवाय आपल्या भुरग्यांक नोकरी मेळची ना हें सर्वसामान्य पालकांच्या मनार बिंबलें. तर गिरेस्त घराब्यांतल्या पालकांनी आपल्या भुरग्यांक इंग्लीश मुळाव्या शाळांनी, हायस्कुलांनो घालप हो आपलो प्रतिष्टेचो कसो प्रस्न केलो. हाका लागून खाजगी इंग्लीश मुळाव्यो शाळांनी आनी हायस्कुलांनी विद्यार्थ्यांची रिग लागपाक लागली. अशे तरेन गोंयांत इंग्लीश भाशेचो हिसपाभायर थातोमातो जालो. गोंयांत सादारणपणान १५ टक्के इतल्या लोकांक इंग्लीश समजता आनी हेर ८५ टक्के लोकांक इंग्लीश कळना. हाका लागून जांका इंग्लीश येयना आनी जांका फकत कोंकणीच कळता अशा गरीब–सामान्य गोंयकारांक गोंयांत कसलेंच मोल उरूक ना. कोंकणी राजभाशा जाली म्हण्टकच इंग्लीश भाशेंचें हे स्तोम ना जातलें. इंग्लीशच्या बदला कोंकणीचो उपेग जातलो. गोंयचो गरीब–सामान्य मनीस राजकारभार सोपेपणी जाणाजावन घेवंक शकतलो. ताका सारको न्याय मेळटलो अशी आस्त आशिल्ली. पूण ४ फेब्रेर १९८७ त कोंकणी राजभाशा जावनय आयज मेरेन ती कागदाचेर उरल्या.

कोंकणी गोंयकारांची आवयभास आनी गोंयची लोक भाशा. कोंकणी राजभाशा जावनय आयज पंचायत पातळेवेल्यान सगळ्याच सरकारी कारभारांत फकत इंग्लीश भाशेचोच उपेग जाता. तशें सगळ्याच सरकारी ऑफीसानी गोंयाभायले ऑफीसर–कर्मचारी आसात. तांका सारकी कोंकणी कळना. आनी ताका लागून गरीब-सामान्य गोंयकार तांचे मेरेन संपर्क सादूंक शकना, आनी एका तरेन गोंयकारच गोंयांत भायलो जायत चल्ला.

दर एका गांवांतल्यो ग्रामपंचायती आनी लगरपालीका ह्यो त्या थळाव्या वाठारातले स्वराज्य संस्था. अशा चडशा पंचायती–नगरपालीका वांगड्यांचे वो सरपंच–नगराध्यक्ष हांचे शिक्षण हें मर्यादीत आगता. पंचायती–नगणपालीका वांगडा जावपी सरकारचो सगळो वेवार हो इंग्लीश भाशेंतल्यान चलता. इंग्लीश भाशेंचे बरें गिन्यान नाशिल्यान हो कारभार ह्या पंचायत–नगरपालिकेच्या वांगड्याक बरे तरेन कळना आनी भौसंख्य लोकांकय कळना. हाका लागून पंचायत–नगरपालीकेचे वांगडी आनी लोक राजकारभारांत बरे तरेन वाटो घेवंक शकनात. आनी हाचेपासत गांवच्या विकासाची कामां सारकी जावंक पावनात. पंचायत–नगरपालीकामदे चलपी कारभार बरे तरेन सगळ्याक कळपाखातीर अशा मुळाव्या पांवड्यावेल्यान सरकारान कोंकणी सक्तीची करपाक जाय.

आवय भाशेंतल्यानच विद्यार्थी बरो अभ्यास समजू शकता हो संसारीक सिद्धांत. पुण गोंयांत इंग्लीश भाशेचो थातोमातो चलीत्यांन भौसंख्य आवय बापायचो कल हो आपल्या भुरग्यांक इंग्लीश शिक्षणाकडे धाडपाकडे आसा. पूण इंग्लीश ही एक परकी भाशा जाल्यान विद्यार्थ्यांक ती सारकी कळना आनी विद्यार्थी फकत पाठांतराचेर भर दितात. हाका लागून गोंयच्या शिक्षणीक मळार आयज विद्यार्थ्यांचें व्हडा प्रमाणांत बौद्धीक लुकसाण वललां. आयचे विद्यार्थी फाल्याचे

नागरीक. फाल्या शिक्षण सोपतकच हे विद्यार्थी गोंयात विंगड विंगड सरकारी आनी हेर मळार वावुरतले. आयज ना फाल्या राजभाशा कायदो चाळीक लायतकच राजकामारांत कोंकणीचो उपेग हो करचोच पडटलो. ते खातीर मुळाव्या शाळांक आनी हायस्कुलांक कोंकणी माध्यम सक्तीचें करपाक जाय. उच्च माध्यमिक शाळा– कॉलेजानीय कोंकणी हो एक सक्तीचो विशय करपाक जाय. ताका लागुन विद्यार्थी दशेतच तांका कोंकणीचें बरे तरेन गिन्यान मेळटलें आनी ताचो उपेग फुडाराक गोंय आनी गोंयकारांक जातलो.

आयज गोंयांत सगळीकडे इंग्लीश भाशेचो प्रभाव लोकांर आसा. इंग्लीश भाशे संबंदान भ्रामक कल्पना आसात आनी कोंकणीविशीं गैरसमजुतीखातीर पयली सरकारी दरबारांत इंग्लीश भाशेचें स्तोम आसा तें उणें करचें पडटलें. सरकारी नोकरे खातीर इंग्लीश जायच ही अट आनी लोकांच्या मनांत आशिल्लो समज ना करचो पडटलो. सगळीं सरकारी खातीं ही लोकांच्या सेवेखातीर आशिल्यान सरकारी ऑफीसानी इंग्लीशच्या बदलाक कोंकणीच वापरची जडटली. नोकरे खातीरय कोंकणीचें गिन्यान आसप गरजेचें अशी अट घालची पडटली. सर्वसामान्य मनीस हो आपल्या पोटाचो पयली विचार करता. सरकारी नोकरे खातीर उमेदबारांच्यो मुलाखती इंग्लीश भाशेतल्यान जातात. हाका लागून सरकारी नोकरी जाय तर इंग्लीश ही येवंक जायच. इंग्लीश ही आपल्या पोटाची भास अशें विद्यार्थी आनी तांच्या पालकांच्या मनार बिंबता. आनी सगळे विद्यार्थी इंग्लीश शाळांनीच धांवतात. ते खातीर राजकारभारांत इंग्लीश भाशेचो उपेग उणो करून त्या जाग्यार कोंकणींचें गिन्यान गरजेचें असो नेम करून राजभाशा कायदयाच्या आदारान कांय प्रमाणांत भायल्या उमेदवारांक आडावन गोंयकारांक नोकऱ्यो दिवपा खातीरय बरे तरेन राजभाशेचो उपेग करपाक येता. तेज भाशेन वैजकी वो इंजिनिअरींग कॉलेजानी प्रसेश दितना गोंयकार उमेदवारांचें हीत राखुंकय कांय प्रमाणांत शक्य जातलें. राजभाशेचो हो बेवारीक फायदो आमच्यान करून घेव येता. ह्या संदर्भात गोंयकार तरनाटयाचो फुडार सांबाळून दवरपाचें साधन म्हणुन कोंकणी राजभाशेंचें म्हत्व आनी मोल खुब्ब आसा. हें करता आसतानाच सामाजीक आनी सांस्कृतीक मळार आनी हेर शक्य थंय सरकाराक कोंकणीक मान आनी प्रतिष्टा मेळोवन दिवचे खातीर खासा पावलां उखलची पडटली.

कोंकणी राजभाशा जाल्या उपरांत राजभाशा कायदो चालीक लांवक खंयच्याच सरकारान फावा ते कसलेच उपाय घेवंक ना. ना म्हळें तरीय हाका आडवाद पु. लो. आ. सरकारच्या काळातलो. हे वेळार कोंकणी राजभाशा आंदोलनातले एक पुढारी आनी एक कोंकणी भक्त श्री. चर्चील आलेमांव हाणीं पु. लो. आ. सरकारच्या राजवटीत राजभाशा कायदो खातें आपणाकडे दवरलें. आनी राजभाशा कायदो चालीक लावपाखातीर खासा आदेश दिले. सरकारी

Road Accidents are one of the greatest cause of death for young people in the age of 15–25 years

DEAR MOTORIST, you can AVOID ACCIDENT !

Causes of Accidents

- Driving a defective : Motor Vehicle.
- Driving under tension
- Ignoring rules of the road conditions and Traffic Regulation sings.
- Lack of adequate experience of Driving.
- Driving under influence of liquor.

Please remember :

DRINKING & DRIVING DO NOT MIX

- Measures for avoidance of Accidents :
- Careful Driving.
- Concentrate on what you do.
- Make sure that you have a good knowledge of the road conditions and traffic regulations.
- Keep your vehicle in good running order.
- Do not drive under tension, and do not be overconfident while driving.

Issued in the public interest by :

Directorate of Transport
Panaji–Goa

((N – DI/OD/DT/P Advt/92/6

कर्मचाऱ्याक कोंकणीचें प्रशिक्षण दिवपाखातीर शिक्षक नेमले. सरकारी खात्यानी देवनागरी टायपरायटर पावयले. आनी राजभाशा कायदो चालीक लावपाखातीर बरी पावलां घातिल्ली. आनी इतल्यान पु. लो. आ. सरकार कोसळ्लें. उपरांत म. गो. पक्षांतलो एक गट फुटून कॉंग्रेसीत आयलो. श्री. रवी नायक हांची मुख्यमंत्रीपदार निवड जावन पर्यंत एकदा कॉंग्रेसचें सरकार सत्तेर आयलें. आनी जाका कोंकणीचें व्हडलेशें कांयव लागून वचूंक ना आनी जाका राजभाशेंचे व्हडलेशें म्हत्वय खबर ना अशा श्री. विनयकुमार उसगांवकाराकडे हें राजभाशा खातें सोपयलें. फाटीं विधानसभेंत कांय विरोधकांच्या मुद्याक जे तरेन ताणी कोंकणी राजभाशेचें समर्थन करून जाप दिवक जाय आशिल्ली ती तें दिवंक शकले नात. फाटल्या पु. लो. आ. सरकारच्या राजवटीत राजभाशा कायदो चालीक लावपाखातीर सुरू केल्लें काम ह्या सरकारान मुखार सुरु दवरलें ना. कोंकणीचे प्रशिक्षण दिल्लें ते सरकारी कर्मचारी आतां कितें करतात ? उरिल्या कर्मचाऱ्याक कोंकणी प्रशिक्षण केन्ना दितले हाचो पाठपुरावो करूंक ना. मुख्यमंत्री श्री. रवी नायक हांचे सरकार सद्य। राजभाशा कायद्याचे आपणाक कायक पडूंक ना अशा थाटात वग्गी आसा. सरकारी कचेऱ्यानी ते वेळार दिल्ले देवनागरी टायपरायटर उपेगाविना कोनशाक धूळ खायत पडल्यात. राजभाशा कायदो चालीक लावपाची घोशणा फाटी श्री. उसगांवकार हाणीं केल्या. पूण सगळें कासवाच्या गतीन सुरु आसा. राजभाशा कायद्याची वेगी अंमलबजावणी खातीर राजभाशा कायदो खातें एकाद्रचा दुसऱ्या कोंकणीमोगी आमदार-मंत्र्याकडे सोपयल्यार ताचो फायदो जाव येता कांय कितें हाचेरच आयज विचार जांवक जाय.

कोंकणी राजभाशा जावनय राजकारभारांत आजुन इंग्लीशच उपेगात आशिल्यान जाका फक्त कोंकणीच येता असो गोंयचो सामान्य मनीस आयज काळोखातच उरला. सरकारी ऑफीसानी आशिल्या गोंयाभायल्या बऱ्याच अधिकाऱ्यांक कोंकणी येयना. ताका लागून अशा अधिकाऱ्याकडे हांगचो सामान्य मनीस आपलें म्हणणें मांडपाक शकना. जांव असो अधिकारी उलयलले सामान्य मनशाक कळना. आनी एक तरेन विकासाच्या कामाक आडमेळी येतात. हाका लागून सकयल्या पांवड्यासावन उंचेल्या पांवड्यावेल्या सरकारी अधिकाऱ्याक कोंकणींचे गिन्यान सक्तीचें आसप गरजेचें आसा. ताका लागून सगळ्या सरकारी अधिकाऱ्यांक टप्याटप्यात कोंकणीचे प्रशिक्षिण सक्तीचें करपाक जाय. नव्यान सरकारी नीकरेक घेतल्या कर्मचाऱ्यांची निवड ही कोंकणीचें सारकें गिन्यान, कोंकणीचेर निश्टा आनी कोंकणीत जे बरे तरेन राजकारभार चलोवक शकतले अशा उमेदवारांक सरकारी नोकरेत प्राधान्य दिवपाची अट घालपाक जाय.

सरकारी कारभारांत राजभाशा कायदो चालीक लायले उपरांत ताची सारकी अंमसबजावणी जाता काय ना हाचेर देखरेख दवरपाक जाय. सरकारी खात्यात एक दुसरो कोणय कर्मचारी हो कोंकणी द्वेश्टोय आसू येता आनी ताचो द्वेश राजभाशा कायद्याक आडखली हाडू शकता. अशा अधिकाऱ्याआड खर कारवाय करपाची तरतुद कायद्यात आसपाक जाय. आयज गोंयात सरकारी ऑफीसानी प्युनाच्या नोकर मावन व्हडल्या हुद्यार गोंया भायले जायते अधिकारी आसात. हांतूतल्या बऱ्याच जणांक कोंकणीचें अजिबात गिन्यान ना. त्या सगळ्या अधिकाऱ्यांक अट कोंकणीचें गिन्यान सक्तीचें करपाक जाय. ते थराविक मर्यादेची अट घालून ह्या काळांत तांका कोंकणी प्रशिक्षण पुराय करपाची सक्ती करपाक जाय जर उचेल्या पांवड्यावेल्या एकाद्रचा भायल्या अधिकाऱ्याक ताच्या राज्यांत वचपाची इत्सा आसा आनी ताचे बदला भायल्या राज्यांतलो असो एकाद्रो गोंयकार गोंयांत येवपाक इत्सुक आसा जाल्यार ताका गोंयात येवपाक सोपेपणी मेकळीक दवरपाक जायच.

आयज सरकारचो लोकावांगडा जाता तो पत्रवेवार इंग्लीश भाशेंत जाता. हो पुराय वेवार कोंकणीतल्यान जावपाक जाय. राजकारभार चलोवपाक लागपी कोंकणी उतरांचो कोश तयार करपाक जाय. सरकारा कडल्यान कोंकणी भाशेतल्यान आयलेले पत्र एकाद्रचा अशिक्षीत मनशान कोणायकडल्यान वाचून घेतले तरी ताका तें बरेतरेन समजतलें. आयज सगळ्याच सरकारी कचेऱ्यानी फलक हे इंग्लीश भाशेंत आसात. हे फलक कोंकणीतच आसपाक जाय. कदंब बस महामंडळाच्या बसिनी आनी बसी फाटल्यान बरयल्यो सुचवण्यो कोंकणीत करपाक जाय. कंदब बसीचे तिकेटी राजभाशेंत म्हळ्यार कोंकणीत आसपाक जाय. कोंकण रेल्वे कोंकणी ही गोंयची राजभाशा हें पुराय तरेन विसरल्या, हें तांचे पळयतकच जाणवता. हें अशें जावंक दिव उपकारना. कोंकणीक राजभाशेची हक्काची सुवात ही त्या त्या सुवातीर मेळपाकच जाय. कोंकणी गोंयची राजभाशा जाल्यान सगळ्या सरकारी कचेऱ्यानी कोंकणीतल्यान प्रसिद्ध जावपी (दै. सुनापरान्त) खबरापत्र घेवप हें सक्तीचें आसुक जाय. गोंय विद्यापीठांत आनी अकादेमीत कोंकणीच्या संशोधनाकय उर्बा मेळपाक जाय. कोंकणीत शब्दकोश, विश्वकोश तयार करपाचें काम चल्लां. कोंकणी गोंयची राजभाशा जाल्या उपरांत कोंकणीचो आठवे वळेरेनय आता आस्पाव जाल्यान ह्या अशा कामाक वेग दिवपाची गरज आसा. कायदे, नेम आनी हेर खात्यानी लागपी मजकुर भाशांतरीत करून घेवंक जाय. सरकारी म्हायती खात्यावरवी मेळपी म्हायती आनी खात्याच्यो जायराती कोंकणीतल्यान मेळूंक जाय.

गोंयातल्या सामान्य- गरीब मनशाक राजकारभार समजून घेवप आनी तांतूत वाटो घेवप सोपे जावचे म्हण आपल्या आवय भाशेक राजभाशेचो दर्जो मेळोवन दिवपाखातीर गोंयचो मुखेल घटक आशिल्या क्रिस्तांव आनी हिंदु भावांनी आंदोलन सुरू केलें. ते खातीर कांय जणाक आपलो जीव लेगीत व्हगडावन त्याग केला. सरकारान हाची दखल घेवन कोंकणीक राजभाशा करपाचो निर्णय घेवचो पडलो. आनी तेखातीर राजभाशा कायदो चालीक लावक सरकार पूराय बांदील्लें आसा. सरकार आपणाली ही जापसालकी जर टाळपाचो यत्न करता जाल्यार कोंकणीक राजभाशा करचे खातीर कोंकणी प्रजेचो आवाजान जशें आंदोलन सुरू केलें तशेंच तरेचें आंदोलन पर्यंत एकदा सुरू करचे पडटलें.

-✱-

Directorate of Education
Educational Development in Goa

1.

	No. of Institutions on Liberation	To day 1900	Enrolment On liberation	To day	Teachers On liberation	To day
Primary	476	1250	53607	107216	1206	3904
Middle	—	436	—	84840	—	2453
Secondary	95	329	9260	68064	321	2443
Hr. Secondary	1	39	921	16812	40	673
College (General)	—	15	—	9833	—	466

2. Marching towards achievement of 100% universalisation of Elementary Education by 1995.
3. Liberal provision of scholarships, freeships, book grants and other incentives to a large number of economically backward students, girl students, SC/ST students etc. in order to check stagnation and dropouts.
4. Library movement— By 1995 every village Panchayat will have a village library. Taluka libraries are opened in all Talukas to encourage reading habit among the students, youths and adults.
5. Emphasis on Vocational and Technical Education in order to encourage self employment and increase in employability in private firms.
6. Note-books sold at concessional rates to students through schools, Co-operative societies and Sahakari Bhandars.
7. Mid-day meals being provided to 20,000 children in Primary Schools.
8. Free supply of text books, note books, raincoats, uniforms, etc. to the poor and needy students in the rural areas so as to achieve 125% enrolment in elementary schools and help in achieving 100% literacy by 1992-93.
9. Government is marching towards achieving 100% literacy in the next 2-3 years. Literacy percentage even in backward talukas like Canacona, Sanguem, Sattari, Pernem, etc. is 80% in the age group of 15 to 35 years and 70% in the age group of 0 to 100 years as per the survey conducted in March 1989.
10. An Institution known as District Institute of Educational Training has been established at Porvorim in order to upgrade the training programme of pre service primary teachers.

FUTURE PLANS

1. Establishment of a Sainik School in Goa.
2. Upgradation of State Institute of Education into a State Council of Education Research and Training.
3. Upgrading the taluka level administration and complete decentralisation of power at Zonal and Taluka Level.
4. Strengthening of inspectorate at Zonal and Taluka level in order to provide regular and effective training and supervision to the teacher at all levels upto Higher Secondary level.
5. Provision of liberal grants and building loans to private schools.
6. Incentive grants to the private Secondary Schools in order to encourage healthy competition among Government schools.

Directorate of Education
GOVERNMENT OF GOA
PANAJI-GOA

N - DJ/OD/DE/P. Advt./92/5

गोंयचे बेकारेचो प्रस्न आनी उपाय

– सखाराम गोविंद शेणवी बोरकार
आकें, मडगांव

आयज आमच्या भारत देसा मुखार दोन भिरांकूळ प्रस्न आसात. अेक लोकसंख्या वाडीचो आनी दुसरो बेकारेचो. आयज पुराय भारतांत आदमास एक कोटी वयर बेकार आसात. हांतूत कुशळ आनी अकुशळ कामगारांचो आसपाव जाता.

आमच्या गोंयांत एक लाखा वयर बेकार आसात. गोंयची लोकसंख्या जर बारा लाख धल्ली. तर तातूंतले वट्ट अेक लाख लोक बेकार आसप ही एक भोव दूखदेणी गजाल.

'गोंयांतल्या बेकारेची कारणां'

१) गोंय सुटके उपरांत, हांगा व्हड प्रमाणांत नोकऱ्यो उपलब्ध जाल्यो. विंगड–विंगड मळाचेर तज्ञ लोकांची गरज उप्रासली. पूण त्या वेळार गोंयकार व्हड प्रमाणांत शिकिल्ले नासले, आनी जे शिकील्ले आसले ते मुंबय वा भारतातल्या इतर राज्यानी स्थायीक जाल्ले.

गोंय सुटकेउप्रातचे जे सरकार आयले, ताणी खरेपणी ह्या लोकांक गोंयात आपोवन तांका मंदी दिशपाच्यो. तेचवांगडा गोंयांत जे शिकील्ले आसात तांका त्या– त्या मळार प्रशिक्षण दिवपाचे. पूण हे काम सरकारांन केले ना. त्या बदला भायल्या आनी चड करून महाराष्ट्रीयन लोकांक हांगा 'डेप्युटेशनाचेर' हाडून गोंयच्या विकासाचे गरजेक लागपी तज्ञ लोकांचो प्रस्न तात्पूरतो सोडयलो. हातूत 'सातवी शिकील्या' महाराष्ट्रीयन मास्तरांचोय आसपाव जाता. हांचे हातांत गोंयच्या फुडाराचे शिक्षणाची दोरी दिली.

पुण हे जे 'भायले' लोक गोंयात आयिल्ले ते गोंयच्या भल्याखातीर न्हंय तर जीवाचा गोवा करपाक. हांका गोंय अथवा गोंयकाराचे भल्याचे पडूंक नासले. गोंयकारांक प्रशिक्षीत करपाचे हांचे ध्येय नासले. ताणी प्रशासन मळार आपल्या सोयरे–धायऱ्याक-रिगयले आनी गोंयकार मात तिसरे दर्जाचो कारकूनच उल्लो.

गोंयचे उदयोगीक धोरण

२) गोंयातले बेकारेचे दुसरे अेक मुखेल कारण म्हळ्यार गोंयांतले चुकीचे उदयोगीक धोरण. गोंय सुटके उपरांत हांगा खूब उदयोग–धंदे आयले. पूण हे उदयोग–धंदे गोंयकारांक फावो सारके आसात कांय ना, गोंयकाराचे कामाचे शक्तीचो आनी उद्योगीक ज्ञानाचो उपेग जातलो काय ना हे चिंतीं नास्तना ह्या उदयेग–धंद्याक सरकारान परवाने दिले. आनी हे उद्योग धंदे 'चलौवक गोंय भायले कामगार हाडचे पडले. चडशे उद्योगधंदे भायले लोकांचे हातांत आसले. कारणान उद्योगीक वसावळीचें मुखेल कामकाज पळोवक हाणी भायले लोक हाडले. जे भायले लोक आयले ताणे त्या–त्या उद्योग धंद्यात भायल्याच लोकांक चड प्राधान्य दिले. ह्याच खातीर गोंयातली बेकारी वाडली.

३) चुकीचो शिक्षणीक प्रसार

गोंय सुटके जपरांत हांगा शिक्षणीक प्रसार खूप जालो. पूण शिक्षणीक प्रसार फकत 'पदवीधर' निर्माण करपातच उल्लो. आयच्या परीस्थितीक ज्या शिक्षणाची गरज आसा ते शिक्षण दिवंक हो शिक्षणीक प्रसार कमी पडलो. हे जे कागदी 'पदवीधर' जाल्या मुरग्यांक आपले पारंपारीक काम करपाक उणाकपण दिसपाक लागले. शेवटी हें मुरगे'बेकारच' उल्ले. जर ह्या पारंपारीक धंदयाक तंत्रीक शिक्षणाची जोड दिल्ली तर हे धंदे करपाक शिकील्ले मुरग्यांक लज दिसपाक नासली.

४) राजकी हस्तक्षेप

गोंयातली बेकारी वाडपाक आनी अेक म्हत्वाचे कारण म्हळ्यार राजकी हस्तक्षेप. गोंयांत ज्यो सरकारी नोकऱ्यो आसात तांतूंत चड प्रमाणांत राजकी हस्तक्षेप जालो. आपले मर्जीतल्या लोकांची ह्या राजकी लोकांनी सरकारी नोकऱ्यांत भरती केली. ह्या कारणाक लागून लायक लोक बेकार उल्ले. ह्या राजकी लोकानी फक्त आपल्या स्वार्थाचो विचार करून वेळ पडल्यार लांच घेवन भायल्या लोकांक नोकऱ्यो दिल्यो. जे भायले लोक आयले ताणी आपल्याच लोकांक प्राधान्य दिले. अशे हे दुष्टचक्र चालूच उल्ले.

५) लोकसंख्या वाड

लोकसंख्या वाड हे बेकारेचे एक मुखेल कारण. सुटकें वेळार गोंयची लोकसंख्या स लाख आसली. ती आयज बारा लाख जाल्या आजून लेगीत आमी लोकसंख्या आळाबंदा हाडूंक शकले ना. ह्याच खातीर आमचे सगळ्यो येवजण्यो फसल्यो. ज्या तरेन लोकसंख्या वाढ जाली त्या तरेन गोंयचो उदयेगीक विकास जालो ना. हाका शिक्षणाची जोड मेळील्यान शिकील्या बेकार लोकांचो आंकडो वाडलो. आनी बेकारो वाडली.

बेकारीचेर उपाय

गोंयांत 'शिक्षण पुराय करून मायर सरतल्या मुरग्यांक मानाचो रोजगार' दिवपाची सरकाराची मोख आसपाक जाय. जायज गोंयत सगळे कडेन बेकार तरणाटचाची वाडती फौज तयार जाता. आमचे पांच वर्सुकी येवजणेचे सगळ्यात मोठे अपेस म्हळ्यार बेकारांचे प्रस्न सोडोवंक ह्यो येवजण्यो पांवक नात.

लोकसंख्या वाड आळाबंदा हाडून उद्देगकरणाक लागून निर्माण जातात ते रोजगार थळाव्या मनीसबळ अनुरूप जावपाचे धोरण आमी आंखूक जाय. कित्याक तर एकाद्रो उद्देग सुरू जालो तरी तो चलोवपा खातीर लागतात. ते मनीसबळ दुसरे राज्यातल्या हाडप जाता, आनी त्या राज्यांतल्या लोकांक कामधंदो सोदपाक तिसरे कडेन कच्चे पडता. आपल्या गांवांत, राज्यांत, तालुक्यांत जेन्ना उद्देग सुरू जाता तेन्ना तो उद्देग त्या राज्यांतली जमीन, वीज, उदक वापरता. प्रदूशण भोंवतणच्या वाटाराकूच जाता. पूण नोकऱ्यो मात भायल्या लोकांक मेळता आनी ते गांवचे लोक बेकार उरतात. ह्याच गोंयकाराचे हिताचे राखण करप गरजेचे. कसले तरेचे मनीस बळ ह्या उद्देगांक लागता ते मनीस बळ गोंयात आसा काय किते हे पैली थारावोंक जाय. ते तरेचे मनीसबळ जर गोंयांत नासत तर ताका त्या तंत्राचे प्रशिक्षण दिवंक जाय. जाल्यार थळाव्या लोकांक नोकरी मेळप सोंपे जातलें.

आयज कोंकणी हि भारतीय घटनामान्य भास जाल चडांतचड कामां गोंयकाराकच मेळची ह्या खातीर कोंकणीचे ज आसप सक्तीचे करपाक जाय.

गोंयांत पंदरा वर्साचो राबीतो आसप गरजेचे करपाक ज पुण गोंयांत पंदरा वर्सा रावीतो आसा हि सर्टीफीकेट दिवपी यंत्र बरी तरेन चलूक जाय. कित्याक तर आयज काल कांय पैशे दिल्य हि सर्टीफिकेट कांय न्हंय करून मेळता, ह्याचेर खर लक्ष दव गरजेचे.

आप रोजगार कार्य पद्धतीत बदल करून गोंय सरकार फावा तो बदल करून गोंयच्या तरणाटचाक स्वतंत्र वेवसाय करप प्रोत्साहन दिवंक जाय.

आनी निमणे आमचे गोंयकार भावांनी सरकाराचेर अवलं ना रावता, ल्हान-ल्हान उद्देगधंदे करपांत कुडाकार घेंवक जा आनी मुखेल म्हळ्यार ह्या उद्देगधंद्यांत आपूण गोंयकारांकूच घेत हे थारावंक जाय. सरकाराचे सगळ्या येवजणेचो आनी सवलती लाभ घेवंक जाय. गोंयकारानी आपली सुशेगादपणाची वृत्ती सो कश्टांचो कामां करपांत फुडाकार वेवंक जाय. 'चाकरी'पणाची वृ आमी मोडूंक जाय. आमी जर आपल्या पांयार उबे रावन ल्हान ल्हान उद्धेग धंदे उबे केले जाल्यार आमच्या बराबरच आमचे गो कार भावांचे बेकारेचो प्रस्न आमी सोडोवंक शकतले.

IRRIGATION DEPARTMENT

GOVERNMENT OF GOA.
PANAJI-GOA

PARTICIPATES IN THE DEVELOPMENT OF THE STATE BY EXECUTING THE DEVELOPMENTAL WORKS UNDER WATER RESOURCES

Through construction of :

1. **Salaulim Irrigation Project.**
2. **Tillari Irrigation Project.**
3. **Anjunem Irrigation Project.**
4. **Command Area Development works in both Anjunem & Salaulim Irrigation Projects.**
5. **Minor Irrigation Schemes such as Construction of Bandharas, Tanks and Lift Irrigation.**

and

MANY OTHER SCHEMES UNDER WATER RESOURCES DEVELOPMENT.

Issued By :- **IRRIGATION DEPARTMENT,** Panaji - Goa.

बालगितां

– तुकाराम रामा शेट

मागणे

सगळी आमी एक
भावा भयणा खास
आमी एक उरूं
हीच आमची आस

घरतरी आमची माय
तिच्यांतसून बळ मेळूं
वाव आमचो दाय
ताणे प्राण फुकूं

सदाच सूर्य आज्यान
आमचेर उजवाड घालूं
ताचे माया उबेन
नवो वावर करूं

मळब आमची आजी
गोपांत तिच्या वाडूं
आमच्या हांवेसाचें माथें
उंच वयर सरूं

पोकळो

शिगमो येयलो
ढोल वाजलो
हांव जालों
न्हडलो पोकळो

भाव धाकलो
म्हाका भियेलो
हांव बरो
गालांत हांसलों

मामालो रकाद

कावळो गेलो कोचीक
मामालो रकाद घेवन
करूंक लागलो काव काव
घरा पाडसार बसून

भाच्याची आठय तेन्ना
याद काडी चिंतेन
ती भावाची भयण मागीर
विचारूं लागली खोशेन

'कायळ्या तूं गोंयां
गेलो ऽल (ो) वे?
पुत्तोले मामाक
दिक्कील (ो) वे ?
यो म्हण्टाल (ो) वे ?
येतोल (ो) म्हणटाल (ो)?
कायळ्या तू गोंयां
गेल्लोल (ो) वे ?'

भाचो नाचूक लागलो
मामाच्या रकादान
भयण आयकत रावली
खोशेच्या उमाळ्यान

'काण्णा चुन्ना भिण्णा
रसाळ पिकून रावल्यां
आंबे पणसा घरे
परमळान घमघमल्या
यो रे भाच्या यो
योगे भयणी यो
शेकड्यांनी वर्सा
वाट पळयतां'

म्हातारो भुरगो

एक आसलो भुरगो
सत्तर वर्सांचो
धव्या केसाचो
पिकलेल्या खाडाचो
एक आसलो भुरगो–

तो भुरग्यांमदी बसलो
चॉकलेटी दिना म्हूण तो
रड रडपाक लागलो
एक आसलो भुरगो–

भुरग्यांनी सामको ताका
लेडाय लेडायलो
आनी कूय कूय करीत.
चाळय चाळयलो

एक आसलो भुरगो–
चॉकलेटी मेळ्ळ्यो तेन्ना
तो खूब खोशी जालो
आनी खोशी जावन तो
हांस हांस हांसलो
एक आसलो भुरगो–

जल्मदिसाची परबी

तुकां जल्मदिसाची परबी
लाला लाला ला ऽ
तूं सगळ्यांक जाय दिसचो
लाला लाला ला ऽ

तूं खूब खूब शिकचो
लाला लाला ला ऽ
तूं व्हड मनीस जांवचो
लाला लाला ला ऽ

कविता

चित्रशलभ

हे तें मान पिसोळें !
नीळ तांबीडे फूलां पात्ये–
वेष घालेलें पिसोळें.
फुल्लारि बेसता झाडारि खेळता
चित्रशलभ ताका धरचाक भोवंचांक
खेळ रे खेळ खेळेयता !

कालि किं पयरि अशिल्ली आशा :
लोल मोवाळें पाक तागेलें
एक पुणीय बोटाक लागतलें,
मात्र स्पर्शिल्यारि
वीज सरि जीवाळो
जीणेक लागतलो,
एकदा, हावूंय बी उबूंक शकतलों !

कालि किं पयरि अशिल्ली आशा :
आपडूंक ताका धांव रे धावंलां
फातर कांटे चिकोल विसरून
कितलो वेळ उद्यानांतु भोवंलां–
चित्रशलभ ताका घरूक भोवंतल्याक
भोवंड्यो कितल्यो भोवंडायल्या !

दूरा बेसून तें आजि हासता
वंटारि हावूंय एक हासू थापीतां–
व्यर्थ गळयिल्ले हूमेचो हासू
नष्ट केल्लेले वर्सांचो हासू
मोन्ने दूकांचो मिटसो हासू
बुरसो हासू खरशे हासू...

सपनां सगळींय करपल्यांत
दिकतल्याले हे दोळे सरीय
आजि हुलपल्यात
हात कांट्यांरि शिदल्यात
पाय फातरांरि थोंटल्यात
चित्रशलभाचे मार्कशि उड्डल्यान
हारियोच हारियो रे खायल्यात !

नज आनीक वृथा उड्डि
जाल्या हाडांची पुड्डि
देड खीणाक बेसतां खाल
वळता हें भोवंडे–पाबल
चिके दोळो तरि केल्लो आड,
मनांतु फुल्लां–झाड !

कुर्वण चुकता–किंतें किं
हाताक लासता-पळेल्यारि
आरे !
हें तेंचि पिसोळें !

– शरत

भास

म्हजे दोळे जेन्ना
उजवाडाचे चान्ने पियेता
तेन्ना बिण्ण काळखांत
चितनाच्यो पाकळ्यो गळूंक लागतात
तेन्ना म्हाका भास जाता
तेंगश्यांनी मातलेलें झाड
खंतीचो बरड लागून
मुळांसकट कोसळता
असो म्हाका भास जाता

– सुनिता (सोनिया) सुभाष शाह

बालदिसाचें गीत

चौदा नोवेंब्राक चाचा जल्मले हो जल्मले
चाचा नेहरू अमर जाले हो अमर जाले –
ब्रिटीशांकडे ते खर झुंजले खर झुजले
देशाखातीर त्याग केले त्याग केले –
भारताचे पंतप्रधान जाले हो जाले
भारताचे भाग्यविधाते थाल्ले हो थाल्ले –
सगळ्याखातीर काम केलें काम केलें
भुरग्यांचे ते इश्ट जाले इश्ट जाले

– तुकाराम रामा शेट

म्हाकां आवडलेलें कोंकणी पुस्तक 'पांयजणां'

– मिलन वांयगणकार
सांखळे

साहित्यीक चळवळीचेर जर आमी एक नदर माल्ली जाल्यार आमकां अशें दिसून येता की कांय पुस्तकां हीं मूद्दाम बरयल्यांवरी दिसतात जाल्यार कांय पुस्तकां काळजांतल्यान स्फुरल्यांत. तांतूतलीं कांय जिणेच्या संगीताचे सूर काडपी पुस्तकां आसात जीं मनभुलायणीं, काळजाच्या कप्प्यांत खंय तरी खोल सतारीची तार छेडटात. म्हाकां माविल्लें अशेंच एक पुस्तक म्हळ्यार नोव्हेंबर १९६० वर्सा उजवाडायल्लें सर्गेस्त बाकीबाब बोरकारालें पुस्तक 'पांयजणां.'

सूर

सादारण तरेन आमी जेन्ना खंयचेंय एक पुस्तक वाचतात तेन्ना आमच्या काळजांत एक सूर उमट्टा. ह्या सुराचो संबंद नवरसांकडे आसता. 'पांयजणां' ह्या कविता झेल्यांत प्रेमरस आनी श्रृंगाररस हांच्या वांगडाच ताल, लय, छंद ह्या सगल्या अलंकारानी, सगल्या सुरवटीनी परिपूर्ण आशिल्लें बाकीबाबाचे काव्य वाचप्याक एका वेगळेच सुरावटीच्या सुरांचेर भोंवडावन हाडटा.

त्या दिसा वडाकडेन गडद तिनसनां
मंद मंद वाजत आयलीं तुजीं गो पांयजणां

हीं उतरां पांयजणां जावन आमच्या कानांकडेन छुमछुमतात तर ही सबंद कविता वाचतना हीं उतरांच घुंगरां जातात.

योरे योरे चांदी मामा
भाच्या तुज्या पळय
मोतयांच्या झेल्याक म्हज्या
खांदचार तुज्या खेळय

हे कवितेक लेगीत एक वेगळीच लय आसा. अशें म्हणटात, आशय आनी गांवंक येवप ह्यो दोन गजाली खंयच्याय कवितेची उंचाय वाडयतात. त्या अर्थान अशें म्हणन दिसता की 'पांयजणां' हो कविता झेलो खरोच सूरसंगाच्यो आलेटी घालीत आमच्या काळजाक भिडटा.

क्रांती हो एक असो भाव, जो वेगवेगळ्या तरानी कवितेन येता. बाकीबाबाच्या कवितानी क्रांती लेगीत सुरांचेर बसून येता म्हळ्यार अतिताय जावची ना. केन्ना केन्ना क्रांती आमच्या आत्म्याक तेरायता.

नाक आमी पावणेर काडलां
घाला तुमी लास
जी तुमी म्हणशात ती
म्हणू आमी आमची मास.

ह्यो वळी– नाजाल्यार –

चंद्रीमाक घाय जाला
काळखाचेय फुटले दोळे
कणकीतली माय, आयक
चोय वशीन घालता उले.

ह्यो वळी घेतल्यो जाल्यार आमकां उतरां कणकणी बाकीबाबाच्या कवितानी क्रांती लेगीत ताला सुरार येता ती पळोवंक मेळटा.

शब्दकळा

शब्दकळेच्या नदरेन चितल्यार लेगीत 'पायजणां' हो कविताझेलो खूप उंचेल्या पांवडचावेलो. हातूत उदाहरणूच दिवचें जाल्यार– शकून लक्षणां, चंद्रलोक, इंद्रनंदना, चंद्रज्योती, दोंगर घळी –

स्वासान तुज्या आमची कूड
पेटली जाली दर्भ चूड
सर्गाचो चडटा घूड
प्राण उखलासून

तापत्रयी, म्होवान मल्ले फुलां गळे, घुमलो देह पावरे वरी चंद्र खांदा तेकलो आनी मोलादीक बोल, पवित्र हो मंगळार अशा कवितानी बाकीबाबाची प्रविभाशाली शब्दकळा सामकी प्रतिभेन लखलखता अशें दिसून येता.

आटाप

ह्या कविता झेल्यात चाळीस कविता आसात. तांतून 'संजीवनी' ही एक नृत्य नाटिका आस्पावन घेतल्या. सुर्वेकूच पुरुष सुक्त छापलां आनी कविता झेल्याची प्रस्तावना 'पांयजणां वाजचे पयलीं' अशा मथळ्याची दिल्या. ह्यो गजाली कविता झेल्याची उंचाय वाडोवपाचे नदरेन पुरक थारल्यात.

बाकीबाबाच्या मराठी झेल्याकडेन तुळा केल्यार 'पांयजणां' हो झेलो तितलो खास ना. पूण कोंकणीतले हेर कविता झेले हांव

वाचता तेन्ना ' पांयजणां ' हो कविताझेलो चड ओडलायणो दिसता.

स्वाभिमान

कोंकणी चळवळ खूबशा अग्नीदिव्यातसून गेल्या आनी ताका लागून प्रत्येक बरोवप्यान गोंय आनी गोंयकारपण तिगोवचें, आनी स्वाभिमानाचो हुंकार आपल्या काळजांतल्यान येता अशी सादारण वाजप्यांची अपेक्षा; आनी हे अपेक्षेक ' पांयजणां ' हो कविता झेलो सामको उतल्ला, अशें म्हाकां दिसता.

इपदेंतलो वाटाय म्हाकां
न्हय रे म्हजी प्रार्थना
भायर जैत जोडचे हावें
बाय आंगार झेलतना

—०—

गोंय आमचें मुळपीठ
कोंकणी आमची भास
कोंकणी संस्कृताय आमच्या
जाण्टयाली मिरास

—०—

पूर्व आमचें किर्तीवंत
त्या परस फुडार
गोंय आमकां करचें आसा
भावकेचें कुळार

—०—

गोंयचें नांव ब्हड करून
ल्हान जाले म्हान
बंदखणीचीं देवळां जाली
लामण दिवे प्राण

असल्यो वळी जेन्ना आमी ह्या काव्य झेल्यान वाचता तेन्ना आपचें काळीज लेगीत स्वाभिमानान रसरसता. सगल्या साहित्य प्रकारांचो जेन्ना हांव विचार करता तेन्ना म्हाकां कविता हो साहित्य प्रकार काळजांतलो उमाळो भोव खरपणान उक्तावपी अशे दिसता. बाकीबाबांची स्वाभिमानाची प्रवृत्ती तांच्या वळीवळीतसून जाणवत रावता.

सुर्वेकूच हावें म्हणिल्ल्या प्रमाण वेगळ्याच नजाकतीच्या सुरावटींचेर भरून आयिल्ल्यो ह्यो वळी, आमच्या काळजाच्या विणेची तार छेडटात. अशें म्हणटात. कविता बरयली जाल्यार ती विशिष्ट मर्यादीतूच उरता पूण तेंच कवितेचें गीत जालें जाल्यार तें गीत आपल्या सुरावटीसयत तळागाळामेरेन पावता. आनी हे नदरेन चिंतुक गेल्यार बाकीबाबांच्यो कविता चालबद्द मांडणेच्यो आनी बांदणेच्यो अशो दिसतात.

बाकोबाबाच्या कवितानी प्रेमरस सोपून श्रृंगाररस खंय सुरू जाता तोच समजना. इतलो वाचपी त्या काव्याकडेन तद्रुप जाता. घरंदाजपणा हो एक गुण ' पांयजणां ' ह्या कविता झेल्यान म्हाकां होलमलो.

म्हज्या घराची तू रसणाय
सदांच मुख गे तुजें हांसकुरें
अडचल्ल्याचे तुका चुरचुरे
सदळ हात म्होबाळ उतर मन

—०—

तुज्या हातच्या परखंदानी
बासरी भल्ली आप्तेष्टांनी
चार दिसानी नंडे परस
सुचती तरे ह्याच घोवा

—०—

आयज म्हाकां जरी पडटीं चवरां
लागता दसदिशीच्या भोवरा
आसून सगलीं भांगरा शिंगरा
तू नासून उकाशी

बायलांच्या नथे वांगडा दादल्यांचें सांडटा नाक अशा तरेच्या कवितानी घरंदाजपण दिसून येता.

सौंदर्य

सौंदर्याचे बाबतीस पळेलें जाल्यार बाकीबाबांची प्रत्येक कविता ही सौंदर्य प्रधान आसा. तांच्या कवितानी गेयतेचें तशेंच ताल सुरांचें सौंदर्य जाणवत रावता. देखीक –

येता नगर सुंदरता सपन वासवदत्ता

—

हात्याभाशेन हात तुजे गोरे गोरे पान गो

आमी जेन्ना खंयच्याय काव्याचो चारूय कटेन बारीकसाणेय विचार करता तेन्ना त्या काव्यातल्यो प्रतिमा, प्रतिक, शब्दकळा, सूर, लय, ताल, कारूण्य, भाव, श्रृंगार अशे सगल्यो गदाली आमकां केन्ना भुल्लुसायतात, केन्ना हासयतात आनी केन्ना केन्ना दोळ्यांतल्यान दुकां लेगीत काडूंक लायतात. नवी उमेद हाडपी, काळजाक स्फूर्त दिवपी काव्य लेगीत ह्या कवितानी आसात. खंयचीय कविता वाचतकच जो भाव उप्रासता ताका काव्यानंद म्हणटात; मागीर तो कसलोय भाव आसूं.

ह्यो सगल्यो गजाली बाकीबाबांसकट तांची ' पांयजणां ' आनी ' पांयजणां'त गुंथील्ले प्रत्येक घुंगरूं म्हज्या कानांत तशेंच काळजातूय छुमछुमत रावतात –

आनी मागीर म्हाकां म्हणन दिसता...

बाकी गेलो उल्लो बाब
खिणां गेलो उल्ले काप
ह्यो यादी तुज्यो कविराया
झोमता आमच्या काळजाक...

—※—

गोंयचे पर्यावरण

– वर्षा वि. नायक
केपें

गोंय हो आमच्या विशाल भारत देशाच्या अस्तमते-देगेवेलो एक ल्हानसो बिंदू. पारतंत्र्यात आसताना ताचे वर्णन A Pimple on the face of India.' अशें पंडीत नेहरून केल्लें. कांय साइत्यकारांनी ताका ' पूर्वेकडलो रोम ' म्हळां. तर कांय साइत्यकारांनी ताका ' मराठी जगताची ' काशी ' म्हळचा. आयज भारत आनी महाराष्ट्र हांच्या संदर्भात गोंयचो जर विस्तार पळेलो जाल्यार ताज्या ल्हानपणाची स्पश्ट कल्पना येतली. पूण गोंयची ही मूर्ती ल्हान आसली तरी किर्ती खुप मोठी आसा. ' गोंय ' हो शब्द खबर नाशिल्लो एकय देश जगांत ना अशें जर म्हळे तर ती अतिताय थारची ना.

गोंयची सुंदरता, गोंयचे निसर्गसौंदर्य, बाराय म्हयने ताजेपण तिगोवन दवरपी पांचवेचार दोंगर, मांडवी– जुवारी सारख्यो न्हयों. क्षितिजाबरोबर सदांज गुढगुंजन करपी समुद्र आनी तांचो लांबलचक वेळो पळोवन मन सामके गुंग जावन वता. मनाक सामकी भुरळ पडटा. गोंयचे कलाजीवन हें सैमाइतलेच सुंदर आसा. गोंय हचे ' मराठी नाटकाची गंगोत्री ' अश्ये गोंयकार मानतात. संगीत क्षेत्रात लेगीत गोंयकार गायक– गायिकांनीं जे धाडस दाखयलें ताका तुळा ना.

गोंयाक खुबशे पर्यटक येतात. गोंयांक जो जो येता. तो ह्या निसर्गरम्य भुयेच्या मोगात पडटा. शारांतल्या गर्दीतल्यान घुस्मटून येवपी दर मनशाक ह्या गोंयच्या भूंयेत पयली आपणावपाक मेळटा तें वातावरणातलें ताजेपण. पाचवींचार झाडां, पाचवेचार दोंगर, नाल्ल सुपारेच्यो बागों. मांडवी, जुवारी सारख्यो समुद्रसंपन्न न्हयों, सुशेगादपणान जगपी मनशां, अश्या ह्या निसर्गाचो स्पर्श प्रत्येक पर्यटकाक आत्मनिर्भर करता. आनी मागीर तो म्हण्टा ' हांव गोंयच्या मोगांत पडलां. चंद्र आनी समुद्र हांच्या अलौकिक संबंधाचें दर्शन घेवचे ते गोंयातच. मांडवी आनी जुवारी ह्यो दोंन न्हयों म्हळ्यार गोंयचो पंचप्राण. ह्यो दोन्हीं न्हयों पावसांत सामक्यो गर्भार बायलेंसारख्यो दिसतात. तुडुंब भरिल्यान तेन्ना त्यो सामक्यों थकिल्यावरी दिसता. आनी त्यावेळार तांच्या पोटांतल्यान घोलत वचपी फेरीबोट ल्हारांचेर आपोआप नृत्य करता असो भास जाता. श्रीमती इंदिरा गांधीन, या गोंयचे नंदनवनाचे वर्णन एक ' सुंदर कुडको ' अश्ये केल्ले. पावसाळ्यांत. धडिल्या गोंयच्या दर्शनान त्यो साहजिकच भुल्लसून गेल्ल्यो आसतल्यो. आमच्या या गोंयचें वर्णन थोडक्यात करप खुप कठीण आसो. दोंन न्हयों कडेक पाचवेचार दोंगर, देवतेर घरा, मदल्या भागात भाताची पांचवीचार शेंता, सुपारेची कुळांगरा आनी पिशे लावपी ' वेळो ' म्हळ्यार आमचे माणकुले गोंय. रस्त्यान खयी वतना हें गोंय दिसता. फोंडेच्या वाटेन वतना प्रवाशांचो पाय पयली घुटमळता तो म्हाडुळा. कारण त्या माणकुल्या गांवाक जायो–जुयेच्या फुलांचो वास येता. फोंडेच्या वाटेर नुस्त्याची गांथन घेवन आशिल्ली भुरगी, तवशांच्यो राशी घेवन बशिल्ल्यो वनकन्या आनी आबोलीचे वळेसर पळोवन प्रत्येक प्रवाशांची पावला थारतातच. बाजार आनी जात्रा हें गोंयच्या जिवितातले आनीक एक म्हत्वाचें आंग. गोयांत पळोवपा सारखें इतले किदें आसा की त्याखातीर फक्त वेळ, उगते दोळे आनी रसिक हृदय आसपाक जाय. हे जरी सगले खरे आसले तरी गोयचें काळीज आसा ते शेवटाक देवळांनी. अशे हें गोंयचे सगळे वैभव.

गोंयचे खास आकर्षण म्हळ्यार वेळो. हांगचे समुद्रकिनारे पळोवपा खातीर सगल्या देशातले लोक गोंयांत येतात. ' कळंगुट ही गोयच्या समुद्रकिनाऱ्याची ' राणी ' तर कोलवा हो ' राजा ' अशें सुंदर वर्णन एका साइत्यकारांन केला.

हावें वयर सांगला ते सगळे जरी खरे आसले तरी आयज आमचे गोय खंय तरी कमी जायत चल्ला, आनी हाजी कारणां म्हळ्यार वाडपी लोकसंख्या. मानवाच्या विकासाखातीर आयिल्ले उद्योगधंदे, नवे तंत्रदान आनी वाहना हांच्या पासून झाल्ले प्रदूषण. आनी ह्यो सगळ्यो गोष्टी आयज अेक खर समस्या जावन पडल्यात.

तुमका सगळ्यांक खबर आसा की आयज लोकसंख्या राहू–केतू सारखी वाढत चल्ल्या. आनी लोकसंख्या वाडली म्हण्टगेर तांका रावपाक घरां, खावपाक जेवणं, नेसपाक कपडे तयांर करचे पडले. आनी हे जर करीना तर तांतुतल्यान गरीबी, बेकारी दळदीरपणा तयार जातात. म्हण्टगेर घरां बांधपाखातीर जागो जाय पडलो. नवे नवे उद्योग धंदे सुरू करचे पडले. आनी हे सगळे करपाखातीर पाचवेचार दोंगर उडोवचे पडले. अशे वेळार निसर्गाक तडे बसतात. मनीसजात आनी जनावरां प्राणवायूचो उपयोग करून कार्बन डाईऑक्साईड भायर सोडतात. तर झाडां आनी वनस्पती कार्बन-डाईऑक्साईड शोषून घेतात आनी प्राणवायू भायर सोडतात. आनी

तुजीच म्हाका याद येता

गोंय म्हजे भांगराचें
ताबडे मातयेन रंगलेलें
गोंय म्हजे सोबितायेचें
पांचव्या सैमान नटलेलें

गोंय म्हजे धाकटुलें
भारत मातेचे माणकुले
फकत दोनच अक्षराचें
खेरीत गिरेस्त दायजाचें

गोंय सवण्या सुकण्याचें
तरेक जीवान भरलेलें
गोंय नितळ शितळकायेचें
दर्या गाजान सादलेलें

अख्खो संवसार तुकाच तोखेता
भोवडेकारांचे भिरे एकठांवता
तुजे सुरूपायेक तोखेता
गोंय तुजीच म्हाका याद येता

– जॉन एम. आल्फोंसो

आमी जर सैमाचेर घाव घालपाक लागले जाल्यार आमीय बीन थंयच खलास जातलीं.

आयज मनश्याच्या विकासाखातीर उद्देगधंदे आनी नवे तंत्रज्ञान सुरू जालां. वाहनांचो धुवोर हांणी हवामान प्रदूषित जाल्ले आसा. आयजपर्यंत खनिज उदयोगान गोंयांतले पर्यावरणाचे संतुलन इबाडून उडयलां. आयज गोंयात फकत १५ टक्के जमनीर खरीखुरी जंगलां आसात ४० टक्क्यापेक्षा चड जमनीर 'वनस्पती आच्छादन (ट्री- कवर) आशिल्ल्या कारणान गोंयांत खंयच रखरखीत, ओसाड भाग आढळून येना, पूण बांधकामाच्या वाडत्या प्रमाणाक लागून पठारावयली आनी ल्हान टेकड्यांच्या उतारावेली झाडी निवळ झाल्या. वनस्पतीच्यो शंभरांच्याकय चड जातो नष्ट जावपाच्या वाटेर आसात. 'सत्तेच्या तणान' गोंयांत उच्छाद माणून दवरला. हें तण धा वर्सांपयली हांगा नाशिल्ले. शारांतल्या वाठारांतल्या प्रदुषणाच्या कारणान न्हयांचेर, समूद्राचेर संकट कोसळ्लां. तातूक प्लॅस्टीकयुक्त कचरो चड प्रमाणात आसा. सुंदर किनारपट्ट्याचेर कोयर साठत चल्ला. तेलतवंग आनी तेलयुक्त अशा काळपट थराखातीर किनाऱ्यावयली रेव प्रदूषित जाल्या. शिनाण्यो, खुबे खावपा लायक उरू ना. नुस्ते विखारी जावपारक लागलां आनी त्याखातीर मनशाच्या जिविताक अेक प्रकारचो धोको निर्माण जाला. तीस वर्सां पयली गोंयांक उदकावे सत्तर झरे आशिल्ले. तांतुतले चाळीस सुकले म्हणा किवा नष्ट जाले म्हणा. परतपरत किनारी बांदो मोडिल्यान चार हजार हेक्टर्स जमीन नापीक जाल्या. हावें जरी म्हळें कि 'वेळो' म्हळ्यार गोयचें प्राण. म्हणून तरी आसताना म्हाका एक गजाल खटकता ती म्हळ्यार आयज या किनारपट्ट्याचेर जाय तशी मौज-मजा करपाक मेळना. कारण किनारपट्टेवेलो चडसो भाग आयज हॉटेलानी आडावन दवरला. आनी थंय येतल्या प्रवाशांक ते थंय येवपाक सुद्धा दिनात. तेन्ना पर्यटकांच्या आनंदाचेर विरजण पडिल्ल्या भाशेन जाता. आनी ही व्हडली हॉटेलांसुद्धा फक्त गिरेस्तांकच. थंय गरीब बाबडो वचपाकच शकना.

आयज बांधकामाखातीर लाखानी टन माती खणून ऐंशी दोंगर आनी टेकड्यो पोखरून काडील्ल्यो आसात. मांडवी आनी झुवारीच्या गाळाचे प्रमाण वाढत आसा. त्याखातिर नैसर्गिक बेट तयार झाल्याचे दिसून येता. कारखान्यातल्यान येवपी घाण उदक, विषारी उदक न्हयंक वचून मेळटा. पूण कोणच ताजेकडेन लक्ष दिनात. गोंयांत आज गटारां इतल्या प्रमाणात वाढत चल्ल्या की सगळ्याक हळशीक वास येता. ती गटारां साफ करची सोडून तशीच दवरिल्ली आसतात. म्हाका दिस्ता नगरपालीका ह्या गोष्टीकडेन चडशे लक्ष दिना आसतली. वाढत्या वाहनसंख्ये खातीर गाड्यांच्या धुवोरात वाढ जावन हें प्रमाण किनारी भागांक, आरोग्यांक हानिकारक, क्लेशदायक जाल्ले आसा. हवेक धुळी कणांचेय बीन प्रमाणा बरेच वाडला. त्याखातीर श्वासनसंस्थांच्या विकारात चौपट वाड जाली आसा. औद्योगिक प्रदुषणाखातीर गोंयचो पावस किंचित आम्लयुक्त जाला. त्याखातीर आर. सी. सी. बांधकामाक वर्सभरात भेगो जाल्ल्यो आसात. झोपडपट्टीच्या कारणान हवामानात सगळ्याक घाण पसरिल्ली आसा. हवामान तूषित जाल्ले आसा जे आमच्या आरोग्याक हानीकारक आसा. अशी घाण जर चड वेगान वाडपाक लागली जाल्यार हांगा रोखडोच रोगाचो फैलाव जातलो.

गोंयांत आतां वेगवेगळे तरेचे कारखाने उबारतात. जुवारी केमिकल्स ह्या साऱ्याच्या कारखान्यांत सोडील्या सांडपाण्यांत दर्यातल्या नुरूयांचो संहार जाल्लो. हे सगल्यांक खबर आसाच. आतातर केरीसारख्या कुळागरसंपन्न वाठारांत 'नायलान ६६ चो कारखानो उबारपाचें घडटा. या कारखान्याक तर गांवच्या आनी पर्यावरण मोगी लोकांचो विरोध जायत आसा.

आयज वृक्षतोडीचे प्रमाण वाढत चल्ला. आमी जर अशेच रूख तोडीत रावलें जाल्यार पर्यावरणावयले परिणाम मनीसजातीक आनी जीवसृष्टीक धोक्याचे जातले. एक तर रूख तोडीचों वेग आनी रूख लावपाचो वेग हातूंत मेळ वसना. चड करून शारांतल्या

लोकांक झाडां लावपाचे म्हत्व पडूना आनी झाडा लावपाची किते गरज अशें तांका दिसता.

अशे वेळार म्हाका इतलेच रांगन दिसता की प्रत्येकान एक तरी झाड लावपाक जाय. एक झाड मारल्यार दुसरे झाड थंय लावपाक जाय. पूण ते फकत लावनच उपेग ना तर ताणी बरी काळजी घेपयाक जाय. आवयचे आनी भूरग्याचे जे नाते आसा तेच नाते मनोस आनी झाडासंबंधान आसा. दर भागात जर थंय जाल्या प्रदुषणाच्या प्रमाणात झांडा लायली तर प्रदूषण बऱ्याचपैकी कमी जावपाक शकता. तशेच झाडाखातीर शारांक वातानुकूलन यंत्राचेर (एअर कंडिशनर्स) जावपी विजेचो उपयोग कमी जातलो. चड झाडा आशिल्या जाग्यार थरचे प्रदूषणाचेर मात जावपाक शकता. जितवया मोठ्या प्रमाणांत आनी सतत झाडा लायली जाल्यार ताचो परिणाम बरो जाता. म्हळ्यार समजा, ९ लाख लोकांनी आयज जितली झाडा लायली ती २० वर्सां अेका विविक्षित प्रमाणात कार्बनडाइऑसाईड शोषून घेतली. पूण दखर्सा एक लाख झाडा लायत गेल्यार ताजो अेकूण परिणाम कितलो तरी चड जातलो. उदयोगधंदयातल्यान जाल्ले प्रदूषण टाळपाखातीर आवश्यक ती उपाययोजना केल्याचे प्रमाण पत्र प्रत्येक कारखान्यायडे आसपाक जाय. प्रदुषणातले विखारी पदार्थ वेगळेय करपाखातीर कोळशाच्या भुकटीचे उपयोग, झिन्सचो वापर उत्प्रेरकांचो वापर हे मात्शे चड आनी गंभिरतेन केल्यार प्रदूषण थोडया फार प्रमाणात नियंत्रणा सकयल येतले. तेवभशेन जैविक तंत्रज्ञान वापरून हानिकारक उत्सर्जित पदार्थाचे विघटन करपी जिवाणू वापरून प्रदूषण पैस करपाक जाय,

हालीच हावें एका पेपरान वाचलां की, आमोणे ह्या गांवांत 'सेझा गोवान' पिंग आयर्न स्टील' प्रकल्प सुरू केला म्हूण. पूण सेझा गोवान ताचो पर्यावरणाचेर कायत्र बायट परिणाम जावपाक दिवना. वयल्यान ताणे खाण उदयोगातली टाकाऊ मातयेक हजारांनी झाडां लायली आनी खनिज उद्देग सुरू करचे पयली जसो पाचवोचार दोंगर आशिल्लो ताज्याकय पाचवोचार दोंगर टाकाऊ मातयेन तयार करून ताणे पर्यावरण संतुलन अबाधित राखपाखातीर हातभार लायला. सेझा गोवाच्या कोडली, सांखळी, पिसुर्ले इतल्याय खाणीचेर आयज नव्यान पाचवेचार दोंगर तयार करपाक आयिल्ले पळोवन सुखद आश्चर्य जाता. ताणें पर्यावरण जतन करपाखातीर काटेकोरपणान उपाययोजना केल्ली आसा. प्रदूषण जांवचे न्हय म्हूण प्रदूषण नियंत्रणाचेर ८ कोटी रुपयें खर्च केल्यात. ३० कोटी रुपयांच्या प्रकल्पाचेर ८ कोटी रुपयांच्या खर्चाचे प्रदूषण नियंत्रण हो पयलोच उपक्रम थरतलो. या प्रकल्पातल्यान भायर येवपी गॅस हवेक सोडून न दिता ताजेर ३००० किलो वॅटचो वीज प्रकल्प सुरू करपाक आयला. तशेच या प्रकल्पातले धाण उदकाचेरय प्रक्रिया करपाखातीर खास प्रकल्प उभारपाक आयला. उदक निव्वळ करून मागीरच तें, हेरकडे सोडून दितले.

अशें जर सगळ्यांनी केले तर गोंयच्या पर्यावरणाक कसलीच बाधा येवपाची ना. गोंयचे पर्यावरण जर सुरक्षित दवरपाक जाय, पर्यटकांचे लक्ष जर गोंयच्या सैमान प्रफूल्लीत जावपाक जाय, गोंयच्या पर्यावरणाचे जर स्थान तिगोवन दवरपाक जाय जाल्यार आमी सैमाचे रक्षण करपाक जाय. गोंयचो सैम चड वाडोवपाक जाय. वृक्षरोपणाचो कार्यक्रम दरवर्सा बऱ्या काळजीन आनी फायदेशीर रितीन मोठ्या प्रमाणाक घेवपाक जाय. तरच आमी प्रदूषणाचेर जैत जोडटले आनी गोंयचें पर्यावरण खुलतलें.

—※—

म्हासागरांत

अशीं
येतलीं कितलीं मोडां
जिणेच्या म्हासागरांत.
जिवाच्या आकांतान
प्राण येतलो गळ्याकडें
तेन्ना कळटली गाळिल्ल्या दुकांची खारसाण;
मिठापरस खार...
दोळ्यांच्या सकल काळीं
रात–रात झुरत सुजिल्लीं दुखां...
तुटिल्ल्या–पिंजिल्ल्या सपनांचो
कोयर जावन हुबतलो मळबांत;
आनी जिणेंत एकासारकी घोंगेतली
अडल्ल्या पावलांची खंत;
निर्शेवणेची सांज;
काळांतली गूढ उदासी... आनी मनांत
पर्थून एकदां येतली उमाळून मर्णाची याद.
तरी रावतली जियेत
विटून धवी जाल्ली कूड
अदिश्ट सुखाच्या रंगांक वथरेत...
– मोडां नेटान येतलीं
आनी घालतलीं खळोंवन म्हासगराची न्हिद...
मागीर, ल्हारांच्या विखाळ घुरयांनी
थतर–वितर जाल्लें;
दर्यांत चुकून सापडिल्लें तारूं कशें
एकसुरें सुख
दिसतलें हय–न्हयशें थकिल्ल्या दोळ्यांक;
लवंडतनां–
केन्ना हेवटेन, केन्ना तेवटेन...

– परेश नरेंद्र कामत

GOVERNMENT OF GOA

- A land of sun, fun and music.
- An area declared industrially backward
- A growth centre with a package of incentive for Industrial growth such as.
- Built up sheds Industrial estates and developed plots with all facilities.
- Exemption from Income Tax.
- 15% Price preference on Government purchases.
- Exemption from Sales Tax for 15 years.
- Import assitance for raw materials and capital goods.
- Financial Assistance from State Owned Corporation.
- Subsidy on the cost of feasibility reports
- Priorities for 100% export oriented units.
- And various other incentives and facilities.
- Adequate infrastructure.
- Attractive Incentives for Non-Resident Indians.

Issued by -

Directorate of Industries & Mines

Udyog-Bhavan,
PANAJI-GOA.

(DI/OD/DIM/P Advt/92/12)

शणै गोंयबाबाचो कोंकणी भाशेविशीं संशोधनात्मक वावर

– सुनिता गांवस
केपें

आयज कोंकणी साहित्याचे सेवेंत आपले परीन थोडे भोव साहित्य रुजू करपी जायते नवे-पोन्ने पिळगेतले बरोवपी आसात. पूण कांय वर्सां पयलीं लोक कोंकणी दिसपट्टे उलयताले पूण बरय नाशिल्लें. कोंकणी भासूच न्हय तर ती बोली अशें ते समजताले. लोकांचो हो समज पयसावन तांका कोंकणी बरोवपाक वाचपाक स्फूर्त दिवपी आनी दर अेका गोंयकाराचो स्वाभीमान जागोवपी म्हापुरुष जावन गेलो तो म्हळ्यार शणै गोंयबाब.

शणै गोंयबाबाचे पुराय नांव वामन रघुनाथ शणै वर्दे वालावलीकार. तांचो जल्म २३ जून १८७७ वर्सां दिवचले म्हालांत जालो. घरची परिस्थिती गरीब आशिल्या कारणान तांगेंले शिकप मॅट्रिक मेरेनच जालें. पूण शिक्षणाची ओड आशिल्यान संस्कृत आनी इंग्लिशिचो अभ्यास ताणे कोणाच्या आदराबगर स्वताच घरा केलो.

उपरांत शणै गोंयबाबान ल्हान मोठ्यो नोकऱ्यो केल्यो. अेके जर्मन कंपनीत ते बरेच ऊंच पांवड्याचे सुवातीर पाविल्लें. पूण फिरग्यांक ते आपलो स्वाभीमान विकपाक तयार नाशिल्लें. तांका सलाम मारप त्याच्या स्वतंत्र मनाक पटनाशिल्लें. आनी ह्याच तत्वांक लागून ताणे हे नोकरेचो राजीनामो दिलो. आनी 'कोंकणी सरस्वतीची सेवा करपाचे थारायलें.'

लोकांक कोंकणीचे म्हत्व कळचें ह्या खातीर 'कोंकणी भाशेचे जैत' ताणी बरयलें. कोंकणी भाशेची उदरगत जावपाक जाय अशें तांका दिसताले, त्याखातीर ती शास्त्रशुद्ध आसपाक जाय. तो शास्त्र शुध्द जावपाखातीर तांणी कोंकणी साहित्याक फुलवपाचे नदरेन 'कोंकणी व्याकरण' आनी भास हांचेर पुस्तकां बरयलीं. तेच भाशेन तांणी विगड विगड प्रकारचे कोंकणी साहित्य बरोवन कोंकणीची तांक उक्तायली. 'मोगाचें लग्न' पोवनाचें तपले,' 'झिलबा राणो' ही नाटकां तांणी रुपांतरींत केल्ली. 'गोंयकारांची गोंया भायली वसणूक,' 'कोंकणी भाशेचें जैत,' 'कोंकणीचो व्याकरणी बांदावळ,' 'गोंमतेपनिषत (पयले खंड आनी दुसरे खंड) अशी तांची कांय नांवाजती पुस्तकां आसात. ह्या खेरीज तांणी 'पुण्यात्मो राम कामती,' 'आबे फारीय' ही चरित्रांय बरयल्यांत.

'गोंमतोपनिषत्' (पयलें खंड) हांतून ताणी 'वास शणैली पोपाय,' 'बाबुमामालो पणस,' 'मितुबाबाल्लो तांब्या पटो,' म्हजी बा खांय गेली ? आनी खर्णवीर अशो पाच काणयो अुजवाडाक हाडल्यात. पूण काणयो म्हळ्यों तरी, ह्यो काणयो हेर काणयांपरस खूप वेगळ्योच जावन आसात. हांतूत तांणी आपल्या खासा वेव्हांरातले आनी भोंवतणच्या संवसारातले बरे वायट अणभवाचो बरेतरेन अभ्यास करून ताणी त्यो काणयो वाचप्यां मुखार दवल्यात. 'गोंमन्तोपनिषत्' (दुसरें खंड) णव म्हयन्यांभितर अुजवाडाक आयले. हांतूत तांणी पयल्या खंडातलेभाशेन वेगळ्यो वेगळ्यो काणयो बरोवक ना. जाल्यार ताणी ह्या पुस्तकांत संवसारबुट्टेची सगळी खबर सोपे भाशेंन मांडल्या.

'कोंकणी भाशेचें जैत' हांतूत ताणी कोंकणी संबदान गोंयच्या 'हिंदू' आनी 'भारत' ह्या सातोळ्यांनी आनी मुंबयच्या 'नवयुग' आनी 'विविनेज्ञानविस्तार' ह्या म्हैनाळ्यानी बरयल्ली. बरपावळ एकठांय करून ह्या पुस्तकांतल्यान अुजवाडावपाचो यत्न केला. 'भुरग्यालो इष्ट' हातूंत तांणी भुरग्यांखातीर ल्हान ल्हान पाठ बरयल्यात. कोंकणी पयलें पुस्तक' ह्या पुस्तकाचो अुपेग पैल्यावेल्या भुरग्याक कोंकणी शिकोवपाक केल्लो. ह्या पुस्तकांत ताणी मुळाव्या अक्षरांची वळख करून दिल्या, अेक काणी आनी दोन गींताय ताणी ह्या पुस्तकांतल्यान वाचप्यामुखार दवल्यात. 'पुण्यात्मो रामा कामती' हातूंत तांणी अेका दुखेस्त अितिहासीक जींणेची जाणवीक करून दिल्या.

कोंकणी नादशास्त्र ह्या ल्हानश्या पुस्तकांत तांणी कोंकणी अुलयतना अुतरांचो जो नाद जाता ताचे नेम सोदून काडून तांचो अुल्लेख केला. 'आबे फारीया' हातूंत तांणी अेका गोंयच्या व्हड पुताची आपजीण वर्णिल्या. 'भुरग्यांले व्याकरण' हातूंत ताणी कोंकणीच्या व्याकरणाची पुराय वळख करून दिल्या' ह्या तांच्या वावराक लागून आयच्या भुरग्यांक कोंकणी शिकपाक सोपे पडलें. ही जाली शणै गोंयबाबाच्या कोंकणी बरपावळीची वळख.

मराठीपासून कोंकणी वेगळी, मराठी परस कोंकणी चड पुर्विल्ली आनी हाका लागून संस्कृत भाशेकडेन तिचें चड

लागाशिल्लें नातें आसा. अुच्चारांत आनी व्याकरणात मराठीपरस कोंकणी वेगळी. कोंकणींतले उतर 'हांव' हें संवसारांतलें पयले उतर 'अहम' ह्या संस्कृत उतराक चड लागी आसा, हे ताणी समाजाक पटोवन दिलें. कोंकणीत पत्रा बरोवंक जांव वाचपाक लजतल्याची ताणी मगल माल्ल्या. कोंकणी संबंदान ते म्हणटात कि कोंकणी भास मरूंक ना, कोंकणी भास विसरची न्हय ? आमी कोंकणीचो दिसानदीस जयजयकार जावंक दिवंक जाय. कितलेंय हाल– उपेश्टा भोगच्यो पडल्यो तरी आमी तिका सदांच वयर काडपाचो यत्न करपाक जाय हो धडो ताणी गोंयकाराक घालून दिलो.

कोंकणींत मोने अ, अी आनी अूं न सोंपिल्या नपुसकलिंगी नामाचे भौवचन 'आ' स्वरान सोंपता हे ताणी समाजाक पटोवन दिलां. कोंकणींत अुतराचो अुच्चार आनी अर्थ लेगीत बदलू येता. पूण अशें मात मराठींत चलना. कोंकणी न्हयकाराची तरी मराठींतले परस जायती वेगळो. कोंकणीत आनी मराठींत खूब वेगळेंचार आसा हे तांणी आपल्या कोंकणीची 'व्याकरणीं बांदावळ' ह्या पुस्तकांतल्यान लोकां मुखार दवरपाचो यत्न केला.

कोंकणी भास दुबळी न्हय, तर गिरेस्त म्हणपाची गवाय वेगळ्या वेगळ्या मळांचेर कोंकणी पुस्तकां बरोवन तांणी संवसाराक दिली. आविल्ल्या कोंकणी साहित्याची बुन्याद तांणी घाली. तांची भास म्होवाळ, गिरेंस्त, तांचे बरोवपातले खाशेलेपण म्हळ्यार, तांचे भाशेचे सहजपण. तांची शब्द संपत आनी ओंपारी ते बरयतात ते खासा विचार वाचप्यांक पटोवन दिवंक तें तो सोपो करून मांडटात. संवाद काणयो हांच्या आदारान प्रसंग आनी विचार ते आमच्या मेरेन पावयतात. तांगेली 'म्हजी बा खंय गेली' ही कथा वाचप्याच्या मनाचो थाव घेता.

कोंकणी संबंदान ते म्हणटात गोंयकाराक संवसारात वैर माथें काडचें आसल्यार तांणीं परक्या भासांक आपलें बुद्धिची स्वतंत्रताय विकून खांकनवाळ बंदे जांवचे सोडून आपणाले आवय भाशेचो म्हणजे कोंकणीचोच थातो माथो करचो. ते भाशेंत बरोक तांका स्फूर्त जातली. ते घरगुतायेन आनी मेकळेपणान बरयतले नामना जोडटले आनी जल्मभुंयेचो लौकीक गाजयतले अशें ताणी समाजातल्या लोकांक पटोवन दिलें.

ते कोंकणी भाशेचे चड मोगी आशिल्या कारणान जायत्या गोंयकारानी तांका नांवां दवरील्ली. ते कोंकणींत बरयतात, कोंकणी वाचतात आनी अितलेंच न्हय तर हेर गोंयकाराक कोंकणी अुलोवक बरोवक सांगतात म्हण जायत्या लोकांनी तांकां पिशांत लेगीत काडले. पुण शणै गोंयबाब कोणाकूच भियेले ना, परते ते पयली परस कोंकणीचेर चड मोग करपाक लागले. गोंयात चडशें लोक मराठी भासेचे मोगी आशिल्यान तांच्या देसभावांनी तांका जायतो विरोध केलो. तांका कोणेच पालव दिलो ना. पूण असल्यो फालतू गजाली ताणी कानार घेतल्यो नात जाल्यार तांणी लोकांक सांगले की 'मराठी' ही आमची आवै मास न्हय, कोंकणी हीच आमची खासा आवै, आनी ह्या खातीर आमी हे मराठीचो त्याग करूंक जाय. आवयचेर मोग करप म्हळ्यारूच कोंकणीचेर मोग करप अशें जण एकल्या गोंयकारान मतीत धरून जियेवपाचो यत्न करूंक जाय. आनी आपलो यत्न बरे तरेन तडींक पावतलो असो यत्न करपाक जाय. अशे जायत जाल्यारुच कोंकणींची अुदरगत जातली हें तांणी कोंकणी समाजाक पटोवन दिलें.

शणै गोंयबाबन अितिहासाचो सोद घेवन लिखण केले. त्या लिखणांत तांणी पाना पानार आपल्या मत्ताक बळगें दिवपी उतारे दिले. कोंकणींची सभावीक लिपी देवनागरी लिपीं पयसावंक जायना. जाल्यार परते हेर लिपयेंतले साहित्य देवनागरी लिपींत हाडून कोंकणीची उदरगत करपाक जाय.

मनापासून तांणी कोंकणीचेंर मोग केलो. तांणी कोंकणीक मान–सन्मान दिवपाखातीर कोंकणी भास जागोवपाखातीर ताणें फाटलो सगळो इतिहास धवळ्ळो आनी तांतलीं अेकापरस अेक मोलादीक आनी अनमोल अशी रत्ना सोदून काडून तांणी कोंकणी भाशेचे जैत लोकांमुखार ओंपले. ताणी कोंकणी भास समाजांतल्या चारूय दिकांनी पातळावपाखातीर आपली सगळी जीण झरयलीं. तांणी कोंकणी भाशेची क्रांती घडोवन हाडपाखातीर लोकांकडल्यान खूप हाल–अपेश्टा आनी उणीदुणी सोंसली आनी शिक्षणाच्या मळार कोंकणी भाशेचें जैत मेळयलें.

गोंयकार कोंकणी भाशेपरस हेर भासांकडेन चड लक्ष दितात. हे पळोवन तांचे मन सामके अस्वस्त जातालें. ह्यो भासो आमगेल्यो आवयमासो न्हयत. देखून आमी आमगेलेच आवयचे मांडयेर बसूंक जाय आनी माथे वयर उबारून सगळ्या संवसारात वावरूंक, कोंकणी भाशेची उदरगत करपाचे तांणी थारायल्लें. आनी ते अशें म्हणून ओगी रावले ना. जाल्यार कोंकणी भाशेक कितलें व्हड स्थान मेळलां हें दाखोवन दिवपाखातीर तरेकतरा विशयांवेलेंच न्हय तर विंगड–विंगड मांडीचें साहित्य बरोवपाक सुरवात केली. तांणी बरयल्लीं कोंकणींतली २१ पुस्तकां अुजवाडा आयल्यात त्या भायर ताणी शेक्स पीयरच्या ११ नाटकांचो कोंकणींत अणकार केलो.

त्याच्या साहित्यांत कोंकणी भाशेचो, कोंकणी मायेचो आनी कोंकणी मनशाचो मोग व्हाविल्लो दिश्टी पडटा. तांच्या कोंकणीच्या वावराखातीर तांका कोणें म्हापुरुष म्हळां, कोणें सत्पुरुस म्हळां, कोणें साहित्याचो कुळपुरुष म्हळां, तर कोणें तांका वीरपुरुष म्हळां.

देवाचें आपोवणे येयमेरेन तांणी आपली जीण फक्त कोंकणीची अुदरगत करपाखातीर झरयली. अशे हो वीर पुरुष ९ अेप्रिल १९४६ दिसा हो जैतवंत आत्मो सासणाचो हो संवसार सोडून गेलो. पूण तांचो कीर्त मात अुल्लीं. ह्या तांच्या वावराखातीर गोंयकार म्हणटात की तांचो आत्मो मरूंक ना जाल्यार ता ह्या संवसारात अेका उगवत्या 'सुर्यावरी' चकवकत आसा.

'देवा धनया पाव आमचें बरें जावं !
गोंयकार कोंकणी मोगी जावं !'

हेच शणै गोंयबाबाचे देवाकडेन निमाणे मेरेन मागणें आसलें.

–✻–

गोंयचे बेकारेचो प्रस्न आनी उपाय.

– मीना प्र. सातोस्कार
– माशेल

गोंय हो महाराष्ट्र आनी कर्नाटक हांचे कुशीन वशिल्लो एक सुपुल्लो प्रदेश. गोंय ४५० वर्सां पयलीं पुर्तुगेजांच्याच्या हातान आशिल्लें. त्या वेळार गोंयची लोकसंख्या कमी आशिल्ली. पूर्तुगेजांकडेन आशिल्ल्यान सोंयची म्हणपासारखी कांयच अुदरगत जावनाशिल्ली. पूण १९६१ सालात गोंय स्वतंत्र जालें आनी हांगा अुदरगतीचें वारें व्हावंक लागलें.

पयलीं गोंयात फकत गिरेस्त लोकूच शिक्षण घेतालें. शाळा आशिल्ल्यो पूण फुडलें शिक्षण दिवपी महाविद्यालयां नाशिल्लीं. मॅट्रीकूच पयली गोंयाभायर वचून परिक्षा दिवन पास जावची पडटाली. चडशें शिक्षण पुर्तुगेजीन आसतालें. स्वातंत्र्य मेळ्ळ्या उपरान्त दर गांवांत शाळा सुरू जाली. प्रत्येक भुरग्याक प्रयमिक शिक्षण फुकट मेळपाक लागलें. कॉलेजां प्रत्येक शहरांत स्थापन जालीं. आतां तर आमकां आमचें गोंय विद्यापीठ मेळ्ळां. गोंय विद्यापीठ दर वर्सा हजारनी विद्यार्थांक वेगवेगळ्या विशयानीं पदव्यो दितात. दर वर्सा हजारानी तरणाटे पदवीधर जातात आनी बेकार लोकांच्या आंकड्यांत भर घालतात. हें अशें जावंक लागलां किदयाक ? हाचेर विचार करपासारखो आसा.

पयली गजाल म्हळ्यार गोंय पुर्तुगेजाकडेन आशिल्लें तेन्ना गोंयाभायरसून लोकांक येवंक मेळनासलें. त्याशिवाय तेन्ना गोंयची लोकसंख्या आज आसा त्या प्रमाण नाशिल्ली. पयलीं आतां तरेतरेच्या रोगांचेर मेळटा तशी बखदां– विरसदां नाशिल्लीं; देखून कसल्याय रोगाची साथ आयल्यार लोक मरताले, आनी लोकसंख्या कमी जाताली. पुण आतां तरेतरेची वखदां मेळ्ळील्यान, आनी रोगांचेर प्रतीबंधक उपाय आशिल्ल्यान मनीस् वाचू शकता. हाकालागून मनशाचेर आयुष्य वाडलां. पयली बालमृत्यु खूप जाताले पूण आता ल्हान आसतना लस टोचतात; देखून भूरगीं मरनात. ह्या कारणांक लागून लोक संख्या भरपूर वाडल्या. गोंय स्वतंत्र जातकूच भायल्या राज्यांतल्यान लोक गोयांत येवपाक लागले. शिक्षण जण एक मनशाच्या दारांत पाविल्ल्यान प्रत्येक मनीस शिक्षण घेंवंक लागलो. आतांतर गांवांत सुद्धां महाविद्यालयां जावपाक लागली. लोक खूप आनी कामां थोडीं अशें आज जालां आनी ह्याच कारणाक लागून आज बेकारीचो प्रस्न आमच्या मुखार उप्रासला.

लोकसंख्या वाढली. हाका लागून सगळ्याच लोकांक कामा मेळपाक कठीण जालें. दुसरी गजाल म्हळ्यार गोंयाभायले लोक हांगा येवन कामां करपाक लागले. देखून गोंयकारांक गोंयांत नोकऱ्यो ना जाल्यो. गोंयकार बेकार उरलें.

तिसरी म्हत्वाची गोश्ट म्हळ्यार जण एकलो आपल्या कुटुंबाचो वेवसाय करतालो, म्हणजे आजो करतालो तोच वेवसाय ताजो नातू करतालो. उदाहरण दिवचें जालें जाल्यार मेस्ताचो भुरगो मेस्तपणाच करतालो, शेतकऱ्याचो चलो शेतानूच काम करतालो. पूण आतां शिक्षण घेतिल्ल्यान तांच्या नव्या पिळगेक मूळ वेवसाय सांबाळपाक लज दिसता. ते नोकरी सोदतात. हाका लागून जे लोक बेकार उरचे नाशिल्ले ते बेकार उरतात आनी बेकार लोकांचो आंकडो आनीक वाडयतात.

गोंयांत व्हडल्या व्हडल्या आस्थापनांत मोठ्या मोठ्या हुद्दयांचेर गोंयांभायले लोक आसात. ते आपल्या गांवच्या लोकांकूच चडशेकरून नोकऱ्यो दितात. अशे जाल्याकारणान आमचे गोंयचे लोक बेकार उरतात. आनीक एक म्हत्वाचो मुद्दो म्हळ्यार गोंयकारांक ल्हान-सान कामां करपाक लज दिसता. उदाहरण म्हळ्यार प्लम्बर, फीटर जावपाक गोंयकारांक लज दिसता. गोंयांत व्हड व्हड इमारती अुभ्यो रावतात. पूण ह्यो बांदपाक कामगार आसात ते सगळे गोंयांभायले. गोंयकार गंवडे तर आज दिसच नात. ह्या क्षेत्रान फक्त गोंयाभायले लोक आसात. म्हणजे तांका गोंयां येवन कामां मेळटात पूण गोंयकार बेकार उरतात. हीं जालीं बेकारी अुद्भवपाची कारणां. आतां हाजेर उपाय पळोवया.

पयली आनी सगळ्यान महत्त्वाची गजाल म्हळ्यार लोकसंख्या कमी करप. गांवागांवान वचून समाजीक कार्यकर्त्यांनी जनजागृती

करूंक जाय. लोकांक ल्हान कुटुंबाचे फायदे दाखोवन दिवंक जाय हालीसरा सरकार लोकांक सगळ्यो सुविधा अुपलब्ध करून दिता शिक्षण फुकट, लसं तोपप फुकट. आता सरकारान अशें करुंक जाय, प्रत्येक जोडप्याक एक नाजाल्यार दोनूच भुरगीं जावपाची. चड भुरगीं जालीं जाल्यार फकत दोन भुरग्यांकूच कितें फुकट सुविधा दितात त्यो दिवपाच्यो अुरील्ल्या भुरग्यांक आवय बापायन स्वतः खर्च करून शिकवपाची. अशें केल्यार लोकसंख्या कमी करपाक खूप हातभार लागतलो. आनी संख्या कमी जाली की बेकारीची प्रश्न व्हडलसो त्रास करचो ना.

दुसरी गोष्ट म्हळ्यार भुरग्यांक शिक्षण दितनाच अशातरेचें दिवपाक जाय की ते आपलो उदरनिर्वाह त्या शिक्षणाच्या आधारान करपाक शकतात. कारण म्हणजे सगळ्यांकूच आतां सरकारी नोकऱ्यो मेळप शक्य सा. उदाहरण दिवपाचें जाल्यार तंत्र विद्या संपादन केल्ले तरुण खंय नोकरी मेळना जाल्यार आपलो स्वतंत्र वेवसाय सुरु करपाक शकतात. आज हजारानी भुरगे बी. ए, बी. एससी जातात आनी मागीर बेकार बसतात अशें जावंक अुपकारना सगळ्याच भुरग्यांक ह्या क्षेत्रात प्रवेश दिवंक जायना. हाका खरेच लायक भुरगे आसात तांकाच प्रवेश दिवंक जाय. हो पदवी अभ्यासक्रम खूप कठीण आसूंक जाय जाका लागून विद्यार्थ्यांचें लक्ष पुरायेन फकत अभ्यासाकडेन उरता आनी जेन्ना तो विद्यार्थी पदवीधर जाता तेन्ना ताका त्या विशयाचें संपूर्ण ज्ञान आसता. अशे जाल्या-कारणान आनी ह्या क्षेत्रान अवघेच तरुण आशिल्या कारणान तांका रोखडीच नोकरी मेळू शकतली.

गोंयच्या तरुणांक फकत सरकारी नोकऱ्यो जाय. ते धंदो करमाक भियेतात. अशें जावंक फावना. तरुणांक तांचो स्वताचो धंदो करपाक प्रोत्साहन दिवंक जाय. हाका लागून तांका पैसो मेळटलो आनी नोकरी सोदपी लोकांची रांग मातशी ल्हान जातली.

पयलीं सांगिल्ल्याप्रमाण आपल्या आज्यान-पणज्यान केल्लो वेवसाय फुडें चलोवपाक आयचे तरुण पिळगेक कमीपणा दिसता. ह्या तरुणांक समजावंक जाय, तांच्या मनाक पटोवन दिवंक जाय की कसलोच वेवसाय करपाक लज ना, कमीपण ना. उलट जर, शिक्षण घेवन तोच वेवसाय केलो जाल्यार त्या शिक्षणाचो उपेग जावन ताज्या वेवसायान आनीक फायदो जावंक शकता.

गोंय सरकारान असो कायदो करपाक जाय की खंयच्याय नोकरेक पयलीं गोंयकाराक जागो दिवंक जाय. जर त्या नोकरीक फावो आशिल्ले शिक्षण त्या गोंयकाराकडेन ना जाल्यार मागीर गोंयाभायल्या मनशाक ती नोकरी दिवपाची. शिवाय साध्यो साध्यो नोकऱ्यो सुध्दां गोंयांभायल्या लोकांक दिवपाक जायना.

त्या शिवाय सरकारान अश्या तरेचे उद्देग स्थापन करपाचे प्रयत्न करूंक जाय जे करून चडांत चड लोकांक काम मेळूं शकता.

अशा तरेचे उपाय घेतले जाल्यारूच गोंयचे बेकारीचेर योग्य वेळारूच आळो घालपाक मेळटलो ना जाल्या फुडें येता त्या वर्सांनी खूप त्रास सोसचो पडटले.

-※-

मास्तरानो तुमी चुकले

तुमी आमकां इतिहास शिकयलो
भुगोल शिकयलो, समाजशास्त्र शिकयलें,
भुमिती शिकयली.
तुमी आमका वशिलो लावक शिकयले
जाल्यार बेकार भोवचे पडचे नाशिल्ले
तुमी आमकां वजन काडपाक शिकयले
वजन दवरपाक शिकयिल्ले जाल्यार
सरकारी कामाखातीर
फावटी घालच्यो नाशिल्यो पडच्यो
लोकांक ना नाडून बोल्सा भरूक शिकयिल्ले
जाल्यार आज बंगले बांदून
मोटारीनी भोवतले आसले
फटीची आश्वासना दिवक शिकयिल्ले
जाल्यार आज पंच मागीर सरपंच
आमदार खासदार अशे करत करत
मंत्री लेगीत जातले आशिल्ले
पुण हे गिन्यान आमकां तुमी दिलेच ना
ज्या शिक्षणाची आज खरी गरज आसा
ते आमकां मेयळेच ना
मास्तरानो तुमी चुकले
तुमी सामके चुकले

—मांगिरिश शां. काकोडकार

'गोंयचें पर्यावरण'

– कु. स्मिता हेदे
मडगांव

पर्यावरण– अविल्या काळांत भोवच म्हत्व लाबिल्लें एक उतर ! हो एक ल्हानसो शब्द पूण व्हड सार आसपाविल्लो. मनशाच्या भोंवतणीं आशिल्ल्या आनी ताज्या जिविताचेर प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्षरित्या परिणाम करतल्या साबार घटकांक एकवटावन 'पर्यावरण' म्हणूं येता. झाडांपेडां, जनावरां, वारो, उदक, खनिजां हांच्यावांगडा मनीस एका व्हड अशा जिविताच्या चक्रान आसपावला. ह्याचखातीर जरीं ह्या घटकांतल्या एकालेगीत घटकाक अपाय जायत तर मनीसकुळयेच्या अस्तित्वाक तो धोको पेलप शक्य जावचेंना.

पर्यावरणाचो सगळ्यांत चड संबंद आसा तो मनीसजातीकडेन देखून ताजो खोल अभ्यास आज जायते वैज्ञानीक करतात. तांच्या यत्नांकलागून उपेगी अशी म्हायती उजवाडाक येवंक लागल्या. पर्यावरणाविशींचें लोकांचें अज्ञान पयस जायत चल्लां. देखूनच जायत्या उद्योगधंद्यांक, खाणकामांक लोकांचो विरोध आसचो पडटा. वेळार कांय जायना पर्यावरणाचें धर्तरेवेलें खरें म्हत्व आमकां समजल्ल्यान ताच्या रक्षणाची चळवळ आमीं यशश्वी करूंक हातभार लावंक जाय. आमचें गोंय हें तर दक्षिणेंतलें नंदनवन मानतात. हांगाचीं भरपुर झाडांपेडां, सोबीत दर्यावेळो, तरेकवार रानटी जनावरां, व्हड खाणी पळेल्यारं ते देवान दिल्लें एक पागणच म्हणचें पडटा. आपच्या ह्या सोबीत गोयच्या सैमीक गिरेस्तकायेक ल्हवू ल्हवू गिरण लागत चल्लां. गोंयचें पर्यावरण दूषीत करपाचीं कारणां जरीं तरेकवार आसलीं तरीं वाडटच्या लोकसंख्येबरोबर सैमीक संपत्तीचो जातलो गैरवापर हें मुखेल जावन आसा. आजच्या आधुनिक संवसारात मनशांच्यो गरजो आधुनिक रूप धारण करूंक लागल्यात. नव्या वस्तूंची मागणी वाडत आसा. मनीस चैनी, आलायत्या मेळपी सुखसोयींच्या विळख्यांत वचत आसा जलद आनी सुशेगाद जातल्या प्रवासाखातीर विमानां, मोटारी, चैनीच्या वस्तूंची निर्मीती करपी कारखाने, सैमीक संपत्ती काडपाखातीर जातलें खणकाम ह्या साबार कारणानी उदक, वारो आनी जमीन हांचें खूब व्हड प्रमाणान प्रदूषण जाता. आमच्या गोंयचे सोबीत दर्या आज पयलींवरीं नितळ उरूंक नात. भारतभूयेंत पवित्रकायेचें प्रतीक समजतल्या गंगेक जशी भोवच प्रदुषित न्हय म्हणून वळखतात तशीच गत फाटींफुडें तांचीय जायत म्हणपाचो भंय आज वाडत आसा. ज्या ज्या राज्यानी आज उद्योगीक विकास जाला थंय थंय हवेचें व्हडा प्रमाणान जाल्लें प्रदूषण नजरेक पडटा.

आमच्याय गोंयात आज उद्योगीक विकासाविशींचो कल वाडत आसा. ताका लागून जाल्ल्या प्रदूषणाचो परिणाम झाडांपेडांचेर थोडेभोव प्रमाणान दिसूंक सुरवात जाल्या. अशेय आढळून आयलां साबार शारांतल्या वाडटच्या लोकसंख्येचीं वाहनां तर प्रदूषणाचें एक व्हड मुळ जाल्यांत. तांच्यावरवी निर्माण जावपी सी ओफ, सी ओझान हे वायु नष्ट करता ताका लागून धर्तरेर येवपी सुर्याचो उजवाड आतां धर्तरेवेल्या जिविताक मारक थारूं येता अशे सिद्ध जावंक लागलां आतड्यांच्या कॅन्सराच्या आजकाल जाल्ल्या वाडीचें कारण म्हळ्यार इबाडिल्लें वातावरण अशेंय वैज्ञानिकांच्या सोदांत गावलां. हें प्रदूषण आतां फकत धर्तरेवलें उदक, वारो हाज्यापुरतें मर्यादीत ना तर धर्तरेच्या पोटातलो उदकाचो सांठोय आतां भोवच प्रमाणान प्रदुषित जायत आसा अशीय मिरांत उक्तावपांत येता. आमच्या गोंयांत हवेचें प्रदुषण वाडत आसा आनी तांतून मर म्हणून उदकाच्या प्रदूषणान तोंड घालां. कांय व्हडल्या कारखान्यानीं, गोंयच्या जुवारीच्या दर्यान आपल्या कारखान्यांतली उरिल्ली घाण सोडिल्ल्यान उदकाचेर तशेच दर्यातल्या जिविताचेर जाल्ल्या वायट परिणामाखातीर मोटो बोवाळ फाटीं जाल्लो. तरीलेगीत अजूनपर्यंत दर्यात थोडेभोव प्रमाणान अशीं घाण सोडपांत येताच. जर हाचे प्रमाण आनीक वाडलें तर गोंयच्या पर्यावरणाचेर ताजो जावपी वायट परिणाम आळाबंदा हाडप अशक्यच जातलें. ह्या प्रदुषणान सुपीक जमनीची उत्पादन क्षमता उणी जाल्ल्याचेंय लक्षांत येता. सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळ्यार धर्तरेवेळे साबार पक्षी, जनावरां, झाडांपेडां हीं वेगान नश्ट जायत आसात. गोंयां येतकच पयलीं नजर ओडून घेता ते हांगचें सैम. पूण ह्या सैमाक आज गिराण लागत आसा. दिसानदीस हांगचीं झाडांपेडां नश्ट जायत आसात. आयच्या काळात मनीस इतलो स्वार्थी जाला की ह्या मोन्या

झाडांपेडांचें आमचेकडेन लागशिल्लें नातें आसा, तांचेर आमचें जिवीत आदारून आसा, तांकांय मनशावरीं जिवीत आसा हें ताज्या स्वार्थी नजरेफुडें दिसना जालां. दया माया नाशिल्ल्या घट्ट काळजान तो अशा झाडापेडांक कापत सुटला. पांवव्या रंगाचें सैमाचें कवीत मनशाक माणुसकेची गीत शिकयता पूण मनीस ताजेकडेन आडनदर करता. सैमाचे शीतळ कुशींत रावन तरेकवार गिन्यान गांठीक बांदचे बदला ताकाच नष्ट करूंक उठला. ह्या रानजिविताच्या सोंपतल्या जिविताक लागून जायते पक्षी, जनावरां उक्ताडार पडल्यांत. मॉरिशसांतलो डोडो हो पक्षी जसो अश्याच कारणांक लागून सदांखातीर सोंपला तशीच गत आज गोंयातय थोडेभोव प्रमाणान जावंक लागल्या. ज्या पर्यावरणाच्या बदलाखातीर डायनॉसर सारके अवाढव्य प्राणी धर्तरेवेल्यान अकस्मात नष्ट जाल्यात तशी पाळी मनशाचेर येवंक नज तर आतांसावन तांचें आनी पर्यायान पर्यावरणाचो आमी जीव ओतून सांबाळ करूंक जाय.

गोंयच्या पर्यावरणाक बोट लावपी अशे कांय कारखान्यानीं गोंयान गोंदळ माजयला. तातून केरी गांवान उबारूंक सोदतल्या नॉयलॉन ६६ ह्या प्रकल्पान तर चडच ! ह्या प्रकल्पाची केरी गांवच्याच न्हय तर साबार गोंयच्या पर्यावरणाक जावपी बादा पर्यलिच लोकांच्या लक्षान आयिल्ल्यान तांणीं ताका खर विरोध केलो. तरी पूण राजकी मळावेल्या घडामोडींक लागून तो परत उबारपाचोय प्रयत्न जालो. पूण केरीचे लोक एकवटान ताज्या आड आयिल्ल्यान तो प्रयत्न सध्या तरीं अदर्चार उल्ला. गोंयच्या पर्यावरणाक दुसरो धोको उप्रासला तो कोंकण रेल्वे सुरू करपाच्या उद्देशाक लागून. ही रेल्वे ज्या मार्गान धांवपाची आसा थंयचीं साबार जंगलां नष्ट करपांत आयल्यांत. हाजो पर्यावरणाचेर वायट परिणाम जावपाची शक्यता नाकारूंक येना. एकेवटेन उदरगत दुसरेवटेन पर्यावरणाचेर जातलो वायट परिणाम हाज्यामदीं आजच मनीस घुस्पला. ह्या दोन गजालींचो मेळ घडोवन हाडपाची व्हडजापसालदारकी आज पर्यावरण तज्ञांचेर पडल्या. ज्या पर्यावरणाच म्हाळवजार गोंय साबार विदेशी पर्यटकांक ओड लायता, तांचेकडसू मेळपी विदेशी चलन देसाच्या उदरगतीक खूब उपेगाक पडटा. पूण जर पर्यावरणच नष्ट जायत जाल्यार पर्यटकांची ओड ती कितें उरतली? पर्यावरण रक्षण हो आमच्या जिविताचो आनी मरणाचो विशय कसो जावंक जाय. पर्यावरणाचें रक्षण करप हाजो अर्थ सैमी संपत्ती वापरप ना असो न्हय तर फकत सैमाकडलो आमचो संबंध सांबाळत साधें आयुष्य जगप, जेन्ना आमीं तशें करूंक फुडें सरतलें तेन्नाच खरीं पर्यावरणवादी जातलीं. भारतीय संस्कृतीन लेगीं हाणें व्हड म्हत्व मांडलां. 'वृक्षवल्ली आम्हा सोयरी वनचरें' म्हणपी संत तुकारामांच्या काळापासून तें चलत आयलां. सैमा इबाडून स्वताचें पोट भरू नाकात अशे विचार मांडपी जाय विचारवंत, लेखक आसात. गांधीजींनी उबारिल्ली 'खेड्यां वचात' ही चळवळ पर्यावरण रक्षणाच्या दृष्टिन कितली मोलाची आसा हें आयज आमच्या लक्षान येना. आमच्या गोंयांत आय पर्यावरणाच्या रक्षणेक भौसाचें व्हडा प्रमाणान फाटबळ मेळटा ह्याच आदारार फुडें सरुन ताजो जावपी दुरुपयोग थांबोवप आमचें कर्तव्य जावन आसा. सर्गेस्त इंदिरा गांधींच्या म्हणण्या प्रमाण, 'सगळ्या लोकांचो फुडार परजळीत जावपाखातीर सैमाची जतनाय आनी विकास तशीच रानटी जनावरांची राखण हांसांगड घालूंक जाय.' मनशाच्या विकासाखातीरच न्हंय तर तें अदी समृद्ध आनी सोबीत करपाखातीर पर्यावरणाची राखण करप भोव गरजेचें !

—

Consumers Be Aware of Your Rights

Any commodity in a packaged from should bear of declarations of the name of the commodity, net quantity, name and address of the manufacturer, month and year in which the commodity is manufactured or packed. Besides as per the ammenbmcnt, the manufacturers have to mark the following price :–

' Maximum Retail Price .... Inclusive of All Taxes '

The packages made on or before 30th November, 1990 and carrying the sale price declaration, ' Maximum Price - Local Taxes or Maximum Retail Paice ' are allowed to be sold till the stock of such packages are exhausted.

GOVERNMENT OF GOA

Office of the Controller Weights and Measures

PANAJI - GOA.

गोंयची अर्थवेवस्था

– सौ. सरिता सं. वेरेंकार
खोर्ली, म्हापशें

म्हाका याद आसा १९६५–६६ वर्सा स्व. माऊसायब बांदोडकरान जे तेन्ना गोंयचे मुखेलमंत्री आनी अर्थमंत्री आसले तांणी बिन–तुटीचो अर्थसंकल्प सादर केल्लो. त्या उपरांत म्हाका दिसना कोणे बिन–तुटीचो अर्थसंकल्प सादर केल्लो. वर्सान वर्स तुटीचे प्रमाण वाडत वना.

हे तुटीचे प्रमाण वाडटा कित्याक? जमेचो आनी खर्चाचो मेळ कित्याक बसना. ह्या सगळ्याक गोंयचे सगळे मुखेलमंत्री आनी अर्थमंत्री जापसालदार आसात. तांणी गोंयचो, गोंयच्या जनतेचो, गोंयच्या फुडाराचो केन्नाच विचार केलो ना. तांणी पळयली ती तांची खुर्ची. ती कोण हालोवंक सोदता, तांका कसो शह दिवप आनी आपणाली कदेल कशी घट्ट करप. आपणाली, आपल्या कुटुंबियाची आर्थिक उदरगत कशी करप ताका लागून गोंयच्या आर्थिक परिस्थितीचेर विचार करपाक तांका वेळ ना. म्हूण दिसान दीस गोंयची अर्थिक स्थिती खालावल्या.

आमी पळयलां सुटकेझुजाऱ्यानीं गोंय आनी भारत स्वतंत्र केलो. हुकूमशाय वचून लोकशाय आयली. पूण खूप खोलायेन विचार करताना अशें दिसता कीं, लोकशाय हो भारताक शाप जावन आसा. म्हूण एका तेपार भांगराचो देश आशिल्ल्या भारताक आतां अर्थवेवस्था सांबाळच्याखातीर आपले भांगर परदेशांत घाणाक दवरचे पडलें. तीच गजाल गोंयची. गोंयांत आपली भूंय भायल्या लोकाकडे घाणाक दवरूंक ना, तर ती विकल्या. पूण हांतून गोंयची परिस्थीती सुदारची ना. सुदारली जाल्यार मंत्र्याची संपत्ती, काल-पैर पासत जाच्या नांवार लाखाच्या रुपयाचे कर्ज आसले, तो मंत्री जातकच लाखांच्या रुपयांचो धनी कसो जालो. हे सांगपाक खंयच्याच अर्थशास्त्रज्ञाची गरज ना. आमचे सुपुल्ले गोंय चलोवंक १४ मंत्री कित्याक जाय. हेच राज्य चलोवपाक पयली फकत तीन मंत्री आसले. तिनाचें पांच जांव येता. चडान चड सात आसुयेता. ह्या चवदा मंत्र्याक खर्चाची तरतूद केल्या ४६ लाख म्हळ्यार एका मंत्र्या-फाटल्यान उणेच उणे साडेतीन लाख. कोणाच्या खुस्तार आनी कोणाचे बरे करूंक.

आतन्या– पयल्यांन दिल्लीक गोंयचे प्रस्न सोडोवंक. तुमकां सोडोवंक येयना जाल्यार मंत्री कित्याक जाले. ते भायर तांका तीन तीन गाडयो. हे मंत्री गोंयची अर्थ वेवस्था सांबाळटले?

तुटीची अर्थवेवस्था कित्याक. उत्पन्न कमी मेळटा आनी खर्च चढ वाडटा म्हूण! तर पयली गजाल म्हळ्यार उत्पन्न वाडोवंक जाय, आनी खर्च कमी करूंक जाय. सदाच तुटीचो अर्थ संकल्प दाखोवन भारत सरकाचेर कित्याक अबलंबून रावंक जाय आपले हांथरूण पळोवन आपणे पाय पसरूंक जाय. जर आमची ताक ना जाल्यार कित्याक व्हड व्हडले प्रकल्प गोंयांत जाय? उदरगत करूंक? कोणाची?... मंत्र्याची, आमदारांची, कॉन्ट्रॅक्टरांची कीं वरिष्ठ सरकारी नोकरांची.

फाटल्या वेवणूकेच्या वेळार आदलो सभापती सभांनी उलयतांना सदांच सांगतालो कीं, मगोच्या राजवटीत इतलें पयशें खर्च केले ताज्या दमपटीनी आमी कॉंग्रेसीनी गेल्या पांच वर्सान खर्च केलें. खर्च केले म्हणजे कितें केले? एका रस्त्याचे डांबरीकरण केले, तोच रस्तो परतून स म्हयन्यान सारको केलो. आज साबार गोंयान खंयचो रस्तो मोटारीनी वा मनशांनी चलपा सारको आसा! हें कित्याक जाता? हाका ब्युरोक्रॉसी म्हणटात. कोणाक कोण आयकना, युडीसी हेडक्लारकांक आयकना. हेडक्लार्क सुपरिंटेडाक, सुपरिंटेड सचिवाक आनी सचिव मंत्र्याक हे कित्याक? हांचे उतर 'चॅरिटीस बिगंन ॲट होम' ह्या उक्तीप्रमाण आसा. मंत्रीच जर सामको ना तर तो आपल्या नोकर वर्गाक देख कशी घालून दिवंक शकतलो.

गोंयाक घटक राज्य मेळतसावन केंद्राचे अनुदान कमी जालां. गेल्या दोन वर्सांची गजाल घेत जाल्यार १९९१–९२ वर्सा १७० कोटी येवजणेक फक्त ४२ कोटी अनुदान मेळलेले तर १९९२–९३ ह्या चालू वर्सा ६६ कोटी येवजणेक ५४ कोटी अनुदाग मेळटले. आता ११२ कोटी रूपयाची तूट कशी भरून काडप हो प्रस्न सरकाराक पडला. देखून चड अनुदान मागपाखातीर आनी गोंय राज्याक खासेलो दर्जो मागपाखातीर हालीच एक समिती वेचून काडील्ली. ती आता दिल्ली वचपा आसा.

इतके सगळे आसतानाय गोंय सरकार चार मंत्र्याक चार नव्यो गाडयो घेवपाक २० लाख मंजूर करतात ही हासपासारखी गजाल. मुखेलमंत्र्याक अर्थमंत्री ह्या नात्यान खऱ्यानींच गोंयची, गोंयच्या लोकांची सेवा करूंक जाय. तांका खऱ्यांनीच गोंयच्या फुडाराची गोंयच्या लोकांच्या हिताची तळमळ आसा जाल्यार तांणी ताबडतोब सकयल दिल्यां गोष्टींचो विचार करूंक जाय जेणेकरून गोंयची अर्थवेवस्था सुदारूंक मदत जातली.

१) मंत्रिमंडळाचो विस्तार अर्ध्यान कमी करचो जेणे करून २०–२२ लाख उरतले.

२) प्रशासनाचो खर्च धा टक्क्यानी कमी करचो जेणे करून ५५–५६ कोटी रुपये उरतले.

३) येणावळीचे उद्दिष्ट धा टक्क्यानी वाडवपाचे जेणेकरून ३७–३८ कोट रुपया सरकारी तिजोरीन जमा जातले.

४) हे सगळे करपाक प्रशासनाचेर कडक नदर दवरूंक जाय. तरूच हे शक्य आसा. पुण सवंग लोकप्रियतेच्या फाटल्यान लागिल्या आमच्या मंत्र्याकडे हे जायत?

–▣–

A tremendous roll in Steering Goa towards Progress and Prosperity

In centuries, Goa has earned the reputation of "Golden Goa" having been the Port of call for the trade-rich East-West sea routes.

Today Mormugao Port has played a crucial roll in accelerating the pace of industrial growth in Goa. Handling a sustained export of 13 million tonnes of ore – 40% of the country's total exports. Accounting for loading of 8.6 million tonnes through Port's own Mechanical ore Handling.

Complex at 100% capacity utilisation in 1990-91 Creating an impressive record.

At Mormugao Port the efforts are constantly on to cope with the incredible complexcities of iron Orc export operations – through modernisation and a commited managerial philosophy.

No wonder, Mormugao Port's roll in putting Goa on Industrial map of India is considered phenomenal.

MORMUGAO PORT TRUST

MORMUGAO – GOA – 403 803.

विनोदी नाटकुलें

नवो सोद

– मीना रेडकार

देखावो पयलो

(रमेशाले घर. रमेश कदेलार बसला. मशीनाक पळयता वय २१ ते २३. परेश रमेशालो दोस्त वय २१ ते २३ प्रवेश करता.)

परेश : (ताचे लक्ष मशीनाचेर वता) रमेश हे आनी किदें नवेच मुरे.

रमेश : तुका खबर ना. आमगेल्या कॉलेजीत प्रदर्शन आसा तें.

परेश : आरे हय विसरुनच गेल्लों. पूण प्रदर्शाचो म्हाका इंटरेस्ट ना. तुझ्यासारखी मशीना आनी हेर वस्तू तयार करपाक येना. नाटकांत काम करपाचे, भाषण उलोवपाचे, कवीता बरोवपाची, असले किदें आसल्यार सांग. हांव एका पायार तयार. म्हाका एक सांग तुवे हें किदे म्हणून केलां.

रमेश : अमेरीका, रशिया या देशांतले लोक रॉबट सारख्या मानवी मशीनाचो शोध लायतात, तसो हांवे एक शोध लायलो. हांगा पळय. हो पयलो बटन दाबतकच म्युझीक स्टार्ट जाता. दुसरो बटन दाबतकच लायट पेटता. आनी त्या लायटीचो फोकस मनशाचेर पडतकच मनीस नाचूंक लागता. जर नाचपाचे बंद करपाचे आसल्यार हो तिसरो बटन दांबपाचो. तुका अनुभव घेवपाक जाय.

परेश : हय.

रमेश : (यंत्राचो पयलो आनी दुसरो बटन दाबता.) परेश लायटीच्या फोकसा लागी यो. (परेश, लायटीच्या फोकस पडतकच नाचूंक लागता. थोड्या वेळान तिसरो बटन दामता. लायट आनी म्युझीक बंद जाता. आनी परेश नाचपाचो थांबता.

परेश : (दोगय हांसतात) मोठे अजापूच मरे. हांवें असल्ले केन्नाच पळोंक ना. जे कोण प्रदर्शन पळोवपाक येता ते सगळे नाचपाक लागतले आनी प्रदर्शन पळोवपाचे उरतले. सगळेजण तुगेली तोंखणाय करतले.

रमेश : चल आमी मात्शे. भायर वचून येवया. (दोगय वतात)

देखावो दुसरो

(सजावट पयलीच्या भशेन. स्टेजीर कोणीच नासता. रमेशाली धाकली भावंडा रेश्मा आनी सागर प्रवेश करतात.)

रेश्मा : शू ऽऽ शू ऽऽ बोबाळ करूं नाका.

सागर : म्हाका भिरांत दिसता. माईन आमकां हांगा पळेंत जाल्यार उलयतलो.

रेश्मा : भिनाका रे, भाई भाताच भोवपाक गेला. हांवें आतां जनेलातल्यान पळयला.

सागर : चल आमी लिपच्यानी खेळंया. (सागर लिपपाक वता. तेन्ना तागेले लक्ष त्या यंत्राचेर वता.) रेश्मा हांगा पळेला किदें आसा ते.

रेश्मा : हय मरे.

सागर : (पयलो आनी दुसरो बटन दाबता. म्युझीक स्टार्ट जाता आनी लायटीचो फोकस पडता. तो फोकस तांचेर पडतकच दोगांय नाचूंक लागतां. तांची भयण सरीता प्रवेश करता. वय १६ वर्सा पंजाबी ड्रेस घाला.)

सरीतां : सागर, रेश्मा सोमाराक तुमच्यो परिक्षा सुरू जातल्यो. अभ्यास करपाचो सोडून तुमी हांगा नाचूंक लागल्यात. चलात पयली बसात अभ्यासाक. (ती तांच्या फुडचात वता. लायटीचो फोकस तिचेर पडतां. ती नाचूंक लागता. भुरग्यांक सोदपाक तांगेली आई प्रवेश करतां. वय ५० च्या सुमाराक.)

आई : आगो सरीता, तू सुद्धा तांच्याबरोबर नाचूंक लागलां. मॅट्रिकेचो अभ्यास तुजो. तो अभ्यास करपाचो सोडून नाचूंक लागलां. घालू कमरार एक खोट ! (तिचेर लायटीचो फोकस पडतां आनी तीसुद्धां नाचूंक लागता. रमेशालो बापूय बाप्पा प्रवेश करतां. वय ५५ च्या सुमाराक. धोतीर आनी शर्ट घातलां.

बाप्पा : आगे, तूं सुद्धा भुरग्याबरोबर नाचपाक लागली. तुकां मात्शी तरी लज दिसतां कांय ना ? मनाची नाजाल्यार जनाची तरी लज आसा कांय ना ? 'म्हातारपणात तरणेपण येता' ही गोष्ट आयज पटली म्हाका! आयकला हय गे, बांगडे हाडल्या. बांगड्याची चमचमीत उडुमेथी कर, चल बेगीन. (तो तिच्या फुडचात वतां. लायटिचो फोकस तांचेर पडतां. तो नाचूंक लागता. कांय वेळान रमेश, परेश भायरसून येता.)

रमेश : आई, बाप्पा तूमी सगळीच ! (सगळी नाचता ती पळोवन तो हांसपाक लागतां. हांसत हांसत तिसरो बटन दाबता. सगळी घुंवळ येवन पडता)

रेश्मा सागर सरिता : भाई, हे कितें ?

आई : पूता हें कितें ?

रमेश : हो म्हगेलो नवो सोद !

आई : नवो सोद !

बाप्पा : आनी कर्मा भोग !

(पड्डो पट्टा)

Farmers' Prosperity Through Directorate of Agriculture

PANAJI-GOA

1 Supply of Quality Horticultural Planting Material like Coconut Mango, Cashew, Papaya, Drumstick, Oil Palm, Banana, etc. at Subsidized Rates.

2 Assistance Provided for Demonstrations of Pepper in Coconut and Arecanut.

3 Subsidy for creating Irrigation facilities in Horticultural Crops.

4 Subsidy for Establishing Drip Irrigation System in Horticultural Crops.

5 Subsidy on Pesticides to Control Koleroga in Arecanut.

6 Supply of Fruit Plants for Establishing Nutritional Gardens in Rural Areas Free of Cost.

7 Subsidy to Paddy Cultivators for Purchase of Pesticides, Weedicides, Agriculture Implements/Plant Protection Equipments and Power Tiller.

8 Subsidy on Kitchen Garden Kit.

9 Supply of Quality Seeds of Pulses, Groundnut, Vegetable and Paddy.

10 Conducting Demonstrations for Pulses, Groundnut, Paddy, Sugarcane, Green Manuring, Soil Conditioners, etc.

11 Subsidy on Sugarcane Demonstration, Stone Wall / Electrical Fencing and Transportation of Seed Material from outside State.

12 Financial and Technical Assistance for Bio-Gas Plant Construction.

For further details contact your nearest Zonal Agricultural Office.

Issued by :

Directorate of Agriculture,
GOVERNMENT OF GOA,
PANAJI-GOA.

दिवाळी अभिनंदन !

अदूंचे दिवाळेक
एक आगळोच अर्थ आसा.

गोंय राज्यान अनिष्ट प्रवृत्ती आनी समाजविरोधी घटकांचेर जैत मेळयल्यान घरांघरांत शांतताय आनी समाधान रिगिल्लें आसतनाच अदूंची दिवाळी खऱ्या अर्थान नवी खुशालकाय आनी सौख्य घेवन येता. . .

गांवांगांवांनी उमेदीचें वातावरण फांकारिल्लें आसा. शेत-कामती आनी कामगार वर्गांक कितल्योशोच सोयी सवलती मेळिल्ल्यान आयजमेरेनच्या दिपोत्सवांपरस ही दिवाळी चैतन्य दिवपी थारल्या. ते भायर आतां गोंय शंबर टक्के साक्षरतायेचें ध्येय हातासपाक सिद्ध जाल्लें आसा. . . .

सगल्यांक समान नीत, समान संदी हांच्या घटमूट बुन्यादीचेर परिवर्तन घडोवन हाडून एक नवी समाजवेवस्था हाडपाच्या निश्चेवान **श्री. रवी नायक** हांच्या फुडारपणाखाला गोंय फुडे सरत आसा. . . .

म्हायती आनी प्रसिद्धी खातें

गोंय सरकार

हांणी उजवाडायला.

बालगीतांच्यो कॅसेटी

वाढदिसानिमतान भुरग्यांक भेटयात
बालगीतांच्यो आयकुपाच्यो कॅसेटी –

१) गोंयची बालगीतां

नाचगीतां, खेळगीतां (भाग – १)

(Goan Nursery Songs & Rhymes
Educational Cassette)

२) कोंकणी बालगीतां

भुरग्यांक ह्यो कॅसेटी भेटोवप म्हुटल्यार शिक्षणीक आनी संस्कृतीक दायज भेटोव.

कॅसेटी खातीर
बरयात व भेटात –
हिरा तुकाराम शेट
बालगीत निकेतन
वाळकेश्वरवाडो
बेती, बार्देश,
गोंय – ४०३ १०१.

कॅसेटी हांगाय मेळतात –
कोंकणी भाशा मंडळ
मडगांव आनी पणजी कचेरी
व्ही. पी. सिनारी
मडगांव आनी पणजी

सकयली पुस्तकां आमचेकडे मेळटात –
धालो (लोकवेद)
माती (कविता झेलो)
पाखलो (कादंबरी)
भेटात वा बरयात

कोंकण टायम्स प्रकाशन
वाळकेश्वरवाडो
बेती, बार्देश, गोंय – ४०३ १०१.

K. Gokuldas Prabhu
Corporation Bank
Regional office
Udupi - 576101